मासिक बिम्ब

कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब

जुलाय 2007

साहित्यीक मळार
राजकारण भितर सरता
तेन्ना म्हाका निर्शेणीं येता

गौंयची संस्कृताय म्हळ्यार एकूच शेतकी संस्कृताय!

गोंय सरकार

भौशीक बांदकाम खातें

गोंय राज्यांत बांदकाम वावरा वरवीं उदरगत आनी भरभराट हाडपा पासत वावुरता.

तीं म्हळ्यार –

अ) रस्ते आनी पूल – म्हामार्ग, मुखेल रस्ते आनी गांवगिऱ्या रस्त्यांसयत.

ब) संस्थात्मक प्रकल्प आनी हेर भौशीक इमारती.

क) मुखेल उदका पुरवण येवजण्यो, सांडपाणी येवजण आनी उण्या खर्चाची स्वच्छताय कामां जशीं सुलभ सौचालयां.

उ) व्हांवत्या उदका संबंदी जशे रांप आनी जेटी.

इ) खेळां सुविधायो जशे स्टेडियम आनी स्वीमींग पूल तशेंच शहरी आनी गांवगिऱ्या वाठारांत हेर नागरी कामां.

*** उदरगती मार्फत प्रगती आनी भरभराट.**

१. जन्म–मृत्यू नोंदणी कायदो, 1969 खाल जन्म–मृत्यू हाची नोंदणी सक्तीची आसा.

वर्स : ६ अंक ०७

जुलाय 2007

मोल 10 रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
सह्याद्री ऑफसेट, खोर्ली-तिसवाडी

मार्केटींग व्यवस्थापन
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नाईक

भुरग्यांआंगण संपादन
नयना आडारकार

वर्गणीचे दर
वर्सुकी २०० रु. / तीन वर्सां ५५० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन
वर्गणीदार जांव येता. वर्गणीचो चेक
'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
जी.एस.बी.-३, हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी,
पोस्ट आल्त-पर्वरी,
आल्त बेती - ४०३ ५२१
दूरध्वनी : (०८३२) २४११५९४
E-mail : bimbkonkani@yahoo.com.in

ह्या अंकांत उक्तायल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचेकडेन सहमत आसतच अशें ना.

कोंकणी मासिक
बिम्ब

(५)

गोंयची संस्कृताय म्हळ्यार
फकत शेतकी संस्कृताय
ती तिगोवंक जाय !!!

- दिलीप बोरकार

संपादकीय /३

प्रतिबिम्ब /४

गोंदू - न. ध. बोरकार /११

पडवेर - शितल आरोलकार/१५

कथा - रा. ग. गावडे/१७

भुरग्यांचें आंगण - रिम्मी प्रियोळकार, आतिश पालव, सिध्दी प्रियोळकार, हिरण्येश आडारकार, सुनिता सुभाष शाह, सरस्वती नाईक, श्रध्दा रजपूत, आदित्या भोसले, सदानंद तेंडुलकार, शितल आरोलकार, भिकाजी घाणेकार, बाबनी मापारी, आयुषी शेटये,/२१

दिका - विन्सी क्वाद्रूस /२९

मनसंवेदना - दिपा दिलीप खोलकार, मयूर कंटक, इंदू अशोक गेरसप्पे, प्रितेश मंगेश परसाई, सुनील पालकार, राजश्री सैल आनी फिलोमेना सांफ्रांसिस्क /३१

पडवेर - रामकृष्ण जुवारकार/३९

दायज - फादर मोरेन द सौजा/४०

भलायकी - वंदना धुमे / ४४

उतरकुवाडें - /४५

प्रासंगीक - मार्कोस गोन्साल्वीस/४६

संवाद - मीना काकोडकार/४८

काळचक्र - /५३

हरयाळी - महेश दिवेकार/५४

एक हायली फिलॉसॉफीकल कॉलम - दिलीप बोरकार/५५

व्यक्तित्व - /५६

वाहन चलयतना मोबायलाक म्हणात ना



वाहन चलयतना मोबायलाचेर उलोवंक कायद्यान बंदी आसा.

जनहिता पासत उजवाडावणी

रस्तो अपघातांतलीं मरणां आनी दुखापती उण्यो करप हीच आमची मोख.

TRAFFIC POLICE GOA

संपादकीय

दिगंबर कामती फाटल्यान सर्व सामान्यांनी रावचें !

सद्या राजकारण म्हळ्यार चोरांचो बाजार जाला. सद्या सत्ता हातासपा खातीर मंत्रीपदां, महामंडळां मेळोवपा खातीर वेंचून आयिल्ल्या लोक प्रतिनिधीनी जें कितें चलयलां तें पळयत जाल्यार आमचें गोंय खंयचे दिकेन वता काय? हो प्रस्न पडले बगर रावना.

आयज वेंचून आयिल्ले जे कोण तथाकथीत लोकप्रतिनिधी आसात तांची चूक करप, तांकां खेपप म्हळ्यार आमचींच पिशेंपणां! हे वेंचणुकेंत मतदारांनी जो कौल दिला ताचीं फळां सगळ्यांक भोगपाकूच जाय आनी हातुंतल्यान चडांत चड कितें बरें घडटा ताचे विशी समादान मानूंक जाय. कित्याक आयची परिस्थिती वेंचून आयिल्ल्या आनी आतां मंत्रिपदां आनी खात्यां खातीर उपास तपास करपी, आमदारकीचो राजिनामो दिवपाच्यो धमकी दिवपी सगळ्यांनी हे वेंचणुकेंत लाखानी रूपया खर्च केल्यात. वेंचणूक आयोगान खर्चाचे रकमेचेर मर्यादा घालून लेगीत आयज एक एका मतदार संघांत अडीच-अडीच कोटी आनी उण्यांत उणे ८० लाख रूपया तरी खर्च केल्यात अशें फकत सर्व सामान्य जनताच न्हय तर सरकारी यंत्रणाय उलयता.

म्हणटकच ह्या लोकांनी ह्या धंद्यांत भांडवल ओतलां आनी तें ओतपा खातीर मतदारांनी तांकां प्रोत्साहन दिलां, तें भांडवल व्याजा सयत पयलीं भरून काडूंक आनी मागीर ताचेर फायदो जोडूंक ह्या लोकांक चडांत चड जंय खावंक मेळटा असलीं खातीं आनी म्हामंडळां जाय. ना तर अमुकूच खातें आपल्याक मेळचें म्हूण मुखेल मंत्र्याक नाका शेवट करपाची घडणूक आमकां अणभवूंक मेळची नाशिल्ली.

आयज हें सगळें पळोवनूय आमकां तोंड धापून ओगी रावचें पडटा, कारण चूक आमी केल्या. जे कोण मंत्रिपदां आनी खात्यां पासत झगडटात ताणी धंद्यांत दुडू ओतला तो तांकां भरून काडुंकूच जाय. तांकां कोणाच्यान कांय म्हूणूं नज! जर धंद्यातले 'एथीक्स' आमकां मानून घेवपाचे आसत जाल्यार सद्या आमकां असोच विचार करचो पडटलो. पूण आमकां दोश दिवपाचोच आसत जाल्यार जाणीं ही परिस्थिती निर्माण केल्या त्या मतदारांक आनी आमच्या सारख्या तथाकथीत बुध्दिवाद्यांक आनी सुशिक्षितांक दिवंक जाय.

जांचे कडेन स्नायुबळ आसा तांकां ताचो वापर कसो करूं येता हें खबर आसा. ताणीं तो हे वेंचणुकेंत करून दाखयला. जांचे कडेन पयशांचें बळ आसा तांकां ताचो वापर कसो आनी खंय करूंक जाय हें खबर आसा. हे वेंचणुकेंत ताणीं तो वेवस्तीत केला. पूण जांचेकडेन बुद्द आध्द·आसा ताका बुद्दीन कितें करूं येता हें खबर ना. जांचे कडेन चारित्र्य आसा तांकां तांच्या चरित्र्याच्या मालवजार कितें करूं येता हें खबर ना.

हे वेंचणुकेंत स्नायुबळ आशिल्ल्यानी त्या बळाचेर विश्वास दवरलो. दुडवांकारांनी दुडवांचेर विश्वास दवरलो. पूण बुध्दिवाद्यांनी, चारित्र्यवानानी आपले बुध्दिचेर आनी चारित्र्याचेर विश्वास दवरलो ना. हे विश्वास घालोवन बशिल्ले बुध्दिवादी चारित्र्यवान लोक दरेक वेंचणुकेंत दुबळे जावन घरांत बसतात देखून आयज ही परिस्थिती उप्रासल्या, हे अशेच दुबळे जावन रावले जाल्यार फुडाराकूय ही अशीच परिस्थिती येतली. म्हणटकच दोश दिवंक जाय तो ह्या दुबळ्या, आपले बुध्दिचेर चारित्र्याचेर विस्वास नाशिल्ल्या भोवसंख्य लोकांक.

आयज जें चल्लां तें बदलतलो जाल्यार राजकारण ही अळशीक म्हूण जे ताचे पसून कुशीक रावतात त्या आमच्या बुध्दिमान आनी चारित्र्यवान लोकांनी सक्रीय राजकारणांत पडूंक जाय. ताणीं समाजाचेर आपलो प्रभाव घालूंक जाय. कोणाच्याय हातात आमी राज्य वचूक दिवचे नात म्हणपाचो नित्शय करूंक जाय. तांकां नाका जाल्यार ताणीं आमदार-मंत्री जावचें न्हय. पुणून आमदार-मंत्री कोणें जांवचें हाची जतनाय घेवंक जाय. मतदाना खातीर मतदारांक भायर काडूंक चोंब्यानी जशे गांवचे हुंवाळून उडयल्ले लोक घराघरानी भोंवतात तशे ह्या बुध्दिवादी, चारित्र्यवानानी त्या दिसानी घराघरांनी वचून आपल्या विचारांच्या लोकांक मतदानाक मुखार काडूंक जाय. तांका तांच्या अधिकाराचो विस्वास जागोवंक जाय.

आता आमकां दुश्ट-पाड्या-भ्रश्ट लोकां आड झुजपाचें ना. आमकां आतां बऱ्या लोकां आड झुजूंक जाय. समाजांतले बरे लोक दुबळेपणान कडेक रावतात तेन्ना पाड्या, दुश्ट लोकांचीं धुमशेणां आपशीच वाडटात. पाड्या लोकांच्या दुश्टपणा परस बऱ्या लोकांचीं दुबळेपणां आमकां हे वेंचणुकेंत भुजल्यांत. मागीर गाळी कोणाक घालप?

ह्या सगळ्या वातावरणांत आनी परिस्थितींत ह्या खिणाक तरी एक बरी गजाल घडल्या ती म्हळ्यार दिगंबर कामती सारको एक पिपल्स फ्रेंडली मनीस मुखेल मंत्री जाला. आयजवेर गोंयांत बादोडकार सोडलो जाल्यार एकलोय पिपल्स फ्रेंडली मुखेलमंत्री जालो ना. जे कोण जाले तांचे पसून जनता सदांच पयस रावली आनी तांकां लागीं रावले ते राजकीय धंदेकार.

मुखेलमंत्री जायतसावन दिगंबर कामत सर्वसामान्य लोकांक आनी त्याय परस बुध्दिवादी आनी चरित्र्यवानाक चड लागीं रावता, चड मान दिता तें पळयल्यार ही व्यक्ती निश्चितूच आम लोकांची जावंक पावतली अशें दिसता. पूण असल्यो व्यक्ती ह्या पदाचेर चड काळ तिगनांत सैतान तांकां थंय तिगूंक दिनांत. तेन्ना चुकून लाबिल्ली ही व्यक्ती थंय तिगची म्हूण तरी तांचे फाटल्यान सर्व सामान्य लोकांनी रावचें!

आयच्या ह्या वाळवंटांत दिगंबर कामती सारखे मृगजळ! थाकाय दिवंक पावतलें.

प्रतिबिम्ब

शी! विटयलें बाबा लोकांनी!

मा. संपादक,

हांव भाजपाचो एक खंदो कार्यकर्तो. आमचो पक्ष सत्तेर येवचो म्हण हांव फाटल्या दोन वेंचणुका सावन हिरिरीन पक्षाचें कार्य करतां. हे खेप काँग्रेस पक्षान प्रादेशीक आराखडो, पक्षांतल्या मंत्र्यांनी केल्लो भ्रश्टाचार (भलायकी खात्यांतल्या कर्मचाऱ्यांक कायम करपा खातीर तांचे कडल्यान घेतिल्ले दुडू) पळयत जाल्यार ह्या पक्षाचे बारा ब्रेस्तार आनी तेरा शुक्रार जावन भोयो भोयो जातल्यो आनी भाजपा भोवमतान सत्तेर येतलो अशें दिशिल्लें.

पूण लोकांनी भाजपा आड कौल दिलो अशें हांव म्हणना कित्याक खूब मतदार संघांनी मतांची विभागणी जावन भाजपाचे उमेदवार वेचून येवंक पावले नात. ताका लागून भाजपाचें सरकार येवंक ना. पूण आज मतदारांनी जे तरेन कौल दिला आनी एक अस्थीर सरकाराची उभारणी केल्या ती पळयल्यार आनी सत्ता हातासपा खातीर, मंत्रीपदां भोगपा खातीर ह्या नालायक आनी निर्लज लोकांनी जे कितें खेळ मांडल्यात तें पळयल्यार, पाड पडूं! काँग्रेस पक्षाक तरी पुर्ण भोवमत मेळून एकाच पक्षाचें तरी सरकार येवचें आशिल्लें अशें दिसूंक लागलां.

आमकां गोंयकारांक ह्या मुखार बरें सरकार म्हणटात तें नशिबांत ना. ह्या मुखार जे कोण येतले ते अशेच राजकारणाचो धंदो करपी आसतले. अशे वेळार आमचे सारख्या लोकांनी कितें करचें हेंच समजना. म्हजे सारख्याक इतलें वावरून लेगीत आयज अशेंच म्हणचें पडटा. शी! विटयलें बाबा लोकांनी!

– शेखर म्हापशेकार
पणजे

संवसाराक बुध्द विचारांची प्रेरणां जाय

मा. संपादक,

मे म्हयन्यांतल्या बिम्ब मासिकांतल्या साहित्या भशेनूच जून म्हयन्यांतल्या बिम्ब मासिकांतलें साहित्य खूब आवडलें. बाब रवीन्द्र केळेकारांचो विचार मंथन आनी राजू नायक हाणी बरयल्ली निमणें झूंज धर्मवादा आड ही शिर्शकथा राजकारणाचो मागोवो घेता. आमचें गोंयचें राजकारण हें धापेता, खर्शेता, इबाडल्यावरीं दिसतना हे लेख वाचून आशावाद कार्यरत जाता.

अंतर्मनांतले अंतरंगांत आशिल्ल्या पिंपळाच्या रूखा सकयल बस नासतना बुध्दा भशेन उजवाड पडलो हो विचार आवडलो. आयज खरें म्हळ्यार गोंयां वांगडाच आमच्या पुराय देशाकूच न्हय तर आख्ख्या संवसाराक बुध्द विचारांची प्रेरणां जाय. जाल्यारच आमचें गोंय, आमचो भारत देश आनी आमचो पुराय संवसार सूखमय जिणें अणभवतलो. सांगपाचें म्हणल्यार आमी सगळ्यांनीं बुध्द आचार विचार आपणावपाची गरज आसा.

आमचे संस्कृतायेंत दानाक व्हड म्हत्व दिलां आनी आसाय बी. कर्णान इंद्राक आपणालें कवच कुंडल दिल्लें, राजा हरिश्चंद्रान दिल्ल्या वचनाची पुर्तताये खातीर स्वताचें राज्य ऋशिमुनीक दान केलें. शिबी राजान एका होल्याचे (पक्षी) प्राण वाचोवपाखातीर ससाण्याक आपणाचे मांडयेचें कातरून दिल्लें मास, तर राकेसांच्या त्रासा पसून सगल्यांक मुक्त करचे पासत दधीची ऋशीन वज्र करपा खातीर आपणाचीं दिल्लीं हाडां हीं दानां म्हण अजरंवर थारल्यांत. पूण आयच्या कलियुगांत मतदान हें आमी केल्लें दान कितलें आदर्श जालां हें जुनांत जाल्ले विधानसभेच्या वेंचणुकेवेल्यान दिसून येता. ताका आमी दान म्हणप कितलें समा जातलें?

– प्रितेश मंगेश परसाई
देऊळ वाडो, हरमल-पेडणें

बिम्ब सरकारी अधिकाऱ्यांक पाव

संपादक,

सरकारी खात्यांतल्या मुखेल्य वर्तमानपत्रां, नेमाळीं आनी अशेच त साहित्य विकतें घेवपाची तजवीज आसत आमच्या खात्यांत तरी हीं विकतीं घेता पूण बिम्ब मासिक इतलें दर्जेदार आ म्हायतीन पुरेपूर भरिल्लें आसतनाय आमच्या खात्यांत अजून आयिल्लें पळोवं ना. तशेंच तें हेर खात्यांतूय विकतें घेन अशें हेर खात्यांतल्यो म्हज्यो इश्टिणी विश येता तेन्ना सांगतात. जेवणाचे सुटयेंत ज हेर वर्तमानपत्रां जांव नेमाळीं चाळपा मेळटा तशें बिम्ब मासिक चाळूंक मेळ अशें म्हाका दिसता. तेन्ना तुमी खात्याच्च दरेक मुखेल्याक तुमचें मासिक विकतें घेवं कित्याक विनयनात?

तशेंच म्हायती खातें, मंत्री आन आमदार तशेच सरकारांतले व्हडले व्हड अधिकारी हीं नेमाळीं विकतीं घेवन तांच्य राबित्यार पावयतात. ते वाचतात काय कि खबर ना पूण पानवेलिच्या धर्मान मसगा उदक तशें तांकां आयिल्लीं नेमाळीं हेरां तरी वाचूंक मेळटात. तशी तुमी वेवस्थ कित्याक करिनात?

– एक महिला कर्मचारी, रान खा

गोंयची संस्कृताय म्हळ्यार एकूच शेतकी संस्कृताय तिचें संवर्धन जाय!

- दिलीप बोरकार

गीम तापला. मदीं मदीं मळबांत खंयतरी कुपां ताकतिकेन वतात तीं दिसतात.. मदींच वाऱ्याची थंड झुळूक वो नेटाचो वारो येवन माती उबोवन वता. सांज जातां जातां मळबांत खंय तरी जोगलावणें मारून वता पूण गडगड नासता.

गोंयच्या शेतकामत्याक सैमाची ही शिटकावणी पुरो आसता. तो आपल्या घरच्यां सैत सांजवेळचो शेतांत देंवता. शेतांत रोयिल्लें पीक सोपल्या उप्रांत उरिल्ल्यो काळगांच्यो सुकिल्ल्यो वाली, वायगिणीचीं ताडां, अळसांदे, उडीद बी हांचीं झोपां हुमटून पुराय शेतांत हांगा थंय राशी घालता.

शेतांत आशीकुशीच्या भाटांतल्या आंबे, पणस, जांबळी, वड बी रूखांचो सुकिल्लो पालो-पोतरो वाऱ्यान हुबून शेतांत पडिल्लो आसता. तोय हो शेतकार सान्नी खुटारो वो दांतो घेवन एकठांय करता. ह्या कामाक ताका बायल भुरगीं, सुनो, धुवो मजत करतात. कोण पोतरो जमयता तर कोण त्या पोतऱ्याक उजो घालता. त्या उज्याक वारोय सांगात दिता आनी पोतरो, ताडां, झोपां सगळीं भरभरीत जळटात. शेतांतलो धुंवराचो लोट वयर वयर मळबांत वता.

हें सगळें करतना ताणें आपलीं शेतकामाक लागपी सगळीं आयुदां पयलींच सोदून बिदून साफ करून दवरिल्लीं आसतात.

कुदळ, खोऱ्याक दांडो घाल्लोआसता, कोयत्याक थोरूं घाल्लें आसता. नांगराक खंय फुटाळ जांव मेर जांव चीर गेल्ली आसा ती तपासून गरज भासल्यार मेस्ताकडल्यान दुसरो नांगर करून घेतिल्लो आसता.

शेतांतलो पालो पोतरो ल्हासून जालो म्हणटकच शेतकामती घराकडेन गोठ्या भायर गायरींत जमोवन दवरिल्लो गोबरी शेतांत शिपडावपाक मेकळो. शेतकामती शिंयाक आरंब जालो म्हणटकच गोठ्यांतल्या शेणाच्यो शेणी थापता. ह्यो शेणी भात उकडूंक, उदक तापोवंक, रांदूंक जळण म्हूण वापरतात. पूण पावसाक आरंब जालो म्हणटकच शेणी थापूंक मेळनांत. म्हणटकच हें शेण भरभरून गायरींत उडयतात. ताचे वयर पालो आनी रान्नीतलो गोबोर उडयतात आनी तयार जाता ही गोबरी. उच्च दर्जाचें शेणखत. घराकडले सगळे लोक आपल्याकडेन पेलता ते प्रमाण ही गायरींतली गोबरी माथ्यार मारून शेतांत हाडून उडयतात. कोण ती शेतभर पसरायता.

मागीर शेतकामती वो शेतकामत्याचो जुवान पूत नांगर खांदार मारून, सणसणीत पाड्यांची, वो रेड्यांची जोडी इरी इरी करीत शेतांत घेवन येता. पुराय शेत नांगरून काडटा.

पोतरो-पालो, झाडां बी ल्हाशिल्लो ताचो गोबोर आनी बऱ्याच दिसांनी गायरींत जमिल्ली गोबरी शेतांतले मातयेंत हे नांगरणीक लागून भरसून वता. हें सगळें करून ही कमावन दवरिल्ली जमीन तो पावसाचे प्रतिक्षेक सोडटा आनी आपूण तरवो घालूंक लागता.

शेतांतल्या ओंड्या लागसार ताणें ह्या आदींच धा-बारा मेत्र लांबाय रूंदायेची जमीन बरी साफ करून तातूंत तरव्या खातीर बियाणें घालून, ओंड्यांतल्या उदकान तें शिपून तरवो वयर काडिल्लो आसता.

हो तरवो तयार करूंक ताणें बीं सुगूर करून दवरिल्लें आसता. आपले आवडी प्रमाण करंगूट, मुणें, खोचरी, शिट्टो, शिड्डी, आजगो, काळोखी, कोनफिरसाळ, जिरेसाळ, मोदीया मांडला हातुंतलें खंयचेंय बियाणे पोरूंच बरें घटमूठ बांदून दवरिल्लें. आपल्या प्रमाण हेर कोणाय शेतकामती भावाक ताची गरज पडत म्हूण!

इतले म्हणसर जुनाचें पयलें सप्तक सरता. मळबांत कुपांनी दाटी केल्ली आसता. मदीं मदीं पावस आपली हजेरी लावन गेल्लो आसता. पूण फाव तसो पावसाक नेट नासता.

पूण मीर्ग लागलें म्हणटकच पावस आटापाक येना. क्रिस्तावांचे मीर्ग एक वर्सा सुकें वता आनी हिन्दुवांचे मीर्ग ओलें येता. तर एक वर्सा हिन्दवाच्या मिर्गाक पावस सुकयता जाल्यार क्रिस्तावांच्या मिर्गाक दडकानी पावस रकता.

हिन्दू, क्रिस्तांव हांचीं मिर्गां वेगवेगळीं आसलीं तरी तीं लागीं लागीं आशिल्ल्यान मृग नक्षत्राक पावसाक खरो आरंब जाता आनी मानाय माथ्यार कांबळ घेवन जोत घेवन शेतांत देंवता. आतां शेतांत एकलो जोतकार नासता. पेद्रूच्या जोता वांगडा ताच्या शेतांत नागूलेंय जोत चलता. पेद्रूलें शेत नांगरून जालें म्हणटकच पेद्रूक आपलें जोत

घेवन नागूलें शेत नांगरूंक जोत घेवन वचपाचें आसता.

शेत नांगरून जालें म्हणटकच वो नांगरणी चालू आसतना कामेऱ्यां थाम हुमटितात आनी ताच्यो चुडयो बांदतात शेतकामत्यां रोव उडोवन केल्ल्या तरव्यातलें थाम काडटना कामेऱ्यांचे कण्णे बरे हालतात. ते हालतनाच तांच्या तोंडांतल्यान रसाळ गीतां भाय सरतात. ओवयो, धालो, धुल्पदां हांचे सुरार थामां धोलतात, रूख मान हालयतात आनी पावसाच्यो दडको आगळेच लयेन सकयत घालून घेतात. तांचें तें पडप सकयल कण्णो घालून ओणव्यान था रोपपी कामेऱ्यांच्या मल्लांच्या कण्ण्यार पडून त्रिताल वाजयतात.

ही गजाल खंयचे कादंबरींतली वो रचून सांगिल्ली काल्पनीक न्हय. म्हज्या दोळ्यांनी हांवें भुरगेपणार म्हज्या गांवांत वं गोंयच्या खेड्यांनी तीस-चाळीस वर्सां पयलीं पळयिल्ली गजाल.

गोंय सुटके उप्रांत लेगीत हें वातावरण गोंयच्या साबा वाठारांनी अणभवाक येताले आनी आतां?

आतां तींच शेतां पुरोवन थंयसर व्हडल्यो व्हडल्यो कॉलनी जाल्यात, वो त्या शेतांत खेळा मैदान जालां, कांय शेतां फाटलीं चार-पांच वर्सां पडींग पडून आसात. आपल्या भुरगे बाळां सयत सुनां धुव सयत जे कोण एका काळार हीं शेतां कसतालीं तीं जाण्टे पिरायेक लागून घरांत हांतुणार पडून आसात. तांचे पुतूच न्हय तर आतां सुनो आनी नातरां लेगीत पॅरीस, लंडन आनी आखाती देशानी वचून रावल्यांत. वर्सा-दोन वर्सांनी येतात. मांय-पायचे हातार दुडू उडोवन वतात.

कांय जाणांचे पूत सून शारांत गेल्यात. थंय खासगी वो सरकारी नोकरी करतात आनी गृहनिर्माण मंडळाचो फ्लॅट घेवन थंयच रावतात. तांचीं भुरगींय थंय बरेऽ शाळेंत शिकतात. तांचें आपले घरा येवप जाता तें चवथीक. स्कुटर वा गाडी घेवन गणपती पावन मागीर तांचें रातोरात परतप जाता. फ्लॅटांत चोरी जावपाचो हुस्को!

घराच्या शेताची याद जाता ती नवें काडपाच्या वेळार. 'रोयल्लें जाल्यार आज नवें तरी दुसऱ्याल्या शेतांतल्यान हाडचें पडपाचें नाशिल्लें!' अशी घरचे जाण्टेलेन पिरंगण करतकच!

आमी गोंय, गोंयकार, गोंयची संस्कृताय, दायज अश्या खुपश्या विशयांचेर भासाभास करतात. आमची गोंयकारांची संस्कृताय वेगळी म्हूण सांगत ती तिगोवन दवरपा खातीर आड्ड्यो मारतात. पूण जाका आमी ॲग्रीकल्चर-शेतकी संस्कृताय म्हणटात ती संस्कृताय ना नपयत जायत चल्ल्या. तिचो कोणाक हुसको जाल्लो दिसना. आमची ही निजाची संस्कृताय तिगोवन दवरपाविशीं फाव तसो विचार आज आमी करतात अशें दिसना.

हजारांनी वर्सां आदीं (कोण म्हणटात दोन हजार वर्सां जालीं) आमचे पुर्वज सुपीक जमीन वसोवपाच्या हावेसान भोंवत भोंवत गोंयचे भुंयेर पावले. हांगचे नुस्त्यान भरिल्ले दर्या, न्हंयो, पोयों, नाल्लानीं भरिल्ले माड आनी सरसकट सपाट जमीन पळोवन ते भुल्लुसले आनी हेंच आपलें वसतीचें ठिकाण मानून राबितो करून रावले. तार्णी गोंयांत शेतां वसयलीं, खाजनां पिकयलीं, बांद आडे घाले. गोंयांत शेतकी संस्कृताय केळयली. मागीर ती हांगच्या मूळ गोंयकारांनी आसूं वो जमीन सोदीत येवन हांगा स्थायिक जाल्ल्या हेर परराज्यांतल्या आमच्या पुर्वजांनी जांव.

शेतकी संस्कृतायेची गरज वळखून हांगा सैमान तयार केल्ल्या शेतां वांगडाच पाड जमीन शेतकी लागवडी खाला हाडपा खातीर तिची मशागत केली. पावसाच्या उदकाचेर निंबून रावून फक्त त्याच काळार शेतां पिकयलीं जाल्यार तीं फुडाराक पावपाचीं ना हें वळखून पावसाचें उदक आडावपा पासत तळीं बांदलीं, ओंडे खणले आनी वांयगण रोवपाक आरंब केलो. दर्याच्याच चिखलान बांद बांदून दर्यातली जमीन हातासून खाजनां तयार केलीं.

आयज शेतकी उदरगतीच्या नांवान व्हडलीं व्हडलीं तंत्रां वापरून, दुडू खर्च करून नवीं नवीं नवलां घडोवपाचो यत्न चल्ला पूण तो फळादीक जायना. पूण दोन हजार वर्सां पयलीं आमच्या पुर्वजांनी इजिप्तच्या पिरामिड बांदपाच्या तंत्राचो वापर करून खाजन बांद बांदले. उदकाच्या ल्हारांचे कितले तरी आघात सोंसून ते तिगले. पूण शेत पिकावळी परस सुंगटां पिकावळीचेर चड फायदो जाता म्हूण कळून येतकच हे बांद आमी मोडले आनी खाजन जमनीर सुंगटां पोसूंक लागले.

खरें म्हळ्यार आयज बऱ्यांतली बरी सपाट जमीन खंय आसा ती सोदून काडून ती उदका पोंदा कशी हाडूं येता हाचो विचार जावंक जाय आशिल्लो. हालींच प्रधानमंत्री मनमोहन सींग हार्णी देशांतले जनतेक उलो मारून उदकाळ जमनिचो राखण करूंक जाय म्हणपाचें सांगलां. पूण असल्या उल्यांक जाप दिवपी लोक ह्या देशांत भोवच उणे. फुडाराचें चिंतून आमची शेतजमीन वाचोवपा बदला आज ती

बरी जमीन रूपांतरीत जावंक फावना.



पी. पी. कुंभारे–शेतकी संचालक

शेतकी संचालनालयाचे संचालक पी. पी. कुंभारे हांकां गोंयची शेतवड फुडाराक मोठ्या प्रमाणांत फांकारतली असो आशावाद आसा. आज शेतकी संचालनालय गोंयच्या शेतकामत्यांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर तरा तरांच्यो येवजण्यो राबयता. तांचो लाव घेवन जर शेतकामती मुखार आयले जाल्यार तांच्या शेतांत ते भरपूर पिकावळ घेवंक शकतात हाचो तांकां विस्वास आसा. पूण फाव ते प्रमाणांत शेतकार सरकारी येवजण्यांचो लाव घेवंक येनात हाची तांकां खंत आसा.

गोंयांत एकंदर जमनींतली १६ टक्के जमीन शेतकी वेवसाया खाल आसा. पूण वेगवेगळ्या कारणांक लागून तिचें हेर वापरा खातीर रूपांतरण जाता. हें जावंक फावना अशें तांकां दिसता. गोंय हें पर्यटन थळ जाल्ल्यान जे कोण गोंयांत पर्यटक येतात ते गोंयची सैमीक सुंदराय पळोवंक येतात. शेतांचें रूपांतरण जाल्यार ताचो परिणाम गोंयच्या पर्यावरणा वांगडाच पर्यटनाचेरूय जातलो अशी तांकां भिरांत दिसता.

गोंयची सुपीक जमीन सांबाळपा वांगडाच जंय शेत पिकूं येता अशी जमीन आसा तीवूय शेतकी संस्कृतायेंत आसपावन घेवंक जाय. जाता तितली सगळे प्रयत्न करून शेती वाडोवंक जाय. गोंयची सुंदराय शहरी करण करून इबाडूंक फावना. जंय पठारां आसात वो वेस्ट लॅन्ड आसा तांचो वापर करून ल्हान ल्हान टावन शीप उबारूंक येता. हाका लागून लोकांच्या राबित्याचो प्रस्न सुटावो जातलोच त्या भायर पुराय गोंयची एक आगळीच सोबीतकाय पर्यटकांक पळोवंक मेळटली. जी शेतां रूपांतरीत करून गोंयचें शहरीकरण जायत जाल्यार मेळचीं ना.

गोंयचो मुखेल वेवसाय हो आज जरीं मायनींग असो दिसता तरी आनीक पंचवीस वर्सांनीं गोंयचें मीन सोंपतलें. ह्या वेवसायांत जे कोण लोक आसपावल्यात तांकां त्या उपरांत शेतां कडेन लक्ष दिले बगर पर्याय उरचोना. मीनाचो परिणाम त्या वाठाराच्या लागसारच्या शेतांचेर जाला. शेतांचो त्यापासत कस उणो जाला. हीं शेतां ह्या लोकां खातीर फुडाराक सुगूर करून दवरपाचो होच वेळ आसा. गोंयांत शेता बगर दुसरो पर्याय ना अशें तांचें ठाम मत आसा.

पुरोवन उदरगतीच्या नांवान गोंयच्यो शेतजमनी ना-नपयत करपा कडेन कल आसा. आमचीं शेतां पाड दवरून थोडे काळान तीं इमारती, बंगले हॉटेलां हाणीं भरून थंय वसाहत निर्माण करपाकडेन बिल्डर्सांची सर्त लागिल्ली आसता.

आमच्या पुर्वजांनीं दर्यांतली जमीन दर्याक फाटीं वचूंक लावन सुगूर केल्ली आनी थंय शेत पिकोवंक आरंब केल्लो. इतल्या हजार वर्सांचो इतिहास आशिल्ल्यो ह्यो जमनी एका रातयांच बुडोवन खांडयो करून सोडिल्ल्यो आसात.



गोंयांत खेळाक तशें म्हत्व आसा. खेळगडचांक खेळा मैदानां जाय हेंवूय तितलेंच खरें. पूण हाचो अर्थ असो न्हय कीं पिकावळीचीं कसदार शेतां माती घालून पुरोंवचीं आनी थंय दर गांवांत स्टेडियम उबो करचो. एक एका मतदार संघांत जितल्यो पंचायती आसात तितल्याय पंचायतींक एक मैदान, एक बाजार आनी एक कम्युनीटी हॉल ही म्हत्वाची गरज थारल्या त्या पासत ह्या वाठारांतले लोक आपल्या थळाव्या आमदाराक जबरदस्ती करून ह्या गजालींची पुर्तताय करूंक सांगता. आमदार फुडले वेंचणुकेच्या मतांचेर लक्ष दवरून पिकाळ शेतां ताब्यान घेवन तातूंत ह्यो सगळ्यो गजाली तयार करून दिता. ह्या सगळ्या घडणुकेंत शेतकाराक जो परवडना वो रोवपाची इत्सा ना म्हण पडींग उडयल्ल्या आपल्या शेताक दर मेळटा म्हण कसलीच काळजांत दया-माया वो भावना बाळगी नासतना ज्या शेताचेर ताच्या पुर्वजांनी आनी तार्णेय पोट भरलें तें शेत पुरोवन उडोवपाक तयार जाता.

आमदार उदरगतीच्या नांवान जमीन विकती घेवपा खातीर सरकाराक विनवणी करता आनी शेतकार जी दर सांगता ताचेर आपल्याचो वाटो थारावन चडांत चड जमीन विकती घेता. जितली जमीन चड वापरता तितलो ताका चड फायदो जाता. ताका त्या शेताचें वो गोंयच्या फुडाराचें कांयच पडून गेल्लें नासता. ज्या लोकांनी हे गजालीक विरोध करूंक जाय ते आपल्या गांवांक सुविधायो मेळटा म्हूण ओगी रावतात.

अशा प्रकारचो हो उदरगतीचो वावर जाचे पासत चड जमीन लागता देखीक मैदाना सारख्या प्रकल्पांक. ते प्रकल्प गांवां पासून जंय सपाट मळ आसा आनी जातूंत शेतकी पीक काडूं येता अ सुवातांनीं ते करूं येता. पूण औद्योगीक वसाहती खातीर आज इतली जमीन दिल्ली आसा जातूंत उत्पादन कमी आनी शेडीच अशी परिस्थिती जाल्या. देखून आज मैदानांनी गांवच्या शेतांनीं घेतल्या आनी गांवां गांवांनी शेतां जाग्यार मैदानांच चड जाल्यांत

आज शेतकारांचो कल शेतां रोवपा बदला ती त सांडपाकडेन आसा. ताचें कारण शेतकारांक जर विचारीत जाल्यार शेतक सांगतात आयज श कसप परवड कित्याक अ पयलीं सा एकवटीत कु संस्था नोकरी ध खात कुटुंबांतले व सवरते भु शारानी गेल्ले आसात. तांचे वांगडा तांच्यो बायलोय गेल्ल्यो आस म्हणटकच शेत कसपाक घरांतले कोणूच मनीस ना. आज मा दिसवडो २००-२५० घेतल्या बगर कामाक येना. कामेच्या १ सकयल उलयनांत. पयलीं सारखे शेजारी एका मेकाच्या आदाराक येन म्हणटकच वावराडी घालून शेतां रोवप शक्य जायना. त्या परस अ तांदूळ जाय तितलो आलायतो मेळटा. त्या भायर सरकारच्या सव धान्य दुकानांनीय जाय तितलो तांदूळ पडून आसा. तेन्ना शेतां रो कांय फायदो ना.

आयज गोंयांत भात लागवडी खातीर आशिल्ले जमनींत सुमार ७००० हॅक्टर जमीन पडंग आसा. तातुंतली उत्तर गोंयांत सु ५५०० हजार जाल्यार उरिल्ली १५०० हजार जमीन दक्षीण गोंया १९९२ वर्सा ४३०० हॅक्टर जमीन शेतवडी खाला आशिल्ली. आ ती उणी जायत गेल्या.

कांय शेतकारांच्या मतान शेतां रोवप हें फायद्याचें आसा. त पासत मेहनत करची पडटा. नोकरे परस शेत रोवप चड फायद्याचें हा तांचो विस्वास आसा. एका शेतांत शेतकी संचालय ज्यो सुविधा दिता तांचो लाव घेवन वर्साक वेग-वेगळ्या पिकावळींचीं दोन-त पिकां घेतलीं तर खुबूच लाव जांव येता. पूण आज कश्ट करूंक कोण

नाका. शेतांत कश्ट करून खावचे बदला मटक्या सारख्या जुगारान लोकांक चड रस आसा. त्या खातीर कोण शेता कडेन लक्ष दिना. आयज गोंयच्या लोकां परस गोंयां भायले लोकूच गोंयच्या शेतांनीं चड पीक काडूंक लागल्या आनी कांय तेपानूय हेच लोक ह्या शेतांचे धनी जावपाची शक्यताय उप्रासल्या.

हालीं आमचे गोंयांत शेतकी संस्कृताय वचून शेतकी धंद्यान तकली वयर काडल्या. शेतकी संस्कृतायेंत गोंयचीं खाशेलीं बियां रोवपा खातीर वापरतालीं. आजगो, करंगूट, काळोखी,कोनफीरसाळ, जिरेसाळ, मुणें ,खोचरो, शिड्डी, ह्या सारखीं बियां ना जायत वतात आनी चड पीक दिवपी सुदारीत बियां आज गोंयच्या शेतांनीं पिकयतात. अन्नपुर्ण, ज्योती, जया, आयरेट अशीं हायब्रीड बियाणां गोंयांत रिगल्यांत जाका लागून गोंयचे संस्कूतायेचीं बियाणां पयस जाल्यांत. गोंयचीं बियाणां हीं गोंय सोडून आनी खंयच्याच राज्यांत नाशिल्ल्यान तीं गोंयच्या संस्कृतायेचें आनी दायजाचें एक इतिहासीक उदारण जाल्ल्यान ताचो सांबाळ जावंक जाय. पूण गोंयचे उदरगतीची खुबशीं धुरणां चुकल्यांत. तातूंत हाचोय आस्पाव जाता.

आज सरकार गोंयची शेतकी संस्कृताय वाडीक लागची म्हण एक खाशेलें खातें कार्यरत दवरून लोकांक शेतांकडेन आकर्शीत करपा खातीर नव्यो नव्यो येवजण्यो राबयता. पूण लोकांकडेन ह्यो येवजण्यो जे तरेन पावंक जाय ते तरेन पाविल्ल्याच्यो दिसना. कांय शेतकाऱ्यांकडेन चवकशी केल्या उपरांत तांकां ह्या येवजण्यांची कल्पनाच ना. जांकां खबर आसा ते कटकटीच्या वितरण वेवस्तेक लागून ह्या येवजण्यांचो आनी सुविधायांचो लाभ घेवपाक मुखार सरनांत. कांय जाणांचें म्हणणें आसा सरकाराच्यो ह्यो सुविधा शारांतल्यान वितरीत करचे बदला गांवच्या पंचायतींतल्यान करच्यो. त्या येवजणांची म्हायती सामान्यांतल्या सामान्य शेतकाराक समजता आनी त्या वरवीं ते लाभ घेवंक पावतले अशी वेवस्था पंचायतींत केल्यार चड प्रमाणांत लोकां मेरेन ह्यो येवजण्यो पावतल्यो. येवजण्यांचो लाभ ज्या सुवाते वेल्यान घेवचो पडटा थंय वतकच केन्ना हो मनीस नासता तर केन्ना तो अधिकारी. म्हणटकच तांकां शारांनीं वचून हात हालयत परतूंचें पडटा. जेन्ना शेतकामाक नेट आसता तेन्ना शेतकाऱ्यांक एक दीस असले कामांक दिवप तांकां परवडना. जर गांव स्थरार पंचायतींतल्यान हाचो प्रचार जालो जाल्यार चड प्रमाणांत ह्या येवजण्यांचो लाभ जातलो अशें तांकां दिसता.

गोंयची शेतकी संस्कृताय वचून आज शेतकी धंदो जाला हाचो परिणाम गोंयच्या शेतांचेर जाल्लो आसा. संस्कृतायेंत जें मोठेपण आनी विशालपण आशिल्लें तें आयजच्या शेतकी धंद्यान ना. वेवसायीक पध्दतीन शेतवडीचो प्रचार जाल्ल्यान आनी नवीं नवीं भात पिकोवपा खातीरचीं यंत्रां मशिनां, ट्रेक्टर्स, पावर टिलर ह्यो गजाली विकत्यो घेवपाक ह्या धंद्यांत प्रोत्साहन मेळूंक लागिल्ल्यान शेतकी उदरगत आनी वाडिच्या नांवान शेतकार अनुदान मेळटा म्हणून तांची खरेदी करूंक लागले. पूण तांचो वापर शेत वाडी खातीर करपा बदला भलत्याच कामां खातीर तांचो दुरूपेग जावपाक लागलो. ट्रॅक्टरांक ट्रॉली बसोवन ताचो वापर सर्रासपणान म्हाल हाडपा व्हरपा खातीर जाता. शेता खातीर पावर टिलर घेवन ताचो वापर चिरे काडपाचें मशीन म्हण भाड्याक दिवप सर्रासपणान चलता. हाचेर शेतकी खात्याचो खंयच वचक आनी नियंत्रण ना. ह्या शेतकी धंद्याक लागून कण्णो चड हालूंक लागला नण्णी मात उणी जाल्या.

शेतकी संस्कृतायेचो ऱ्हास जायत वचून गोंयांत मोठ्या प्रमाणांत शेतकी धंद्याची वाढ जायत आशिल्ल्यान तशेंच गोंयची खुबशी जमीन वेगळ्या वेगळ्या कारणां खातीर रूपांतरीत जाल्ल्या कारणान शेता खातीर जमीन फुडाराक उणी जायत वतली. आज शेताची जमीन खेळा मैदानां, मागीर वेग वेगळ्या पार्कां खातीर तशेंच लोकवस्ती खातीर केल्ल्यान फुडाराक शेतवडी खातीर ती वापरूंक मेळची ना. ह्या गजालीं खातीर जे जमनीचो वापर जांव येतालो ती जमीन वेगळ्या कारणाक गरजे परस चड सरकारान दिल्ली आसा जी सरकाराक जाय जाल्यार आज परत घेवप शक्य ना.

मेटा स्ट्रीप हे अंतरराष्ट्रीय कंपनीक सांकवाळची २,४५००० चौखण मी.जमीन दिल्ली आसा. मोपा हांगा विमानतळ बांदपा खातीर ३.८लाख हेक्टर जमीन दिल्या. वेर्ण्या हांगा औद्योगीक वसाहतीं खातीर

तीन लाख चौखण मीटर सुगूर केल्ली आसा. त्या भायर आनीक जायते कडेन औद्योगीक वसाहती उबारपाचो यत्न चालू आसा आनी दरएका २-२ लाख हेक्टर जमीन दिली जाल्यार हांगा उण्यात उणी २० लाख हेक्टर जमीन वतली. हो जमीन दिवपाचो आनी औद्योगीक वसाहती उबारपाचो धंदो गोंयच्या लोकांक येणावळ दिवपाचे नदरेन व्हडलोसो फायद्याचो ना. गोंयां भायल्या कंपनीक तशेंच दुयेंत उद्योगांक दिवन जमनीचो गरजे भायर इबाड तितलो जाल्लो दिसता.

हाचो चड फायदो जर कोणाक जाता जाल्यार तो थळाव्या आमदारांक आनी जमनीच्या मालकाक. सरसकट लाख्खांनी जमीन एका धपक्याक विकून वता म्हणटकच ती जमीन आमदारां मार्फत सरकाराक लाटून आमदाराकूय दोनय वाटांनी कमीशन सुट्टा आनी जमीन कसपाचे त्रासांतल्यान जमनीचो धनी सुट्टा. जमनीचेर जो कितें दुडू मेळ्ळा तो बँकांत दवरून जमीन मालक फोल्गां मारपाक मेकळो. गोंयांत आज सरसकट हीच परिस्थिती दिसता. त्या भायर जुवारी ॲग्रो कॅमीकल्स हाणीं गोंय सरकाराकडल्यान एका काळार २५ पयशे चौखण मीटर ह्या दरान कितली तरी जमीन विकती घेतिल्ली. ही जमीन वापरूनय अधीकतराची जमीन जुवारी कडेन वापराविणें पडून आसा. ती परत जाय जाल्यार आतां आमकां मेळपाची ना. अशीच जमीन गोंयच्या मिनेरांनी मीन वेवसायांत वापरिल्ली आसा ती उण्यात उणें शंबर एकर तरी आसतली. ते भायर मिनाची माती घालून दोंगर निर्माण केल्यात ती वेगळीच.

ह्या सगळे गजालीचो हिशोब केलो जाल्यार गोंयची जमीन कशी इबाड केल्या ताचो अदमास येतलो. हो अदमास करूनच आतां आमी रावूंक उपकरना. तर फुडाराक जे मारेकार दीस येतले ताका आमी कसो फुडो करतले हाचोय विचार आमकां करूंक जाय.

आमचे कितले तरी गोंयकार आज गोंयां भायर विदेशांत नोकरे खातीर गेल्यात आनी वचत आसात. हालीं हालीं आपलीं शेतां पाड घालून हे लोक पॅरीस, लंडन ह्या सुवातांनी बायल, भुरग्यांक घेवन गेल्यात. परप्रांतीय गोंयांत नोकरे धंद्या खातीर येवन मागीर गोंयांतूच स्थायीक जातात तशे हे गोंयकार विदेशांत वचूंक नात. ते केन्ना तरी गोंयांत परते येतले. हे परत आयले म्हणटकच तांकां हांगा कसल्या तरी वेवसायांत आसपावन घेवचेच पडटले. ताणीं विदेशांत जोडून हांगा व्हडलीं व्हडलीं घरां उबारल्यांत आसतलीं. पूण पोटाक पडटलें जाल्यार निजाचें अन्न जायच पडटा. आज हे लोक आपली जमीन, आपलीं शेतां हांचे पासून आपली नाळ तोडून मेकळे जाल्ले आसले तरी एक ना एक दीस तांकां गोंयचेच मातयेकडेन आपलें नातें सांगचें पडटलें. जोडपा खातीर विदेशांत गेल्ले आसले तरी तांकां परतून गोंयांत येवपाची इत्सा नासली तरीय तांकां विदेशी केन्ना ना केन्ना खोट मारून धांवडोवन घालतलेच. अशे हे सगळे गोंयकार उपाय नासून मागीर शेता कडेन वळटले. पूण आपलीं शेतां ताणीं विदेशांत वचचे आदीं वेगळे वेगळे कारणांक लागून विकिल्लीं तीं तांच्या ताब्यांत नाशिल्ल्यान तांकां आपल्या कपलार हात मारून पश्चताप करचो पडटलो. ही गजाल आमच्या दोळ्यां मुखार घडपाची आसा. जो मनीस आपलें नीज विसरता ताका फुडाराक हे भोग चुकले बगर रावनात. जर ह्या अवर्शणांतल्यान ह्या लोकांक सांबाळपाचे आसा जाल्यार सरकारान आतांच खंबीर पावलां उबारपाक जाय.

पयली गजाल म्हळ्यार सरकारान आज कोणा मंत्री आमदाराक जाय म्हण गोंयांक कसलेच फायद्याचें ना अशे प्रकल्प बेकारी पयस करपाच्या नांवान गोंयचे जमनीचेर उबारतात ते आळाबंदाक हाडूंक जाय. आज आपलीं पिकाळ शेतां उबंत उडोवन तीं पडींग उडयल्यांत तीं सरकारान तातपुरत्या काळा खातीर ताब्यांत घेवपाक जाय. गोंयच्या तरनाट्यांक प्रशिक्षण दिवन आनी सरकारी यंत्रणेचो वापर करून हीं शेतां वेगवेगळ्या पिकांचे लागवडी खाला हाडूंक जाय. हो प्रयोग जर करीत जाल्यार जीं शेतां आनी बागायतं पडींग उरल्यांत त्यो पिकावळी खाला येतल्यं आनी बेकार तरनाट्यांकूय अणभव मेळूंक पावतलो. ह्या प्रयोगाक सरकारान प्रश्टीज दिवपाची गरज आसा. नातर गोंयच्यो खुबश्यं शेत जमनी चड काळ वापराविना उरून मागीर कोण तरी असो राजकारणी येतलो जो आपल्या सत्तेचो वापर करून एकं दर आराखड्यान बदल करून ह्यो जमनी विदेशी लोकांक विकून मेकळे जातले. आता रशीयेच्या माफिया लोकांक जमनी विकपाचो प्रकार उक्ताडार आयलाच. फुडाराक तो एक धंदोच जातलो हातूंत दुबाव ना.

■■■

सरकाराचो शेतकारांक आर्थीक पालोव

* शेताक वंय घालूंक मीटरा फाटल्यान दोनशीं रुपया.
* संकरीत प्रतिच्या धान्य उत्पन्ना खाती ४००० चौखण मिटरा फाटल्यान ३००० रुपया.
* उस लागवडीक ०.५ हॅक्टराक १०,००० रुपया मेरेन.
* नडणी काडपा खातीर दर हॅक्टरा फाटल्यान १००० रुपया.
* बियाणीं आनी साऱ्याचे येरादारीक ५०% अनुदान.
* सेंद्रीय साऱ्याच्या वापराक २५% आदार.
* पावर टीलर, ट्रॅक्टर, बुलडोजर आदीं यंत्रां भाड्यान घेवंक ५०% आदार.
* भात कांडपाचें यंत्र बसोवपा खातीर ३०,००० रुपया मेरेन २५% अनुदान.
* अळमी लागवडीक ५०% अनुदान.
* ठिंबक शिंपणावेळी आर्थीक आदार.
* डिजल पंप घेवपा आर्थीक आदार.

नवलिका

गोंदू

जें घडपाचें आसलें तें घडलें. गोंदून सातवी ते धावी मेरेन चार वर्सां पाद्रीलें इस्कोल गाजयलें. धर्मान आनी कर्मानय. धर्मान हे खातीर म्हणपाचें की तो कर्तव्य हो आपलो धर्म मानून आपलें कर्म करतालो. आपलें कर्म पवित्रतायेन भरलेलें आसा आनी तें फुडेंय तशेंच आसचें, असो ध्यास मनांत घेवन तो पाद्री-इस्कोलांत पाचवी ते धावी मेरेन वावुरलो. पूण सातवी ते धावी मेरेनचीं चार वर्सां गोंदूल्या जीवितांतलीं मोलाचीं आसलीं.

गोंदू पाद्रील्या इस्कोलांत फकत पुस्तकांतलो किडो जावन रावलोना. पुस्तकी गिन्याना वांगडाच ताणें वेव्हारी गिन्यानय भरपूर मेळयलें. ह्या वेव्हारी गिन्यानान गोंदूक फुडली दिका दाखोवन दिली.

अपेक्षेप्रमाण गोंदू बऱ्या मार्कांनी मेट्रीक पास जालो. फक्त बऱ्याच मार्कांनी न्हय तर बोर्डाक ताचो आठवो क्रमांक लागलो. पाद्रील्या इस्कोलांत तो पयलो आयलो.

रिझल्टा दिसा, गोंयच्या सगल्या पेपरांनी बोर्डाक पयले धा आयिल्ल्यांचे फोटो प्रसिध्द जाल्ले. ह्या धा फोटवांत व्हडले व्हडले गिरेस्ताल्या भुरग्यांमदें गोंदूचो काळो आनी किडकिडीत आंगलोटाचो फोटो वेगळोच दिसतालो. पळोवप्यांची नदर चड करून गोंदूचेरच पडटाली. कांय पेपरांनी तर गोंदूचो एकट्याचोच फोटो छापून, वयर 'मागास समाजांतलो भुरगो बोर्डांत आठवो' असो ठळक अक्षरांचो माथाळो दिवन, ताची थोडी म्हायतीय छापिल्ली.

आपली म्हायती फोटोसयत पेपरांत छापून आयली ती वाचून गोंदूक खूब बरें दिसलें. पूण आपल्याक मागास म्हणलो तें मात ताका साप्प आवडलेंना. ताच्या विचारचक्रान आतां गत घेतली. आपूण मागास? खंयचे बाबतींत? आख्ख्या इस्कोलांत पयलो येवपी भुरगो खंयच्या कायद्यान मागास आसतलो? आपलें धाडस, आपले विचार, आपली वागणूक इस्कोलांतल्याच न्हय, तर गांवांतल्या खंयच्याय भुरग्याहून उणी आसा म्हण आपूण मागास? इस्कोलांतले कितलेशेच भुरगे स्कुटरीनी येतात. कांय भुरग्यांक तांचे बापूय गाडयांनी हाडून पावयतात. कांय भुरगे दिसांतल्यान शें-दोनशें रूपये अशेऽ खर्च करतात. तांकां तांचो आवय-बापूय कितेंच उणें पडूंक दिना. ते दीस-रात मजेंत घालतात म्हण ते फुडारलेले? सगल्यो सूख-सोयी आसूनय ते परिक्षेक तांबड्यो खुणो घेवन पास जातात. अशें आसुनय ते आपल्या परस फुडारलेले?

शिकपाचे आनी बुध्दिचे बाबतींत सोडून दिवन हेर बाबतींत विचार केल्यारय आपूण तांच्या परस मागास ना, म्हणपाचें गोंदूच्या लक्षांत आयलें. गांवांतल्या कांय भुरग्यांक रावपाक धड घर ना. कांय भुरग्यांचे आवय-बापूय भाड्याच्या घरांत रावतात. कांय भुरग्यांक धड जेवंक-खावक मेळना. कांय जाणांक न्हेसूंक-पांगरूंक जाय तशें मेळना. कितल्योश्योच वस्तू गोंदूक मेळटात त्यो तांकां मेळनात, अशें आसतना समाज आनी सरकार तांकां मागास मानीना. कारण ते गावडे न्हय, म्हार न्हय, चामार न्हय!

आपल्याक घरदार आसा, जेवंक-खावंक आसा, भाट-बेंस आसा, थोडी बुद्दय आसा, अशें आसूनय आपूण मागास? कित्याक? गावडो म्हण? कोणे केला आपल्याक गावडो? लोकांनी कितलोय गावडो म्हणलो म्हण आपणे असोच गावडो रावपाचो? आपूण काळो म्हण गावडो? तशें जाल्यार भट-बामण आसात तेय गावडेच? तेय मागास आसूंक जाय!

गोंदूक ह्या सगल्या गजालींचो राग आयलो. ताका दिसलें, आपल्या मनांतले विचार लोकांमुखार मांडचे. तशें करपाक तो कोणाक भिवपी न्हय. पूण ताणें तशें केलें ना. कारण तशें केल्यार लोक ताका मस्तेला म्हण्टले. ताचे जातींतलेच लोक ताका तो बामण जावपाक सोदता दिसता म्हणटले. गिन्यान नाशिल्ल्यांक तोंड दिवचे परस सद्या वोगीच रावपाचें गोंदून पसंत केलें. फुडें तोंड धापून बरींच कामां तडीक व्हरपाचो ताचो इरादो आसलो.

गोंदूक उचंबळ करपाच्यो गजाली उपद्रवी लोकांकडच्यान अदीं-मदीं घडतच आसल्यो. गोंदू बोर्डांत आठवो आयलो, ही बातमी मागास विकास संघटणेच्या कानार पडली आनी ती संघटना जागी जाली. संघटणेचे पदाधिकारी गोंदूक सोदीत धांवत आयले. राज्याचे राजधानींत ताणी व्हडा दबाज्यान गोंदूचो सत्कार करपाची येवजण ताणीं गोंदू मुखार मांडली. सत्कार म्हणलो की थोडे जाण भुरकुटून वतात. पूण गोंदून सत्काराक न्हयकार दिलो. ताणें पदाधिकाऱ्यांक सांगलें, ''हांव बोर्डाक

आठवो आयलां खरो, पूण तुमी पयलो आनी दुसरो आयला तांचो सत्कार कित्याक करिनात?''

''कित्याक तर ते आमचे न्हय. तूं आमचो.''

''हांव तुमचो कसो? कोण लागतां हांव तुमचो?''

''तूं गावडो, मागास. आमच्या समाजाचो.''

''गावडो आसप ही गुणवत्ता जावंक शकना. तुमी बोर्डाक पयलो-दुसरो येयला तेंचो आदीं सत्कार करात. ना जाल्यार धाय जाणांचो करात. तितूंत माझोय येतलो. म्हाका आवडटलें तें!''

संघटणेच्या पदाधिकाऱ्यांक असलो वस्ताद केन्नाच सापडूंक नासलो. ताणीं चिंतलें, आमी हाच्या बऱ्याक गेल्यार हो आमकां सोप्याक धाडूंक सोदता. हाचो नाद सोडून हांगच्यान पळ काडल्यार बरो आनी ताणीं तशेंच केलें.

गोंदून संघटनेच्या लोकांक सत्काराक न्हयकार दिलो खरो, पूण आपल्या इस्कोलाकडच्यान मात ताणें मातय कां-कूं करिनासतना आपलो सत्कार करून घेतलो. ताचो तो हक्कच आसलो.

मेट्रीकेक बोर्डाक आठवो येवन गोंदून पाद्रील्या इस्कोलाक नांव मेळोवन दिलें. पाद्रीले इस्कोलांतल्यान णव्वद टक्के मार्क मेळोवपी गोंदू हो पयलोच भुरगो आसलो. फाटले तीन वर्सांनय ताणे इस्कोलाच्या फुटबॉल टीमीन खेळून इस्कोलाक कितलीशींच जैतां मेळोवन दिलीं. हाका लागून एका वोक्तार गोंदूक वाकडे नदरेन पळोवपी फादर प्रिन्सिपाल आतां ताचेर सदांकाल खोशी आसलो.

मेट्रीक जातकच गोंदू आपलें शिकप सोडटलो, अशें कोणेच चितूंक नासलें. हायस्कुलाक लागूनच पाद्रीलें हायर सेकंडरी आसलें. गोंदू थंयच ॲडमीशन घेतलो अशें

सगल्यांक दिसतालें. पूण गोंदून जेन्ना उलोवन दाखयलें की आपूण फुडें शिकना म्हण तेन्ना सगल्यांच्या मनांत चर्र जालें. कांय जाणांक सोडले जाल्यार, चडश्या लोकांक गोंदू फुडें शिकिल्लो जाय आसलो. सगल्यांक दिसतालें, गोंदू फुडाराक आपलें नांव व्हड करतलो म्हण.

फादर प्रिन्सिपालाक जेन्ना कळलें की गोंदू खऱ्यांनीच इस्कोल सोडटा, तेन्ना ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो पावळ्यो गळूंक लागल्यो. मनीस केदोय व्हडलो जालो, तरी ताका मन आसताच. दुश्टांतल्या दुश्ट मनशाच्या काळजाक केन्ना ना केन्ना तरी पाझरी फुटपाची आस्त आसताच. तातूंत फादर प्रिन्सिपाल तर देवमनीस. ताचें काळीज मोवाळ आनी मोगाळ आसूंकच जाय.

फादर प्रिन्सिपालान रावंक जायना जावन गोंदूक आपल्या विसवघरांत आपवन घेतलो. ताणें ताका समजोवपाक कोमेस केलें-

''बाब गोंदू, तूं होऱ्यांनीच इस्कोल सोडूंक सोदताय!''

''हय फादर.'' गोंदून गंभीरतायेन जाप दिली.

''कित्याक सोट्टाय रे, तुजे ओहल्या हुशार भुरग्यान शिकोप सोडून घारा बोहल्यार उपकोत्ता? तुका कोहली ओडचोन आहल्यार माहां सांग. हांव तुजो प्रो सोडयतां.''

''थँक्यू फादर. म्हाजो प्रस कसलोच ना. म्हाजी काकी म्हाका कांय उणे पोडोंक दिना.'' गोंदू सडसडीत उलयलो

''ही काकी कोण रे! तुहां माय-पा ना?''

''काकी म्हाजी आंटी. फादर सायड. म्हाज्या मांयक-पायक शिकपाचें व्हडलेंशें कांयच समजना फादर!''

''ओहें, गोमलें माहां. तूं कांयच भियों नाहां. हांव तुज्या मांय-पायक वोसोन मेवतां.''

''नाका फादर, तेंकां मेळोन कांयच फायदो ना. फुडें ना शिकपाचें हायेंच थरयलां.'' गोंदून आपलो निश्चेव उक्तायलो.

''आरे गोंडू, तूं मातूय सोजमोना मुरे! तूं हुशार आहा, तुका मोत आहा, तुका नोयें-नोयें कित्येंय कोरून दिवपाची उमेद आहा. तुयेंन दोतोर ना तोर इंजिनेर बा व्हडलो मनीस जावन तुजो फुडार बोरो कोरून तुज्यान झेंव येता.'' फादरान व्हडा उमेदीन गोंदूक सल्लो दिलो.

फादर जें कितें उलयलो, तें गोंदूक पटपासारकें नासलें. मनशाक व्हड जावपाच्यो वाटो कितल्यो आसात, हें फादराहून गोंदूक चड खबर आसलें. समाज दोतोर-इंजिनेरांक कितलो मान दिता, हेंय आपल्या अणभवान गोंदू जाणा आसलो. गोंदूचे नदरेन व्हड आशिल्लो फक्त हरी मास्तर. हरी मास्तरान कसल्योच पदव्यो घेवं नासल्यो. फक्त सातवी शिकिल्लो तो! तरी पाद्रील्या इस्कोलांत एम.ए., बी. एड. बी जाल्ल्या शिक्षकांपरस कितलेशेच पटीनी व्हड दिसतालो तो गोंदूक! पूण आपल्या मनांत कितें शिजता, तें फादराक सांगूंक शकनासलो गोंदू. फादर कितें सांगता तें आपल्या बऱ्या खातीर, हाची पुराय जाणविकाय आशिल्ली ताका! देखून फादर

कितें सांगता तें ताणे मोन्यानी आयकून घेतलें. फादराक परती जाप दिलीना.

गोंदूलें एक खाशेंलेंपण आसलें. दुसऱ्यालें सगलें मन लावन आयकचें. बरें तितलेंय पदराक दवरचें. आपल्याकडेन कसलोय निर्णय घेवंक जालो ना जाल्यार हरिमास्तराक याद करचो. भक्ताचे राखणेक देव धावून येता म्हण्टात. गोंदूचे मजतीक हरी मास्तर धावन येता, अशें गोंदूक दिसतालें. हरी मास्तराची याद केल्यार गोंदूच्या मनांतलो गोंदळ खंयच्या खंय नाच जातालो.

आयज मेरेनची गोंदूची चिकाटी आनी शिकपाची आवड पळोवन, फुडाराक तो शिक्षणमळ गाजयतलो अशें दिसतालें. पूण गोंदून बारकायेन विचार करून मेट्रीक जातकच फुडल्या शिक्षणाचो विचार सोडून तो पक्को केलो.

गोंदून चिंतलें, आपूण णव्वद टक्क्यांवयर मार्क घेवन मेट्रीक पास जालों, पूण बारावेक तितले मार्क मेळटले म्हण ना. मेट्रीकेक पंचाण्णव टक्के मार्क घेतिल्ल्या भुरग्यांनी बारावेक साठ-सत्तर टक्के मार्क घेतिल्ल्या भुरग्यांच्यो देखी गोंदूमुखार आशिल्ल्यो. पूण गोंदूलें शिकप आनी हेरांच्या शिकपाच्यो पद्दती वेगळ्यो आशिल्ल्यो, हेंय गोंदूचें मन ताका सांगतालें.

घडये बारावेक मेट्रीकेवून एक-दोन टक्के मार्क तो चडय घेवंक शकता. ताची कापासदाद, ताचो आत्मविस्वास ताका हेंच सुचयतालो. पूण गोंदून आपलो हेको बदल्लोना.

जर आपूण बारावी शिकलों. मेडिशीनाक ॲडमीशन मेळळें, तरी लाखांनी रूपये मोडून शिकपाची तांक ताका नासली. ताची हुशारकाय आनी नीत पळोवन, प्रिन्सिपाला सारखे कोणय फुडें येवन, गोंदूचे फियेची तजवीज करपाची शक्यताय आसली. पूण गोंदूक आपलो जीव कोणाकडे घाण दवरून, कसलेंच व्हडपण नाका आशिल्लें.

> "तो हें कोरूं नाहां रे पुता म्हुज्या. तुहां तोकली आहा मुरे. जाता तितलें शिकोन झे. दुडवांक लागोन हाटीं सोत्ताय रे? तूं दुडवां लागोन भियों नाहां. तुकां लागता तितलो दुडू हांव दितोलीं. पावलूचे डॅडीक हायें चिटयेंत तुजे विशीं सोगलें बोरयलां. तूं आमचो दुसरो पूत कोहो मुरे!"

धावी मेरेन ताचे काकेन ताका शिकयलो. मेट्रीक मेरेनच्या शिक्षणाच्या नाड्यार आपूण खूब कितें करून, आपले काकेची पांग फेडपाचो गोंदून निश्चेव केलो.

गोंदू मेट्रीक जालो तेन्ना ताका सोळा सोंपून सतरावें लागिल्लें. ताचे आंगलटीत बरोच बदल घडून आयिल्लो. चेरो रूंदावलेलो. फाव ते सुवातेर मिसूड फुटूंक लागिल्ली. दोळ्यांत चकचक आयिल्ली. गाल फुगिल्ले. हात-पायांत चडच घटसाण आयिल्ली. आवाजांत घोगरेपण आयिल्लें. चलणुकेंत नेटसाण आनी वागणुकेंत धीटसाण आयिल्ली. आपूण आतां चेड्डेंतलो भुरगो नासून आरसाटो दादलो जालां, हाची जाणविकाय गोंदूक जावंक लागली.

मेट्रीकेचो निकाल लागतकीर सेकेंडरी इस्कोलां कोमेस जाल्लीं. गेल्ल्या वर्सा जूनाच्या पयल्या सेमानां त गोंदू इस्कोलांत आशिल्लो. आतां तो तेच वक्तार घरा बसून आशिल्लो. हायर सेकंडरी कोमेस जावपाक आजून सात-आठ दिसांचो अवकाश आशिल्लो. बॉर्डरीक मार्क घेवन पास जाल्ले भुरगे इकरावेक प्रवेश घेवंक धडपडटाले. गोंदच्या वांगड्यांनी लांब कल्सांवां शिविल्लीं. कांय भुरगे जीन पेंटी घालून उमेदीन पासयो मारताले. मार्क उणे पडिल्ल्यान ॲडमिशन मेळत काय ना,हाचो बरेच जाणांक दुबाव आशिल्लो. आनी गोंदू? गोंदू मात विशेश योग्यतेन पास जावनय फुडल्या शिक्षणाक फाट करून, आपल्या फुडाराचीं गणितां करीत, मळबार दोळे भोंवडायत, हांगा थंय पिशावरी भोंवतालो.

गोंदूच्या मनांत आयलें, आपूण जर गिरेस्तांलो भुरगो आसलो तर घरचीं आपली कितली तोखणाय करतलीं आसलीं. घरचोच कित्याक, सोयऱ्यांधायऱ्यांकडच्यान अभिनंदनाचो शिंवोर जातलो आसलो. कांय भायल्या लोकांनीं वयलेतराक अभिनंदन केलें, तेंय करूंक जाय म्हण. काळजांत सावन अभिनंदन -तोखणाय करतलो जाल्यार आपलीं मनशां आसचीं पडटात. गोंदूलो घरा कोण आसलो? आवय-बापूय? गोंदू पास जाल्ल्याची खोस काकीक जाल्ली.

पूण ती खाशेली अशी न्हय. तिच्यो दोन धुवो पास जावन पयल्या वर्गांत गेल्ल्यो. गोंदूचेंय तशेंच जालां, अशें तिका दिसलें.

गोंदू इस्कोलांत पयलो आयलो, आनी पावलूचें कितें जालें? तो खंयच्या वर्गांत पास जालो? तो नापास जावपाचो प्रस्नच येना. पास-नापासाचो दुबाव वादीव भुरग्यांचो घेवपाचो आसता. पावलू तसलो नासलो. ते भायर तो गोंदूचो वांगडी.

एका वक्तार गोंदू आनी पावलू मदले संबंद गैरसमजान बिगडिल्ले. तेय फादर प्रिन्सिपालाच्या करण्यानी. खरी गजाल पावलूच्या लक्षांत येतकच ताका आपली चूक कळळी. ताका पश्चताप जालो. मागीर ताणें थारायलें, तांचे मदें कोणेय कितलोय विंगोड घालपाचे यत्न केले तरी आपूण गोंदूचो वांगोड सोडपाचो ना. गोंदून तर पावलूचें कांयच मनार घेंव नासलें.

गोंदूच्या लगाडेक लागून पावलून मेट्रीकेचो अभ्यास नेटान केल्लो. तरी गोंदूचो आंवाटो पळोवन आपूण गोंदूचे सर्तीत कसोच तिगाव धरचो ना, हाची जाणविकाय पावलूक आशिल्लीच. गोंदूकय पावलूची चड काळजी आसली. शिकतां-शिकतां पावलूचे नोटस

गोंदू तपासून पळेतालो. कितेंय आडखळ सापडली जाल्यार तो ताचे कडच्यान सुदारून घेतालो. एक इंग्लीश सोडली जाल्यार हेर सगळ्या विशयांचेर गोंदूची नदर आशिल्ली.

किरिस्तांवांलीं भुरगीं फाड-फाड इंग्लीश उलयतात हाचेवयल्यान तांकां इंग्लीशीक बरे मार्क मेळटात अशी बरेच लोकांची समजण आसता. पूण खरी गजाल अशी की, जो भुरगो विशयांचो अभ्यास मन लावन करता, तोच ते विशयांत बरे गूण मेळयता.

पावलू इंग्लीश बॉय आसुनय ताका मेट्रीकेक बावन्न टक्के मार्क मेळ्ळे. आपूण सेकंड क्लासींत पास जालों. उणेच फस्ट क्लासींत तरी पास जावंक जाय आसलों. कांय नज. आपूण बऱ्या मार्कांनी पास जालोना म्हण कितें जालें? गोंदून आमच्या इस्कोलाचें नांव बयर काडलें तें कितें थोडें जालें?

पावलू तसो वायट शिकनासलो. पूण ताचो घोकंपट्टीचेरच चड भर आसलो. ताका लागून इस्कोलांत ताका सत्तर टक्क्यां वयर मार्क मेळटाले. घोकंपट्टी करून परिक्षा दिवपी भुरग्यांक केन्ना-केन्ना णव्वद टक्के लेगीत मार्क मेळूंक शकतात. पूण ते सारके प्रस्न आयल्यारच.

जो भुरगो पाठांतराचेर निंबून रावना, मन लावन, बारकायेन आनी गंभीरतायेन अभ्यास करता, ताचो फुडार चकचकीत आसता. परिक्षेंत उणे मार्क पडले लेगीत जाल्यार फुडें ताचो फायदोच जाता.

गोंदूक पाठांतर साप्प आवडनासलें. कवितेच्यो वळी मात तो अर्थासयत पाठ करतालो. विज्ञान आनी गणिताचींय कांय फोर्मुलां तो अर्थासयत पाठ करतालो. हेर सगले धडे तो बारकायेन, गरज पडटा थंय शब्दकोशाचो आदार घेवन, गंभीरतायेन वाचून विशय मनांत भरतालो अशे तरेन की गरज पडटा तेन्ना मनांत साठयल्लें गिन्यान आचळय पेपराचेर उतरोवचें. एकदां मनांत साठयल्लें गिन्यान गोंदू सोपेपणान विसरनासलो.

गोंदून शिक्षण सोडपाचो निर्णय घेतला,

हें आयकून पावलूचे दोळे भरून आयले. बारावी मेरेन तरी एकठांय आसतले, अशें पावलूक दिसतालें. गोंदू शिकपांत कितलोय बरो आसलो तरी तो दोतोर-बितोर जावपाचें चिंतचोना. आपल्या सांगातान रावपाक पाद्रीले हायर सेकंडरीतच तो ॲडमिशन घेतलो, अशें दिसतालें पावलूक. गोंदून एकदां शिक्षण सोडपाचो निर्णय घेतला, तातूंत आतां कसोच बदल जावपाचो ना, हाची खात्री आतां पावलूक जाल्ली. आपले इश्टागतीचे यादस्तेक आनी इस्कोलांत मेट्रीकेक पयलो आयिल्ल्या निमतान ताणें गोंदूक आपल्या घरा एक व्हडली पार्टी दिवचें थारायलें. ताचे मम्मीकय पावलूची ही येवजण मानवली. पार्टी थारावचे पयलीं गोंदूचो हयकार घेवपाची चड गरज आसली. पावलून गोंदूक आपले घरा आपोवन घेतलो.

"बाबा पावलू, तुये कितें कोरपा चितलां रे पुता."

"कांय ना मम्मी."

"कांय ना, तूं कॉलेज शिकोना म्होणोन आयकोलां हायें."

गोंदून तकली खाला घाली.

"तो हें कोरूं नाहां रे पुता म्हुज्या तुहां तोकली आहा मुरे. जाता तितलें शिको झे. दुडवांक लागोन हाट सोत्ताय रे? तूं दुडवां लागो भियों नाहां. तुकां लागत तितलो दुडू हांव दितोलीं पावलूचे डॅडीक हायें चिटयें तुजे विशीं सोगलें बोरयलां तूं आमचो दुसरो पूत कोहे मुरे!"

मम्मीचीं उतरां आयकून गोंदूच्या दोळ्यांतल्यान दुखांच्यो झरी व्हावंक लागल्यो. मम्मी फट उलयनासली. हालीं हालीं गोंदूची तांकां चडच वोड लागिल्ली. दोगांची जोडी पळोवन मम्मीक खऱ्यांनीच सूख भोगतालें. पावलूच्या डॅडीकय खूब आवडूंक लागिल्लो गोंदू!

"मम्मी, तूं म्हाका शिकपाक फोर्स करूं नाका. म्हाका असलें शिकप नाका. हायें माझ्या फुडल्या जिविताची येवजण करून दवल्ल्या. हांव ते येवजणे प्रमाण फुडलें जीवित सारूंक सोदतां. तितूंत बदल जावचो ना."

(फुडें चलता)

नं. प. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७

पडवेर

इश्टागत



इश्ट नांवावेल्यान इश्टागत हो शब्द आयला. मनीस जल्माक येतना एकटोच येता तसो तो वतनाच एकटोच वता. पूण जल्माक आयल्या बरोबर तो खुपशीं नातीं जोडटा. भाव-भयण, काका, मामा, आत्या, मावशी प्रत्येक नात्यांची सीमा तितल्या पुरती मर्यादीत आसता! तशेंच इश्टागत हें सुध्दां एक नातें कशें!

नातीं रगताचीं आसतात. तीं आमकां वेंचपाक मेळनात. पूण इश्टागतीचें तशें आसना. तें आमकां वेचपाक मेळटा. आमच्या स्वभावाक मेळटा-जुळटा तशें तें निवडपाक मेळटा.

इश्ट नासतना मनीस आसपाकूच शकना. प्रत्येक जाणांक कोण ना कोण तरी इश्ट आसतातूच. तातुंतले थोडे सामके जिवा-भावाचे कशे. थोड्यांक घरच्यां परस इश्टूच चड लागीचे आसतात. थोड्या थोड्या लोकांक घरच्यां परस बऱ्या-वायट वेळार इश्टूच पावतात.

थोड्या-थोड्यांची इश्टागत इतली पेजाद आसता की तांकां नांवां पडिल्लीं आसतात, व्हकल-न्हवरो, घोव-बायल.

थोड्यांची इश्टागत मोनजातीकडे आसता. तेन्नां खुपशीं जाणां जाण्टेपणार तांच्या वांगडा उलोवन आपलें एकसुरेंपण सारता.

इश्ट म्हळ्यार दोस्त, मित्र, आमिग, फ्रेन्ड अशीं इश्टांक कितलीं तरी नांवां आसात.

इश्ट करतल्यांक जात-पात, देव-धर्म अशें कांयच लागना. ती आपशीच जाता आनी इतली घट्ट जाता की एकामेकाक मेळ्ळ्याबगर जिवाक चैन पडना.

थोड्यांचे इश्ट भायल्या देशांत कामाक आसत जाल्यार येतना ते आपल्या इश्टाक फॉरेनच्यो वस्तू घेवन येतात. पूण थोडे इश्टाक कितें तरी दिवचें पडटलें म्हण कुसूय मारतात.

इश्टागतीक पिराय लागना. थोड्यांची इश्टागत भुरग्यांची जाण्ट्यांकडेन. दादल्यांची बायलांकडेन, चलयांची-चल्यांकडेन आसत जाल्यार लोक बेश्टेच दुबावान पळेतात. पूण केन्नां केन्नां तेच इश्ट पयलीं दादा, भाई, दोस्त आनी मागीर नवरोजी केन्नां जातात तें तांकांच खबर आसना.

दादल्यांचे ल्हानपणावेले इश्ट आसत जाल्यार ते लग्न जातकूच आसतात. मागीर ते त्या ग्रुपा बरोबर पिकनीक, शेनवारची पार्टी, आयतारचें खंय तरी बसप अश्यो गजाली करतात. पूण बायलांचें तशें आसना. चड करून बायलां (महिला मंडळ सोडल्यार) पिकनीकेक गेल्लीं दिसना. गेलींय जाल्यार ग्रुपान वचप. तेंय बी घोवांच्या इश्टांच्या फॅमिली बरोबर. मागीर घोवाच्या इश्टांचीच बायल ती, मागीर तात्पुरती इश्टीण जाता. पूण शेनवारचीं रातचीं लेट घरा येवप. आयतारा बसप अश्यो घडणुको तिच्या जिवितांत घडना. चडश्या बायलांची इश्टीणीचें लग्न जातकच तांची ताटातूट जाता आनी केन्नाय मेळ्ळी जाल्यार एकमेकांची खुशाली विचारून इश्टागत तात्पुरती थांबता. पूण दादल्यांचें तशें आसना.

थोडे इश्टागतीचेर सिनेमा काडून इश्टागत कितली घट्ट आसता तें दाखयतात. थोड्या थोड्या सिनेमांनी इश्ट कितले विशिश्ट आसतात तें दाखयतात. तेन्ना तसले सिनेमां पळोवन इश्ट करचे काय ना हाचेर मनांत मात्सो घुसपा-गोंदळ

जाता.

थोड्यां विशिश्ट इश्टांक लागून कांय म्हणी आमचे भाशेंत रिगल्यात.

''मित्रानेच मित्राचा गळा कापला''

''गोडाक मूस खूप घोगेता.''

पूण सगळेच वायट इश्ट आसतात अशें ना. त्या खातीर बऱ्योय म्हणी आसात.

'दोस्त असावा तर तो तुझ्या सारखा.'

'Friend in need is friend in deed.'

मनशाच्या जिवितांत इश्टागत हें एक व्हड नातें. मनीस शिकून-सवरून केद्याय व्हडल्या पदाचेर पावलो तरी आपलें मन हलकें, उक्तें करपाक इश्टूच चड आपलो कसो दिसता.

जिवितांत खरो सुखी जावपाक जाय जाल्यार एक तरी इश्ट आसप सामकें गरजेचें.

तुज्या सुखा-दुखांत वांटो घेत तो खरो इश्ट, इश्ट आसप म्हळ्यार एक आदार कसो.

इश्टागत आसची
दिश्ट लागपा सारखी

इश्टागत आसची
एकमेकांक पावपा सारखी

इश्टागत आसची
चुकल्यार वाट दाखयता तसली

न्हय तर चुकीचेर हासता तसली!

■■■

-शितल आरोलकार
पर्वरी-गोंय
फोन : २४१३१९०

IS: 14543
CM/L-7369790

MICRON FILTERED
Golden Goa!
AQUA STERILIZED

Contents: 20 Ltrs
M. R. P. :Rs. 60/-
Best within 2 Months from Date of manufacture.

RO & SILVER IONIZED
UV TREATED

STORE IN A COOL
DRY PLACE

Packaged Drinking Water

Mfd. & Marketed by PRACHI AQUA MINERAL PVT. LTD. Kundaim Industrial Estate Goa.

कथा

दया माया



''काका, ह्या पिलांचो बाबा खंय रे!''

''आं! आंऽ पप्पा रे? गेला आसतलो खयीं खावडीक.''

''काका म्हाकां खबर आसा, तांचो बाबा कोण तो.''

''आं! कोण?''

''होऽ तो काळो कोंबो ना, तो तांचो बाबा.''

''हें तुकां कशें कळ्ळें?''

''कशें सांगूं?... चार पिलां काळीं आसा म्हणून!''

''आनी हीं थोडीं धवशी आसात तीं?''

''तीं तांचे आवय सारकीं जाल्यां. हांव कसो मम्मी बशेन जालां. तशीं.''

अंदू मिर्गापयलींच पावसान दोन-तीन ओलां केल्लीं आनी आयज तर दनपारचें कड न्हिवयत बरीच व्हड दडक झडिल्ली. पावस गेल्या उपरांत हांव खोरें घेवन खळ्यांत आडवल्ल्या उदकाक वाट मेकळी करून दितालों. इतल्यान तीन वर्सांचो पुतणयो धांवत आयलो आनी म्हणूंक लागलो, ''काका, काका बेगीन यो. तुकां मज्जा दाखयतां.''

''कसली मजा?''

''वेदोळच्या पावसान आमचे काके भिजल्या. आतां तेऽ पळय, पाखां सुखयता.''

''आं!कावळे रे? ते भिजुना. न्हाल्यात ते.''

''पावसान न्हाले मरे, आतां तापय मरे तर तांकां.''

''तापोवं?''

म्हाकां रडचें काय हांसचें तेंच कळना जालें.

''चल चल. तेऽ पळय, झाडार बसल्यात.'' अशें म्हणत म्हाका ओडपाक लागलो.

''आरे पुणून ते भिजल्या म्हण तुकां कशें कळ्ळें?''

हांवें फकाणानीच विचारलें.

तेन्ना तो आपले हात पयस करीत म्हणपाक लागलो, ''कशे म्हणजे, ते पाखां मरे अश्शे, अश्शे करताले आनी तांचीं काळेलीं पाखां धवींच जाल्यां!''

''अशें! आरे पुणून ते कावळे आमचे म्हण तुकां कशें कळ्ळें?''

''हांव आमच्या काक्यांक वळखना तर! तो आमचो भोबो खाता ताका तर हांव सारको वळखतां.''

उलयतां उलयतां घरा फाटल्यान पावले.

''खंय रे खंय आसा ते कावळे?''

''हांगाच, ह्या झाडार आसले मरे!'' म्हणत तो कडेच्या झाडांचेर पळोवपाक लागलो.

इतल्यान ताका खोपींत धांपिल्ल्या कोंबये-पिलांचो आवाज आयलो. तसो तो तेवटेन वळ्ळो. आनी हांव व्हांवन आयिल्लो कोयर खोऱ्यान कुशीच्या दबऱ्यांत वडोवपाक लागलों.

पुणून रोखडोच तो परत धांवत येवन म्हाकां ओडपाक लागलो, ''काका, यो रे. यो रे. पिलांक माऽ तशीं सोडुया.''

आमचे एके कोंबयेन सात-आठ

पिलां काडिल्लीं. तांकां भोंवतना पळोवपाक ताका खूब मजा दीसऽ. पिलांक हेवटेन तेवटेन धांवडायत आपुणय तांचे वांगडा नाचता. सकाळच्यान म्हजे फाटीक लागिल्लो. कसलीं कसलीं निमतां सांगून आडायल्लो. पूण आतां हट्टिपणां केलेबगर रावचो ना हें येवजून, ''बाबू, मात्सो राव आं. हें इतलेंच करतां.'' अशें सांगलें. पुणून तो खुबूच उतुळ्ळो जाल्लो. खोरेंय जाग्यार दवरूपाक दिना जालो. हाताच्या बोटाक धरून ओडपाक लागलो.

लाकडांचे खोपींत कुशिकशी एके पांजिपोंदा कोंबयेक धांपिल्ली. पिलांक आपल्या पोटापोंदा घेवन वग्गी बशिल्ली. दोन-तीन पिलां घरांतल्यान भायर-भितर सरचीं तशीं तिज्या पाखट्यापोंदा खेळटालीं. जाल्यार एक पील कोंबयेचे चोंचिकडेन येवन आपलें आंग खाजय म्हणून सांगता काय दिसतालें. बाबूक तीं पिलां दिसनाफुडें ताणेन बोवाळ केलो.

''काका, हिब्बय पिलां लिपल्यां. मात्शे, मात्शे पांय दिसता.''

आमचो आवाज आयकून कोंबी एकदम उठली आनी पाखां फुलोवन ''कोंऽ केंऽ'' करून घुरघुरपाक लागली. पिलांय ''पींऽ पींऽ'' करपाक लागलीं. हांव पांजींत हात घालतां म्हणल्यार चडूच करपाक लागली. पांज उखलताना कोंबी दोन-तिनदां म्हज्या हातार चोंच मारपाक सोदताली. पुणून तिका चुकोवन पांज उखल्लीच. तशीं भुरग्यांची शाळा सुटिल्लेवरी पिलां जळी मळी नाचपाक लागलीं. कोंबी मात कसल्यातरी भंयान तांकां एकठांय करताली. तें पळोवन बाबू मजेन नाचपाक लागलो.

उपरांत बडयेचो भंय दाखयत कोंबयेक आनी पिलांक पोरसांतले एके मेकळे सुवातेर हाडलीं. तेन्ना बाबू तांचे फाटल्यान हेवटेन तेवटेन किरायतालो. मदींच दोनदां पडलो. ओले मातयेंत पडून हात-पांय लोळयले. हरशीं पडटकीर रडपी, आयज मात उमेदीन नाचतालो. अचकीत ताका कसली तरी याद जाली-

''काका, ह्या पिलांचो बाबा खंय रे!''

''आं! आंऽ पप्पा रे? गेला आसतलो खयीं खावडीक.''

''काका म्हाकां खबर आसा, तांचो बाबा कोण तो.''

''आं! कोण?''

'''होऽ तो काळो कोंबो ना, तो तांचो बाबा.''

''हें तुकां कशें कळ्ळें?''

''कशें सांगूं?... चार पिलां काळीं आसा म्हणून!''

''आनी हीं थोडीं धवशी आसात तीं?''

''तीं तांचे आवय सारकीं जाल्यां. हांव कसो मम्मी बशेन जालां. तशीं.''

''आंऽ हय मरे. म्हज्या लक्षांतूच आयलें ना.''

ह्या उतरार तो सामको खळखळून हांसलो. ताजें तें उमेदीन भरिल्लें हांसप पळोवन म्हाकांय मळबाक तोंड करून हांसनशें दिसलें. पुणून तकली हालयत भितरल्या भितर हांसप चिड्डीलें.

ताका तीं पिलां आयकना जालीं.

''काका, हीं पिलां कडेक कडेक धांवता मरे.''

''मागीर हांव किदें करूं?''

''आरे, तांकां भूक लागल्या. घरांत चल आनी कणयो हाड. चल, चल मरे. बेगीन चल.''

''बरें रे बाबा, घेवन येतां. पुणून तूं मात तांचेर सारकी नदर दवर आं. हे पळय कावळे बोब मारता.'' अशें म्हणून हांव फाटले वटेनच्यान घरांत सरलों.

भितर वचून कणयों खंय दवरल्या म्हण सोदता थंय आसा, बाबू लागलो उलो मारपाक.

''काका, ये काका. यो यो बेगीन यो. काके आयले.''

तसोच भायर आयलों. पळय जाल्यार, पिलाचेर झोपय मारतल्या कांवळ्या फाटल्यान कोंबी उडत धांवली आनी ताका पयस धांवडायलो. पुणून आनीकूय कावळे आसले. भंयान जळा-मळा गेल्ल्या एका पिलाक आमचे नदरे सामकारल्यान केन्ना उखल्लें तें कळ्ळेंच ना.

पिलाक उबारलें म्हण बाबून व्हडलो आकांत केलो.

कोंबी परतली आनी बेगोबेग आपल्या हेर पिलांक जमोवन आपल्या पाखांपोंदा घेवन रावली.

कावळो पिलाक घेवन बद्द माट्टीचेर, वयर बसलो. पील बोब मारतालें. कोंबये वांगडा लागचीं हेर कुकडांय कोकेतालीं. एक पील गेलें, वचूं. बाकिच्यांक तरी सारकीं सांबाळुया म्हण कोंबी आडसाक शी तांका घेवन रावली. सगळें कशें कांय खिणाभितरूच घडलें.

तो कावळो त्या पिलाक आतां मारून खातलो, हें म्हाकां कशेंच सोसना जालें. लागचेच फातर घेवन हांव ताजे फाटल्यान लागलों. तो माट्टीवेल्यान सायलाचेर पावलो. सायलावेल्यान किंदळार.... हांवय त्या कावळ्या फाटोफाट ताका जिवानशी मारतलों हे तिडकीन फातर शेवटीत धांवतालों. म्हाकां कावळ्यांचो खूब राग आयिल्लो. तोंडांतल्यान जायत्यो गाळी भायर सरताल्यो. बाबू मात शुन्य नदरेन म्हाकांच पळयतालो.

कावळो पिलाक घेवन पयस पावलो. पिलाचीय वाचा आतां बंद जाल्ली. आनी हांवय मागीर मेलें दिसता, पाड पडूं. अशें म्हणत परतलों.

बाबू बाबडोऽ जावन कोंबये कडेनूच आसलो.

''किदें रे, खावयलें मरे पिलाक?'' ताज्या तोंडातल्यान उतर भायर सरना जालें.

''काय बरें पील. धवेंच. चल-चल आतां हांकां धांपुया.''

तरीय रडकुरो जांवन वगीच!

कोंबी उठना जाली. घुरघुरपाक लागली. तशीच परत बडी घेवन हाडून धांपली.

''आरे बाबू, पिलाक व्हेलें मरे. व्हरूं. तूं यो घरांत. हो पळय आतां परत पावस येवपाचो जालो.''

तसो तो येवन म्हजे मांडयेर बसलो.

''काका, तो काको खंयचो रे?''

''खंयचो म्हणजे हांगचोच.''

''सकाळीं हांव भोबो खातना येता, तो. तो.''

''जाण कोण! आतां कशें कळटलें. सगळे कावळे सारखेच.''

''काका तो काको मेळळयार तूं कितें करतलो आसलो?''

''फातरान मारूनच वडयतलों आसलों. काय बरें आमचें पील व्हरून खाल्लें ना ताणेन.''

''काका, सद्दा सकाळीं आमगेर येता, तो रे तो?''

'''जायत!''

''आनी ताका मारल्यार हांवेन कोणा वांगडा भोबो खावपाचो?''

''आरे, कावळे आसा कितले. भाकरे कुडको उडयल्यार जाय तितले धांवून येतले.''

''पुणून तो काको तसलो न्ही. आमच्या पिलाक तर तो व्हरचोच ना.''

''तुकां कशें कळळें? सगळे कावळे सारखेच. पिलां बी व्हेल्यार तांकां मारूनच वडोवपाक जाय.''

तें आयकून बाबू तोंड वरशें करून म्हज्या तोंडाक पळयतूच उरलो. रोखडोच उठून भितर गेलो. सोश्या आंगाचें आपलें बालवाडीक व्हरपाचें बॅग हाडलें आनी पुस्तक काडून सवण्यांचीं चित्रां पळोवपाक लागलो.

अवचीत परत पावस आयलो. तो बरोच सांज मेरेन झडलो. सगळ्याक परत उदकूच उदक जालें.

पावस वतकीच हांव उठोन पासयेक म्हण बाजारांत गेलों....

हरशीं रातचो जाण्टीं जेवच्या पयलीं



बाबू जेवन चडसो न्हिदतालो. पुणून आयज सगळीं न्हिदलीं तरीय हाका झेम येनासली. आपल्या बापायक तो तरे तरेचे प्रस्न विचारतालो. घडये ताका जाय तश्यो ताजे कडल्यान जापो मेळनासल्यो. तो उठून हांव न्हिदलां थंय आयलो.

''कितें रे बाबू, झेम येना?''

''काका, आमच्या पिलाक घेवन गेल्लो तो काको हांगचो काय रानांतलो?''

''तूं सांग पळोवया, खंयचे आसतलो तो?''

''सांगूं? रानांतलो. आमचो काको पिलांक खायना. तो भोबो खाता.''

हांव ताका ''हें तुकां कशें कळळें?'' अशें विचारतलों म्हूण उठून बसलों. पुणून कांयच विचारी नासतना हासून सो वगीच रावलों.

''काका, पिलाक व्हरना त्या काक्याक तूं मारिना न्हय?''

''आं! ना. ना. मारिना..तुज्या कावळ्याक तर कसोच मारचोना.''

''हय, खऱ्यानींच मरें, खऱ्यानीच मरे?''

अशें म्हणत तो उमेदीन धांवत सो गेलो. हांव मात ताजें तें वागणें पळोवन चितपाक पडलों. अशें कितें घडलां काय..?

सद्दां बाबूक सकाळचो बालवाडीक तयार करूंक उठोवचो पड. पुणून आयज मात सक्काळीं उठून भायर येवन बसला.

''आरे बाबू, कितें रे? हांगा बसून कोणाची वाट पळयता? काक्याची? आरे, आजी म्हणटा तशें म्हणत आपय मरे ताका. कळना? हांव म्हणू?-

काक्या रे काक्या, गोटे खा वेंचून वेंचून
आमचो रे बाबू जेवता, नाचून नाचून''

'''काका, तूं म्हज्या काक्याक खऱ्यांनीच मारचो ना मरे?''

''ना रे. फकत पिलां व्हरता तांकांच मारतां हांव.'' अशें म्हणून हांव गेलों.

पुणून तो मात थंयच पडवेर बसून आसलो.

''कितें रे बालवाडीक वचपाचें ना. चल चल, च्या घे आनी कपडे घाल.''

ताजे मम्मीन ताका फर्मायलो.

''हांव मागीर काका भायर सरतकीर च्या घेतलों.''

''आनी आयज बालवाडीक वचपाचें ना तर?''

इतल्यान हांव मुखार आयलों. तो म्हाका पळयतूच उरलो.

''बाबू, आयज म्हाका सुटी. हांव व्हरतलों तुकां बालवाडीन.''

''काका, आयज हांव वचचो ना.''

अशें म्हणत ताणें तोंड वाकडें केलें.

''आरे पुणून कित्याक?''

''तूं म्हज्या काक्याक मारीत जाल्यार!'' तो रडकुरें उलयलो.

''आरे, त्या कावळ्यांक मारूंक ते कितें हाताक मेळटा तर!''

''हांव ते रानांतले म्हणना. घरांत आसा ताका म्हण्टां.'' अशें म्हणत तो हणकुटचो काडपाक लागलो.

''कितें घरांत आसा? आंऽ, तें खेळणें रे?''

''तो न्ही. हावेन म्हज्या बॅगांत धापून दवरला तो. काल तो न्हावन हांगा आयिल्लो. ताका हावेन लिपोवन दवरला.''

तो कितें म्हण्टा तें कांयच समज नासलें. पुणून ताजे मम्मीक कळळें.

''आंऽ, काल एक कावळो पावसान आखडून येवन हांगा बाकार बशिल्लो. धांवडयल्यारूय कसोच वचनासलो. भिजून सामको जाम जाल्लो. घडये ताका धरून दवरला आसतलो.''

''हय रे? दाखय पळोवया. चल.'' म्हणत ताका हांवें उखल्लो.

ताणेन आपलें बॅग मेजा पोंदच्या डब्यार दवरिल्लें. सोश्यावरीं मोव आशिल्ल्या त्या बॅगाचे उबेंत रावन, चोंच भायर काडून कावळो आसलो. तशेंच अचळयत बॅग उखल्लें आनी चेन ओडली. तसो तो कावळो हातांतलो सुटून वंयचेर वचून बसलो. तें पळोवन हांवेन ताका म्हणलें,

''चल. दी ताका आतां भोबो आनी म्हण तुजें पद.''

पुणून तो कितेंय म्हणचे पयलींच कावळोच आपली मान वाकडी करून ''कांव, कांव.'' करपाक लागलो.

''बाबू, काको भोबो मागता मरे. चल, चल हाडून दी ताका.''

पुणून तो कसोच हालना जालो. बाबडो जावन म्हाकाच पळोवपाक लागलो.

''आरे, आतां हांव तुज्याच न्ही तर खंयच्याच कावळ्याक मारचो ना. जालें?''

''खरेंच मरे?''

''हय, हय खऱ्यांनीच.''

''चल आतां तूंय भोबो खा आनी भायर सर. बालवाडीक या मरे?''

हीं उतरां आयकून तो उमेदीन घरांत धांवलो आनी हेवटेन कावळो मात ह्या खुटा वेलो त्या खुटार उडत कांव कांव करून कितें तरी म्हण्टालो. म्हाका तें कांयच कळनासलें. बाबू मात तें समजून हांसत हांसत टाळयो मारतालो...

■■■

–रा. ग. गावडे
मोलें व्हाया कुळें
गोंय
फोन: २६१२३१०

THE Little Collection
A GIFT SHOP
With Best Compliments
Yatin Parekh
Ph : 427811
Gifts, Toy's & Novelties
Panjim Market Shop No. 2
Ulto Ano Road
Panjim-Goa 403 001

Councillor Ward No. 10
Panjim Municipal Council
Munpl. Off.: 223367
Little Conexion : 420550
Res. : 221623

Little Conexion
PREMIUM DEALERS FOR Airtel

म्हजी भयण

म्हजी भयण आसा सान
म्हज्या परस आठ वर्सांनी ल्हान
ताचें नांव रिध्दी
तें म्हण्टा म्हाका दीदी

दांत ताचे मोतयाळे
केंस ताचे मुदयाळे
दोळे ताचे काळे-काळे
मुखान तें वाटकुळें

जेवणाक जाय ताका
नुस्त्याचो कपो
न्हेसूंक जाय ताका
वोडणेचो पोपो

केन्ना केन्ना करता तें
खुपूच मस्ती
खेळटा म्हजेशीं
मुठी आवळून कुस्ती

वता तें बालवाडीन
लागींच आमच्या घराकडेन
तें केन्नां हांसता केन्ना रडटा
तरींय म्हाका तें खुपूच आवडटा

– रीम्मी गिरीश शेणवी प्रियोळकार
यत्ता आठवी
आल्मेदा हायस्कूल, फोंडा

सत्य उतर

जो उलयता सत्य तो
जाता सदांच सुखी
जो उलयता फटी तो
जाता सदांच दु:खी

सुख आमच्या जिविताचें आंग
सत्य दाखयता यशाचो मार्ग
सत्य उलोवपी देव मानता
देव मानप्यांक यश मेळटा

ते जातात बरे मनीस
ते खातीर जाणा जायात
सत्याची शक्त
सत्य उतराची सुंदरताय

–आतिश पालव
बालभवन, वास्को-द-गामा

हारपी आनी जिखपी

जिखपी सदांच करता काम
हारप्याक मात सदांच परतें सांग

जिखपी संकटाचेर काडटा उपाय
हारपी घालता सदांच संकटांत पांय

जिखप्याक आसता खबर
वायटा फाटल्यान येतलो बरो काळ

हारपी मात वायटा उपरान्त
सदांच रावता घाळ

जिखपी फुडाराचें चिंतता
आनी वर्तमान जगता

हारपी वर्तमान शेणयता
भूतकाळांतले चिंतून

–सिध्दी प्रियोळकार
बालभवन-वास्को

आमी आनी झाडां

झाडां वाडटात सोबीत
पूण आमकां खबर ना
आमी कशे ते
आमी अशे जीव
जांकां सुखूच जाय
आनी ते खातीर करतात
जिवितांत सगले प्रोब्लेम
पूण तुमी जाणात?
झाडां मात केन्नाच
मनशांक काबार करपा इतलीं
दुश्ट नासतात

–हिरण्येश आडारकार
वास्को, गोंय

पोपटा

पोपटा तुजें आंगलें
कशें पांचवें पांचवेंच
पोपटा तुजी चोच
कशी तांबडी गूंज

पोपटा तुजें नाक
कशें जालां चपटें
पोपटा तुजें उलोवणें
कशें मन भुलावणें

पोपटा तुज्या गळ्यांत
कोणी ओतलां अमृत
पोपटा तुजें जगणें
कशें जालां बंदखणिंतलें?

पोपटा तुजें स्वातंत्र्य
कोणी घेतलां बळकावन
पोपटा तुका पांजऱ्यांत
कशें लागता सूख?

–सौ. सुनिता सुभाष शाह
शांताबन
मेरशी–गोवा

दर्यावेळेर एक सांज

अभ्यास सोडून कितेंय नवें करप
अशें म्हाका दिसलें
एक सांज दर्यावेळेर वचप
अशें हांवें थारायलें

लोकांची गर्दी वेळेर
जमूंक लागिल्ली
सूर्याची हुनसाण कमी जावन
सगळ्याक सावळी पसरली

धर्तरी आनी उदक तापोवन
सूर्य खूप थकिल्लो
वता म्हूण निरोप दिवन
तो बुडूंक लागिल्लो

– सिध्दी प्रियोळकार
सेंट ॲन्ड्र्यूज इस्टिट्यूट
बालभवन, वासको–द–गाम

पावसा मामा



पावसा मामा पावसा मामा
यो रे यो रे घोग्यानी यो
शाळेक मागीर सुटयो
मम्माच्यो ऑफिसाक दांडयो

टिफिनांतले चॉकलेट बिस्कीटांची
आयलो म्हाका वीट
आशेतां हांव मम्मा हातच्यो
गरम गरम चपाती

पावसा मामा पावसा मामा
यो रे यो रे जोगलां मारून घोग्यांनी
भिवून कडकडटल्या म्हज्या जिवाक
वेंगांयतली मम्मा

मायेच्या उबेक आशेल्ल्या
म्हज्याखातीर एकदां
यो रे यो रे गडगड करून
जोगलां मारून घोग्यांनी यो

–सरस्वतीनाईक
सांकवाळ

ज्योक

दोन पिशे न्हिदिल्ले. इतल्यान एक चोर आयलो आनी चादर घेवन गेलो. एका पिशान म्हटलें, ''चोर-चोर धरा धरा.'' दुसऱ्या पिश्यान म्हणलें, ''आसूं दी रे. उशें व्हरूंक येतलो तेन्ना धरूया.''

– सुधीर तारी
बालभवन-वास्को

मोनू –बाबा, तूं हतयाक भियेता?
बाबा – ना शाण्या
मोनू – शिंवाक
बाबा – ना रे पुता
मोनू – सोरपाक
बाबा – छे ना रे
मोनू – म्हटल्यार मम्मीक सोडून तूं कोणाकूच भियेना.

– श्रध्दा र. रजपूत
बालभवन-वास्को

हें करून पळय

'ध्यान' कर – ज्ञान वाडटलें
'दान' कर – धन वाडटलें
'भक्ती' कर – मुक्ती मेळटली
'श्रम' कर – सूख मेळटलें
'अभ्यास' कर – गुणवंत जातलो
'समाधानी' राव – सुखी जातलो
'हांवपण' सोड – व्हड जातलो
'कला' शीक – अमर जातलो
'लांच' घेतल्यार – भीतर वतलो
'वेसन' सोड – शांती मेळटली
'प्रार्थना' कर – प्रगती जातली

– अक्षय कांबळी
बालभवन, वास्को

हें तुमी जाणांत?

आमी खातात त्या चडश्या जिन्नसांनीं बरेंच उदक आसता. तवश्यांत ९३%, दुदांत ९०% मेरेन, बटाट्यांत ७०%, चीजांत ४०% आनी पावांत ३५% उदक आसता.

नव्या वर्साच्या आदले रातीं म्हणजे ३१ डिसेंबराचे रातीं बारा वाजतकच स्पेनांतले लोक १२ द्राक्षां (दाकां) खातात. अशें केल्यार येवपी वर्साक शुभ फळ मेळटा असो तांचो विस्वास आसा.

–आदित्या रमेश भोसले
बालभवन, वास्को



बिलू बाय

बिलू बिलू बाय
दूदावेली साय जाय
नुस्तें ताका सदांच जाय
शिवराकाची सामकी नसाय

वचून बसता खाटेर
नदर मात हुंदरा वाटेर
अचकीत दिसल्यार उडी घालता
आनी ताका घट धरता

रातचें आपूण जागें रावता
दिसभर न्हिदून रावता
अशें आमचें बिलू बाय
म्हणून तें आमकां जाय

– सदानंद तेंडुलकार
खोडयें, सत्तरी

बाबुलो

आमगेर आसा बाबुलो
गुबगुबीत पोल्यांचो

मुदयाळ्या केसांचो
तांबड्या तांबड्या ओठांचो

बाबुलो आमचो चलतां चलतां पडटा
बीलू बायची शेपडी धरून ओडटा

बाबुल्याक आमच्या जाय गोड-गोड खाऊ
बाबुलो रडटा दिसना जाल्यार चिऊ-काऊ

बाबुल्याचें पापूड किरा-मोराचें
मॅचींग बूट पीक-पीक पेपाऱ्याचे

बाबुलो आमचो जेवतां-जेवतां झेमता
न्हिदेंतूय तो मुमुरख्यानीं हांसता

बाबुलो आमचो आसा गडबडो
आमच्या सगळ्यांच्या आवडिचो

– शितल स. आरोलकार
पर्वरी, गोवा
फोन: २४१३१९०

पप्पा सांगता

पप्पा सांगता
कोडू कोडू वखद घेतल्यार
तोंड गोड गोड जाता
तोंडार हांशें फुलता

खूब खूब शिकल्यार
फुडार सुखी जाता
जिविता त्रास उणें जाता

मस्ती करूंक जायना
मम्मीक त्रास दिवंक जायना
सदांच शाळेक वचूंक जाय

हांसत खेळत दीस सारचे
भलायकी बरी दवरून
व्हड व्हड मनीस जांवचे

– भिकाजी घाणेकार
लिदिया गार्डन
सांतीनेज पणजी
फोन: २४३१३६५

खरा तो एकची धर्म!...

शाळा सुटपाक आनीक अर्द वर आशिल्लें. निमणो पिरयड आशिल्ल्यान भुरगे शिक्षक कितें शिकयता हाचेकडेन लक्ष दिनासतना घरा वचपाचे तयारेंत आपलीं बॅगां भरपांत गुल्ल.

शिक्षकाचें लक्ष ना तें पळोवन राहुलान केदाराक ल्हवच चिमटो काडलो. ''आवय गे!'', करीत केदार नेटान आड्डलो.

''कितें जालें रे आनी असो बोवाळ कित्याक करतात.''

''सर, राहुलान म्हाका चिमटो काडलो.'' केदारान म्हणलें.

''हय रे राहुल, तूं केदाराक चिमटो काडटा? हालीं तूं मात्सो मस्तो जायत आसा,'' शिक्षकान म्हणलें.

केदारान शिक्षकाकडेन कागाळ केली म्हूण राहुल ताचे कडेन खावं काय गिळूं म्हूण पळयतालो.

इतल्यांत निमणो पिरयड सोंपिल्ल्याची घांट वाजली तशी आपापलीं बॅगां घेवन सगळे विद्यार्थी सुकण्यावरीं बोवाळ घालीत घरा धांवत सुटले. पूण राहुल, केदार, केतन, बंटी, सावी, दियात्री, समता आनी ऐश्वर्या हीं भुरगीं मात सगळ्यांच्या फाटींच राविल्लीं.

हेर सगळीं भुरगीं स्कुलाच्या कंपावंडा भायर सरतकच फाटीं राविल्लीं सगळीं भुरगीं शाळे लागींच आशिल्ल्या एका पणसाच्या झाडां पोंदा एकठांय आयलीं.

राहुल लेगीत केदारा वयलो राग विसरून ताच्याच सांगातान चलतालो. सगळ्यांचो फुडारी आशिल्ल्यान केतनान उलोवपाक सुरवात केली.

फाल्यां सुटी आशिल्ल्यान आमी खंय तरी पयस भोंवपाक या. सकाळीं बेगीनूच भायर सरून सांज जावचे पयलीं घरा येवया.

''पूण वचपाचें खंय'' सावीचो प्रस्न.

''या गो गांवतडीर. थंय थंड उदकाचो घसघसो, जांबळां, चुन्नां, चारां, काण्णां आनी मुट्टेय खावंक मेळटले. सगळीं मात आपापल्यो सायकली घेवनूच येयात हां.'' अशें सांगून केतनान मिटींग सोंपली म्हूण जाहीर केली.

तशीं सगळीं भुरगीं आपल्या घरा गेलीं. दुसरे दिसा सकाळीं थारिल्ले प्रमाण सगळीं भुरगीं केतनाच्या घरा भायर एकठांय जातात. पूण केतनाचो पत्तोच ना. केदार आनी राहुल ताच्या घरांत भितर सरून केतनाचे मम्मीक ताचे बद्दल विचारता.

''केतन सकाळीं आपल्या पप्पा वांगडा शुक्रार आशिल्ल्यान म्हापशेंच्या बाजारांत गेला.'' केतनाची मम्मी सांगता.

''आरे पूण तुमी अशे तयार जावन खंय वचपाक भायर सरल्यात तर.'' केतनाची मम्मी विचारता.

''केतनानूच काल आमकां गांवतडीर पिकनिकेक या म्हूण सांगिल्लें देखून आमी आयल्यांत.'' अशें दियात्री सांगता.

आपणेनूच थारावन लेगीत केतन पप्पा वांगडा म्हापशेंच्या बाजारांत गेला हें आयकून पिकनिकेच्या मुडान आयिल्लीं सगळीं भुरगीं निर्शेवतात.

आनी सगळीं घरा वचपाक भायर सरतात.

रस्त्यान चलून वतना तांकां एक जाण्टेली दिसता. ती जाण्टेली जायत्या वेळा सावन थंयच बशिल्ली.

जायते लोक तेवटेनच्यान येताले-वताले. पूण ते जाण्टेलेकडे मात कोणूच लक्ष दिनासलो, तिका रस्तो हुंपपाचो आशिल्लो.

पूण वांगडा आशिल्ल्या सामानाक लागून आनी नेटान वचपी वाहनांक लागून ती रस्तो हुंपपाक असमर्थ आशिल्ली.

''आमी ते आज्येक मजत करूया, कितलो तेंप ती अशीच बसून रावतली'' सावीन म्हणलें.

''हय, हय आयची सुटी पिकनिकेंत व्हगडावच्या परस अशें कितेंय बरें काम करीत जाल्यार आमचीं घरचीं आनी शिक्षक लेगीत आमकां शाबासकी दितलो'' बंटीन म्हणलें.

''चल आज्ये आमी तुकां रस्तो हुंपपाक मजत करतां, त्यो पोटल्यो आमचेकडेन दी'' समतान म्हणलें.

''आरे भुरग्यांनो पूण तुमी तर बऱ्या घरचींशीं दिसतात! पयस रावात म्हाका आफडू नाकांत, आनी म्हाका मजत करतना तुमका तुमच्या घरच्यांनी पळयल्यार म्हाका तीं मारून उडयतलीं'' जाण्टेली सांगता.

''अशें कित्याक म्हण्टा तूं आज्ये'' समताचो प्रस्न.

''आगो बाय तुका खबर ना. हांव पयस त्या हरिजन वाड्यांत रावतां, थंयच्यान कोण येतकीच रस्तो हुंपपाक म्हाका मजत करतलो.''

''आजी, पूण आतां तर दनपार जाल्या. थंयच्यान कोण येता म्हणसर एखादे वेळार काळोखूय जावं येता. तेन्ना आमी तुका मजत करतलींच. आमच्या गुरूजीन आमकां साने गुरूंजीचें 'श्यामची आई' हें पुस्तक वाचपाक दिल्लें, आनी त्या पुस्तकांत लेगीत 'खरा तो एकची धर्म जगाला प्रेम अर्पावे' अशें आमी वाचलां. आनी आमच्या कांदोळकार सरान लेगीत 'मानव तितुका एकची आहे उच्च न कोणी निच न कोणी' हें पद आमकां शिकयलां.''

अशें सगळीं भुरगीं वांगडाच सांगतात. आनी वेळ करिनासतना समता, ऐश्वर्या, बंटी जाणटेलेच्या हातांतल्यो पोटल्यो स्वताकडेन घेतात जाल्यार राहुल, केदार ते आज्येच्या हाताक धरून तिका रस्तो हुंपपाक मजत करतात.

आनी अशे तरेन पिकनिकेच्या मुडान भायर सरिल्लीं हीं भुरगीं एक बरें काम करून ते जाण्टेलेच्या आशीरवादा वांगडाच शाळेंतल्या शिक्षकां कडल्यान शाबासकी मेळयतात.

■■■

-बाबनी मापारी
एल-१०,
हावसिंग बोर्ड कॉलनी
बड्डें-दिवचले, गोंय

म्हजी गिमाळी सुटी

हे सुटयेंत हांवें खूब कितें नवें केलें. नवें शिकलें, फिरून आयलें... खूब मजा केली. कांय दीस हांव बालभवनांत गेलें. थंय नाटक शिकलें. हें नाटक जय हळदणकार हाणें बसयल्लें. नाटक अशें की एक भाकरा बाब म्हूण भाटकार. तो एक गांवांत वता आनी कितें बुद्द शिकता आनी कसो शिकता हें त्या नाटकांत दाखयलां. बालभवनांतले दीस खरेंच मजेचे आशिल्ले आनी ताचो फायदोय जालो. तो असो कीं सांजे न्हिदपाची जी म्हजी संवंय आसली ती ना जाली कित्याक तर त्या वेळार म्हाका बालभवनांत वचचें पडटालें.

एक दीस डॅडीन म्हाका पोरणे गोंयच्या इगर्जेंत व्हेलें. थंय हांवें जेजुची काणी आयकली. लायट शो पळयलो. ते इगर्जे भायर जो रूख आसा तो पळोवन म्हाका अजाप दिसलें. असलेच रूख जर जग भर आसले जाल्यार प्रदुशण तरी कमी जातलें आसलें. म्हाका आनीक एक गजाल आवडली ती म्हणजे थंय आशिल्ले सोलर दिवे. जाचे खातीर सुर्याच्या उजवाडाचो वापर जाता आनी विजेचो वापर उणो जाता.

ङ्गये है मुंबय मेरी जान.ङ्ख हीं उतरां तुमीं आयकल्यांत आसतलीं. हय कांय दिसां खातीर मागीर हांव मुंबय म्हजे आत्तेगेर रावपाक गेलें. थंयच्यो गाडयो पळोवन म्हजे दोळे लिकलिकले. बाबा म्हज्या! इतल्यो गाडयो हांवें पयलीं केन्नाच पळोवंक नासल्यो. वचत थंय इमारती दिश्टी पडटाल्यो. अशें दिसतालें की ह्या आर्कीटेक्टां मदीं एक रेस चल्ल्या म्हण. म्हजी धा मजली, तें कांयच न्हय म्हजी बारा मजली! अशें करीत करीत त्यो इमारती वीस मजल्यां मेरेन पावल्या. झाडां चुकून अर्दी दिश्टी पडटालीं. मुंबय हांव शिवाजी पार्कांत गेलें. थंयचीं

व्हडलीं झाडां पळोवन जीव सुखावलो. मागीर श्रीसिध्दी विनायकाच्या फामाद देवळांत गेलें. अशें करत करत स-सात दिसांनी हांव गोंयां परत आयलें. हांगा येवन गोंय आनी मुंबय मदलो फरक कळ्ळो. खरेंच गोंय आमचें सोबीत, सुंदर आनी पांचवेंचार.

६ मेक हांव कुडचड्यां गेलें, अखील भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाक. थंय खुबश्या बऱ्या आनी फामाद लेखकांक मेळ्ळें. खुबशीं बरोवपी भुरगीं आसलीं. तांकां मेळ्ळें. एक बाल साहित्य संमेलन जालें. जातूंत भुरग्यांनीं आप आपल्यो काणयो, कविता

वाचून दाखयल्यो. हांवेंनूय बी एक काणी वाचली. पयलेच फावट संमेलनाक गेल्ल्यान खूब खोस भोगली. घरांतूय जायते समारंभ आसले. मूंज, आत्तेल्या घराचो घर प्रवेश, भयणिलीं फुलां हें सगळें चालूच आसलें.

मे सोंपलो. जुनाचे चार तारकेर शाळा तें आमकां खबर आसलेंच. पुस्तकांक कवर घालप, शाळेची तयारी करप हें काम आसताच न्हय सगळ्या भुरग्यांक! नवें वर्स, नव्यो इश्टीणी, नवीं पुस्तकां, नवी सत्री, रेनकोट, चप्पल सगळेंच नवें. हाची उमेदूय आमकां आसता. तुमकांय आशिल्ली न्हय?

■■■

– आयुषी प्रकाश शेटये
यत्ता: आठवी
शारदा इंग्लीश हाय स्कूल,
माशेल

दिका

एँगेजमेंट

लग्न जावंक सोदतल्या जोडप्यांच्या जिवितांत पयलो खुशालकायेचो खीण म्हळ्यार एँगेजमेंट. न्हवरो व्हकलेक उतर दिता आनी व्हकल न्हवऱ्याक उतर दिता. ह्या उतराची खुणा म्हणून जायते जाण मोगान मुदी घालतात आनी लग्नाच्या बंदपासाक पयली गांठ मारतात. दोन कुटुंबां नवे सोयरीगतीकडेन लागीं येतात. व्हकल आनी न्हवऱ्याक ही एक भांगराची संदी एकामेकाक वळखून घेवपाक. एकामेकाविशीं जाणून घेवपाक आनी एकामेकाच्या सहवासाचो थाव घेवपाक.

थोडे म्हणटात एँगेजमेंट म्हळ्यार एक चाल जाल्या. कांय जाणांचे एँगेजमेंट जातात आनी लग्नच जायना. कांय जाण एँगेजमेंटा दिसाकच लग्नाची तारीख थारायतात आनी व्हडा गणगणान समारंभ सोपयतात. कांय जाण लग्नाच्या स म्हयन्या आदीं एँगेजमेंट थारावन आपणालें टेन्शन कमी करून वावुरतात. कांय जाणांचें एँगेजमेंट जायनासतनाच लग्न जाता. आतां एँगेजमेंट म्हळ्यार दोन गजाली. पयली गजाल समारंभणी करून जाहीरपणी लोकां मुखार येवप आनी दुसरी गजाल आपले भितरूच दोन कुटुंबानी उलवणी करून सगलें थारावप. कांय जाण मुदी घालून रस्म पूर्ण करतात. जाल्यार कांय जाण चले चलये खातीर कितेंय वस्त घालून घेतात.

जायते कडेन अशें जाणवता एँगेजमेंट म्हळ्यार खावपा पिवपाचो समारंभ. खऱ्या अर्थान तशें नासता. एँगेजमेंटा उपरांत लग्नाची तयारी सुरू जाता. त्या दिसाक लग्न बरे भशेन जावपा खातीर देवाक गाराणें घालतात. खास मागणें करतात आनी तोंड गोड करतात. एक नवें कुटूंब घडपा खातीर केल्ले सुरवातींत दोनय घराणी एकठांय जातात. आपली खुशालकाय व्यक्त करतात आनी नव्या जोडप्याक बरो फुडार आवंडेतात. त्याच दिसाक व्हकल न्हवऱ्यान कशें मुखार वचपाचें तें थारता.

आयजच्या काळार एँगेजमेंट करपा खातीर जाय त्यो स्वयं संस्था स्थापन जाल्यात. त्योच संस्था सगळें थारायतात. चलो आनी चली तांचे मार्फतूच मेळटात आनी वडिलांनीं फक्त नांवां पुरतें उबें रावपाचें आसता. आदल्या काळार एक रायाबारी म्हूण आसतालो. व्हकलेगेर आनी न्हवऱ्यागेर पासयो काडपाचें काम ताचें आसतालें. नक्षत्र जुळोवपाचें आनी गोत्र पळोवपाचें धरून लग्ना पर्यंतची जबाबदारी ताचेरूच आसताली. आज काळ बदल्ला. ह्याच रायबाऱ्याचो जागो लग्न जुळोवपाचे स्वयंसंस्थेन घेतला म्हण एँगेजमेंटाक चड म्हत्व आयलां. ह्या एँगेजमेंटा दिसा जायत्यो गजाली उक्त्यो जातात. ज्यो कांय वेळार चल्याक जांव चलयेक लेगीत खबर नासतात. कित्याक ह्या संस्थांक चलो अमूक लुगारावेलो आनी चली अमूक लुगारावेली म्हूण लागना. देश-विदेशांतल्यान जुळोवणी जाता. गोंयांत हें फॅड अजून पुर्णपणी कार्यरत ना. पूण लागिंच्या राज्यानी म्हळ्यार मुंबय-पुण्यांत-बँगलुरांत तें सर्रास चलता. इंटरनेट उक्तें केल्यार मॅचमेकराचीं पयलीं तोंडां पळोवंचीं पडटात. जांव जांचें बरें जावपाचें थारता तातूंत आमी कित्याक अडथळे हाडुया!

एँगेजमेंट ही एक बरी संकल्पना. चड करून वयावयल्या चलयांक दिसता आपलें एँगेजमेंट पयलीं जांवचें आनी उपरांत लग्न. हीय बरी गजाल. कित्याक एँगेजमेंटा वरवीं चलो आनी चलयेची वळख जाता. लग्न जावपा खातीर तीं कशीं मुखार वतलीं हाचेरय भासाभास जाता. एकामेकाचे आवडी-निवडीचेर चर्चा जाता. लग्नाचो कॅलेंडर त्या दिसाच्यान सुरू जाता ती दिसावळ मांडून हाडपाचेरय वाद-विवाद जातात. मुख्य म्हळ्यार चलो-चलये मदीं एक वेगळीच खुशालकाय निर्माण जाता. हे खुशालकायेंतच लग्न प्रक्रीया पुर्ण जाता आनी जावंक जाय. जर अशें घडना जाल्यार कितें घडटा हाची

एक झलक मांडटा.

परविना ही एक चली आमच्या प्राकारांत नोकरी करता. पिराय सुमार २२ वर्सां. तिका बापूय ना. एक भयण लग्न जाल्या, जाल्यार दुसरी ल्हान आसा. तिका पोलियो मारला. सुमार पांच वर्सां जालीं तिचो एँगेजमेंट जाला. चलो मध्यमवर्गीय आनी सादारण नोकरी करता. तो लग्न जावंक तयार आसा पूण परविना लग्नाचो विचार मुखार धुकलत आसा. तिचे म्हणणें चलो जें जोडटा तें आपलो संवसार चलोवंक पावतलें जाल्यार देवाक खबर. आपणा फाटल्यान आपले आवयक आनी पोलियो जाल्ले भयणीक कोण पळयतलो? आवय तशी कितेंय जोडटा पूण भयणी खातीर जो खर्च आनी कश्ट पडटात, ते खातीर इतले बेगीन लग्न जावपाचो विचारच मनांत हाडूंक शकना.

जर अशें आशिल्लें जाल्यार आदींच एँगेजमेंट कित्याक करून दवरिल्लो? तें मुस्लीम चली. विधायक विचारानीं उलयता तें पळयल्यार ताचो निर्णय सारखो दिसता. पूण त्या चल्याचेर हो अन्याय जायना? एके वटेन पयलींच एँगेजमेंट करून परविनाच्या पांयांक बेडयो घातिल्ल्यो. घडयें वाडिल्ली चली गांवार भोवपाक लागतकीर ताचो अब्रू वाऱ्यार पडटा. ताच्या सांगाताक घरच्यांचोय अब्रू वाऱ्यार पडटा म्हणून तशीं पावलां मारिल्लीं आसत. लग्नाविशीं तें आज खुशाल दिसना. जेन्ना ताचो एँगेजमेंट जाल्लो तेन्ना तें खुशाल आसलें. पूण दीस वतात तशे आनी ताका आपली जबाबदारी कळपाक लागली, आवयचें दुख्ख ताका सतावंक लागलें. ताणीं नोकरी करपाचो विचार आपणावंक हेंच एक कारण आसा.

तें मानता आपल्या नशिबांत लग्न उरूंक ना. लग्न जाल्यार घराकडेन कसलोच आदार करूंक पावचें ना. तेन्ना लग्नाचो विचार त्यागून आपले आवयक आनी भयणीक सांबाळपाचो विचार ताणे आपणायला. आमचे नदरेन ही वाकडी गजाल. पूण समाजाकडेन पळयतना तिणें सगळ्यांक सांबाळून मुखार कशें वचपाचें हाचेर भर दिल्लो आसा. एँगेजमेंटाक लागून लग्न जावपाचेंच थारलें जाल्यार आपल्याकडेन लग्न जावपी चल्यान थोड्या प्रमाणांत तरी आपले आवयक आदार मागपाचें थारायलां. ना जाल्यार आपणाक नोकरी करपाक स्वातंत्र्य दिवंचें म्हण मागणी करपाक थारायलां.

एँगेजमेंटाच्यो सगळ्यो गजाली मनांत दवरून जर परविनाची गजाल मुखार दवरली जाल्यार लग्नाचो आनंद, लग्नाचे सोपस्कार, लग्नाची तयारी, लग्नाचो सुवाळो, लग्नाच्या दिसां मदली ती धांवपळ आनी एक परक्या चल्या बाबतींतलें आकर्शण आनी ओड शाबूत उरतली? आज ताच्या तोंडाक पळयल्यार तें लाचार दिसता. गरीब मनीसूय हासून खेळून एँगेज जावन लग्न जाता पूण एँगेज जावन कसल्याय कारणाक लागून आसूं, जर लग्न जाय नासतना उरत जाल्यार ती शोकांतीकाच म्हणची पडटली. त्या चल्याकडेन लग्न जावपाक बांदून रावूं दीस काडप म्हळ्यार एक बंदीस्त जीवीत जावन आसा. त्या चल्याकय घडयें अशेंच जात आसतलें. लग्न ना जावपाचीं चलयेचीं कारणां चल्याक बेडयो थारतात. तोय बांदून उरता. ही योग्य गजाल?

देखून आवय-बापायनी आपल्या भुरग्यांचो एँगेजमेंट करतासतना गंभीरतायेन विचार करचो. दुसरो करता म्हणून आपणें करचें न्ही. चड करून मध्यम वर्गीय आनी गरीबांनीं तर असले चालीकडेन वचचेंच न्ही. कित्याक तो एक विनाकारण खर्चाचो भाग. एँगेजमेंटाच्या नांवान उलोवणी करची. पूण समारंभ करचो न्ही. ही उलवणी वेवस्थीतपणी सगळ्यो गजाली लक्षांत घेवन करचीं. उलोवणी जाल्या परांत लग्नाक कळाव करचो न्ही. आजच्यो चले-चलयो गरीब जांव मध्यमवर्गीय संवसारांतल्या सगल्या सुखांक आशेता. तेन्ना तांकां खरें सूख आनी खुशालकाय दिवपाक आवय-बापायन एँगेजमेंटाचेर खोलायेन आनी गंभीरतायेन विचार करचो.

■■■

-विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा'
आर्लेम राय
मो : ९८२२५८७४९८

मनसंवेदना

आडरान

रान पेटलें पेटलें
वोल्या पावसांत
तांबडे मातयेंत
धल्लो शेतां शेतांनीं
पांचवो ताल
निळ्या निळ्या
मळबाचें
सुटलें भान
चोयवटेन हुंवारत
पेवत आयली
नखेत्रांची चांदरात
उदकेल्ल्या पावलांनीं
पावस पोवळ्यांनीं
न्हंयचो झळक झळक
चांद नाच
ह्या आडवेळा आडखिणा
कोणा राधेचो
कृष्ण सांडलो
आडरानांत आडगांवांत
आडमनांत

- राजश्री सैल
मडगांव, गोंय

अकस्मात एक दीस आयलो

अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदोल-बोदोल करून गेलो.
सकाळीं घडबडान उठचें ....
खरशेत-धांपेत ऑफिसाक वेचें
सांजे धांवत परतून घरा येवचें
रांदचें, जेंवचें, निदचें....
परत सकाळीं आनी परत सांजे
तेंच-तेंच करचें, करीत रावचें
तीच-तीच धडपडपी सकाळ
तीच-तीच धडपडपी सांज....
आनी अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदोल-बोदोल करून गेलो....
धांवपळीचें जिवीत म्हजें
तशें भोवच रंगीन आसलें
उजवाडलेल्या दर-एक नव्या दिसा
नवें-नवें कार्य करचें ....
संवसारांत म्हज्या आसण्याचो
कोणाक तरी फायदो जांवचो
म्हण येवजण्यार येवजण्यो येवजूंच्यो
जिविताक म्हज्या अर्थ दिंवचो ....
आनी अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदोल-बोदोल करून गेलो....
धांवपळीचें जिवीत म्हजें
खिणा भितर थप्प जालें
कितें करचें, खंय वेचें
खंय धांवचें, कोणाक सांगचें
कितें चिंतचें, कितें येंवजूचें
कोणाक शिणचें, काय नशिबाक रडचें
कांयच एक समजना जालें
कीर्ण आशेचें ना-नपयत जालें
जेन्ना अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदोल-बोदोल करून गेलो ....
धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
हॉस्पीटलाचें दर्शन जालें
काळजांत म्हज्या कच्च जालें
मनांत भिरांतीचें कूप दाटलें
मन म्हजें साप्प कांचवेलें
इश्ट-इश्टींणीं, सोयरीं-दायरीं सोदूंक लागलें
पिशांतूर दोळे हेवटेन-तेवटेन सोदीत रावले..
पूण कोणूच दिसलीं ना, आयलींच ना
जेन्ना अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदोल-बोदोल करून गेलो ....
केल्ली आशा, वांट्याक आयली निराशा
तरूय रावलीं स्थीर, कसोच धीर सोडलो ना
आशेचें झगझगीत एक कीर्ण दिसलें ....
मन म्हजें सुखान सुखावलें
काळीज म्हजें धादोसकायेन भरलें
जेन्ना तीं म्हजो धीर-आदार जालीं
जांचे कडल्यान म्हाकां अपेक्षाच नासली
जांचें कडल्यान म्हाकां आशाच नासली....
आनी अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
नवो आदोल-बोदोल करून गेलो
उजवाडाचो फलेर जावन गेलो
भरवंश्याचो स्तंभ जावन गेलो
जिविताक म्हज्या नवो अर्थ दिवन गेलो
जिविता पेल्यांत म्हज्या
गोड अमृत वोतोवन गेलो ....

- फिलोमीना साँफ्राँसिस्को
मुंबय

कांदो

कांद्यान म्हाका रडयलें
तशीं म्हजीं दुकां
धर्तरेर पडून
धरती जाली ओली
दनपार जाता म्हणसर
कांद्यान म्हाका हांसयलें
घरच्या मनशानी म्हळें
रूच्चिक जालां रांदप तुजें
सुंगटा हुमण कांदो घालून
मेथये भाजी कांदो घालून
खुब्याचीं मासां काढून
डांगर केले कांदो घालून
कितें तर व्हडविकाय त्या कांद्याची
पापणेचो कांदो म्हळा ताका
कोणी बरो ना जाल्यार
नाकाकडे व्हेलो कांदो
मारली ताचेर साखर
काडलें मेल
भुरग्यांक मांडयेर घालून
घालें तांच्या ताळ्यांत
दुसरे दिसा पळयशी जाल्यार
थंडी कफ जाली कुरार
असो भाग्याचो कांदो तो
माये मोगाळ संकटाक पावपी
दोतोर घरा पावचे पयलीं
कांद्यान जीव काडलो मनशाचो
कितें थाट त्या कांद्याचो
पुरूमेताक कांदो
पयलीं मोवळ्यो बांधून
लांबयताले दांड्यार
गिरेस्त जांव गरीब
घराघरानी कांदो
तांचो दुबावूच ना!
कांदो म्हळा ताका वखदी!
राजकारणांत वावुरपी तो कांदो
चौदा ते चाळीस रूपया मेरेन
खाल्लो कांदो त्या तेंपार!
पूण कांदो घरांत फाल्त केलो ना
ताका कमीपणान पळयलो ना

– सौ. दिपा दि. खोलकार
दिकरपाली, मडगांव
फोन : २७६६००३



पावस

भिरी भिरी पावस येता
शिरी शिरी आंग जता
स्पर्श तुजो आंगाक म्हज्या
मन हलकें फुलकें जाता
भिजपाची मस्ती
पांचवेल्या धर्तरी
पिशी पिशी मनस्थिती

***

न्याय

वाऱ्यावयल्या सुकण्या
कितलें तूं उडशी
वयर वयर मळबांत
पूण एक म्हजें
आयक तूं सांगणें
निमाणें सगळ्यांक हांगा
धर्तरीचीच खाट

– मयूर कंटक
सोबीत सपन,
हरवळें, साखळी

असां कसां करतय तुया...

क्षणू

हो क्षणू
चैतन्य अणू
काळ व्हांवता
वेळ धांवता
कणाकणान
क्षणाक्षणान
एक कणू
हो क्षणू
भौ मोलाचो
गेलेलो क्षणू
परत केदनाय मेळना
आयुश्याचें गणीत
एक क्षण चड ना
एक क्षण कमी ना
तळहातावैलो क्षण
हें तुगेलेंचि धन
कोणाक व्होरूक जायना
कोणाक चोरूक जायना
तुगेलेचि हातांत आसा
तुगेलें भूतभविश्य
हो क्षणू
अमृतकणू
होचि सोनसुवाळो
होचि शुभमुहुर्तू
चैतन्य अणू
हो क्षणू

– इंदू अशोक गेरसप्पे
बेंगलोर

आगो रांणग्या तुया गो तरणा
मीया गो तरणो
पावस असो कसो गो पिसो
माज्यापासून तुका दुर व्हरता गो कसो

कसो?
गडगड्यासारक्या
धडधडतय तुया... तुया गो काळजान
आनी जोगुलासारक्या
तुया येतय गो गोपान
असो गो कसो करतय तुया
जीव माजो गो पिसो

खरांच?
शप्पत
तुका ना मेळोव माका मेळोव
दुकांची रास गो तुजी
पावसाची वाट बघतल्या कुणम्या सारकी
जाता रात-दीस भास गो तुजो
असां गो कसां करतय तुया
जीव माजो गो पिसो

हय रे सभाग्या
तुया तरणो मिया तरणा
आयज पावस पडता ह्यो नीजाचो
नवी-नवेली सत्री माजी भिजोवन
दाखय मर्द तूच हिकमतीचो
मिया तुजां रे तूच माजो पिसो
असां कसां करतय तुया
जीव रे माजो पिसो

– प्रीतेश मंगेश परसाई
देऊळ वाडो, हरमल-पेडणें

कावळो कांकेता

घराच्या पाडसार कांकेता एक कावळो
म्हणटा एक सोयरो आयज येता येता

भुरगेंपण सरलें आतां वर्सां जालीं अठरा
हुसक्या मेकळें खेळ्ळें मायेच्या गो कुळारा
मोगरेचे कळे पळे दोळ्यांनीच उलयता
म्हण्टा एक सोयरो आज येता येता

पोरसांतले आबोले तुजे पोले जाले तांबडे
मोगाच्या शेंवतुल्या तुजे केंस कशे कोंगरे
आंगणांतल्या माडाचेर गायता एक कोगीळ
म्हण्टा एक सोयरो आयज येता येता

उडचें दिसता वयर वयर मळबांतल्या कुपांनीं
लिपचें दिसता रंगयाळ्या सुगंधीत फुलांनीं
पिंपळाचीं पानां पळे मोन्यानींच उलयता
म्हण्टा एक सोयरो आयज येता येता

– सुनील पालकार
नावशीं

शेतकारांची बरकत हीच आमची मोख

आमी दितात

* वाढीव सेवा आनी तांत्रीक मार्गदर्शन.
* उदका पुरवण स्त्रोतांचे निर्मणेखातीर आदार आनी ठिंबक शिपणावळीक अनुदान.
* भात, भिकणां आनी कडधान्यां हांचेर एकवटीत प्रात्यक्षिक.
* भिकणां आनी कडधान्यां हांच्या दर्जेदार बियाणाचेर अनुदान.
* दर्जेदार आनी चड उत्पन्न दिवपी भाज्यांचीं बियाणां.
* शेतकारांच्या शेतार वचून कीड नियंत्रण वेवस्थापनाचें प्रशिक्षण. त्याभायर विंगड विंगड किटकांखातीर विशिश्ट हांयस दाखोवन तांक पांजऱ्यांत धरपाचें प्रात्यक्षिक.
* बायोगॅस प्लान्ट उबारचे पासत रू. ६७०० ते ७५०० मेरेन, अपारंपारिक उर्जा स्त्रोतांच्या वापराक प्रोत्साहन म्हूण आर्थिक मजत.
* ३ वर्सा मेरेन काजू बागायती पासत गार्फ, सारें आदींचो आसपाव आशिल्ल्या पॅकेजीची पुरवण.
* वाठार विस्तार अंतर्गत तेलताड लागवडी पासत ४ वर्सां खातीर दर हेक्टर रू. २३,००० आर्थिक अनुदान.
* तेलताड प्रात्यक्षिकां खाल ४ वर्सांखातीर दर हेक्टर ४०,९५०/- रुपया आर्थिक पालव.
* नाल्ल, आंबो, चिकू, मसालो आनी शोभेचीं झाडां हांच्या लागवडी खातीर दर्जेदार सामान पुरवण.
* तेलबियां, कडधान्यां आनी उस लागवडी पासत शेतकी यंत्रांचेर कस्टम सेवा.
* शेतकी यंत्रां आनी अवजारां खरेदी करूंक अनुदान.
* शेतकारांक प्रशिक्षण दिवपाची सुविधाय.
* एला आनी मडगांव हांगा सरकारी माती तपासणी प्रयोगशाळेंत माती तपासपाची सुविधाय.

शेतकारांक सल्लो

रस्त्यावेल्या विक्रेत्यांकडल्यान शेतकी साधन सामुग्री खरेदी करची न्हय. सरकारी फार्मांतल्यान वो अधिकृत रोपवाटिकेंतल्यानूच घेवंचीं. पोतयांतल्यान वो मेकळें विकपी साऱ्या पासून शादूर रावात. तातूंत धोकेदायक रसायन आसूं येता. गरजेचें सारें अधिकृत विक्रेत्याकडल्यानूच खरेदी करचें.

अधिक म्हायती खातीर संपर्क करात
तालुका पातळीर विभागीय शेतकी अधिकारी
वो
शेतकी संचालनालय
कृषी भवन
तोंक-करंजाळे-गोंय
फोन - २४६५४४३
फॅक्स - २४६५४४१
ई-मेल : dir_agri.goa@nic.in

पुस्तक जात्रा

सुगंधीलें दुःख हो भक्ता आर्. कांगाड हांचो काणयां झेलो. श्री. भक्ता हे मलयाळम भाशेंतल्यान काणयो बरोवपी चड करून बालसाहित्यांत ताणीं नामनां जोडल्या. आपले आवयभाशेंतल्यान पुस्तक येवंचें म्हण ताणें हें काणयांचें पुस्तक बरोवन उजवाडाक हाडलां.

ह्या काणयां झेल्यांत श्री भक्ताल्यो धा काणयो आसात. एके काणयेंत जिविताचें एक एक चित्र ते वाचप्यां मुखार दवरतात. काणी सांगपांत तांगेलें कौशल्य तांगेल्या सगळ्या काणयांत प्रकट जाता. वाचप्यांलीं मनां ओडून घेता आनी मुखार वचून भोव आकर्शक बिंदूचेर कथा सोंपता.

ह्या पुस्तकांत आयिल्ल्यो काणयो खंयच्या ना खंयच्या नेमाळ्यांत कन्नड वा मलयाळम लिपयेंत उजवाडाक आयल्यात. नागरी लिपयेंतूय आयिल्ल्या ह्या काणयांच्या पुस्तकाक खूप येवकार मेळ्ळा.

प्रकाशक बस्ती प्रकाशन, तुम्बे, बंटवाल. मोल-१०० रु. पानां - ७०



गुंजियो अक्षरवृक्षाच्यो हें सुर्या अशोक हे कोचीचे कवियत्रीचें कवितेचें पुस्तक. मेरूसदृश अक्षरवृक्षांतल्यान पडिल्यो गुंज्यो एकठांय करून कवयित्रीन ह्या कविता संग्रहांत पुंजायल्यात. हो अक्षरवृक्ष गगनचुम्बी आसून, सवण्याच्या मधूर गुंजनान, गुंजानी समृध्द आशिल्लो रूख. ह्या रूखाची कल्पना हे कवियत्रील्या कल्पना शक्तिक एक उत्तम निदर्शन अशें ह्या संग्रहाक प्रस्तावना बरयल्ले प्रो. एस. एन. प्रभू अशे सांगतात. ह्या कविता झेल्यांत सैम शिल्पां, चित्र विचित्र, भक्ती सुक्ती, सपनांत उपजलीं कवनां, उम्मास पुनव, चितनांचीं ल्हारां अश्या वेग वेगळ्या विभागांत हीं ल्हान ल्हान कवनां सुर्या अशोक हाणें विभागून घाल्यात. १३२ पानांच्या ह्या पुस्तकाचें मोल १००रु. आनी हें पुस्तक कोचीच्या शणै प्रकाशनान उजवाडाक हाडलां. कांयच शब्दाडंबर नासतना बरयल्ल्यो ह्यो ल्हान ल्हान कविता म्हळ्यार कवयित्रीली पारदर्शक प्रामाणीकता अशें म्हणू येता.

सुरकुन्द अण्णाजीराव हांगेलें पोरने कोंकणी साहित्य कृत्यो ह्या माळेंतलें घरांतुली गोडी हें पुस्तक बस्ती प्रकाशन, तुम्बे, बंटवाल हे संस्थेन उजवाडाक हाडलां. श्री. सुरकुन्द अण्णाजीराव आदले शेतमानांतले एक नामनेचे कोंकणी कवी, नाटककार. तांगेल्यो साहित्य कृत्यो कोंकणी, कन्नड आनी हिन्दींतूय उजवाडाक आयल्यात. तांच्या कोंकणी साहित्यांतली गोडी, सुवाद आमकां ह्या पुस्तकांत दिश्टी पडटा.

ह्या पुस्तकांत कोंकणी घरगुती पदांची आनी भुरग्यांक खेळोंवचीं पदां आसपावतात. ह्या पुस्तकांत गीता सार अंतर्गत अठरा कडव्यांचे भुरग्यांक सांबाळपाचीं वो न्हिदोवचीं पदां बरयल्ली आसात. ह्या पदांतल्यान भगवद्गीतेचें तत्वूय पळोवंक मेळटा. ६० पानांच्या ह्या पुस्तकाचें मोल २५ रु. जावन आसा.

Italian Seating

hospitality cafeteria institution office

Under licence from **OMP** Srl, Italy

Modular Office

panels workstations desking storage conference

European design + quality engineering

German School Furniture

pre-school classroom hostel university auditorium library



Under licence from **VS** Furniture, Germany

PRINTER'S DEVIL

INFINITI

Infiniti Modules P. Ltd. 51A, Pilerne Estate, Bardez, Goa 403 511.
Tel: (0832) 2407066/7. Email: info@impl.biz

Franchisee **interio**
Pissurlekar Towers, St. Inez, Panjim, Goa 403001.
Tel: 5641659. Email: interiogoa@impl.biz

विचारां-धार

भुरग्यांक मारूं नाकात

भुरगीं उदकांत नाचतात, मातयेंत लोयटात, मोट्यान बोवाळ करतात, नाचून नाचून घर माथ्यार घेतात-आमकां दिसता भुरगीं आडांगपणां करतात आनी आमी तांकां मारतात!

आमकां भुरग्यांचो मोग नासता अशें न्हय. आमकां तांची अपुरबाय दिसना अशेंय न्हय. भुरग्यांची आमकां माया आसता, तांची अपुरबाय दिसता, तीं शाणीं जांवचीं, बरीं जांवचीं, आरोग्यान घटमूट जांवचीं म्हूण आमीं दिसरात कश्टूच काडटां.

तरी आसतना तांकां मारपाक आमचो हात उखलता! कारण कितें? भुरग्यांलें म्हण एक स्वतंत्र व्यक्तिमत्व असाता हें आमी नकळं आसतात. आनी भुरगीं जें कितें करतात ताचो अर्थ आमकां खबर नासता हेंच सगळ्यांत व्हडलें कारण.

आमी लक्षांत दवरूंक जाय कीं जण एकलें भुरगें आपणालें अशें एक अवतार कार्य घेवन जल्मांक आयलां आमचो आधार घेवन तें जियेता जालें तरूय ताका निराधार लेधूंक जायना. स्वताचो विकास घडोवन हाडपा खातीर आपूण जावन वावुरपी एक चैतन्य तें. विकास घडोवन हाडपाक जाय आशिल्लें चित्त आनी इंद्रियां जल्माक येतनाच तें आपणा वांगडा घेवन येता. आवय-बापूय, घर, समाज, भोवतणचो संवसार हे सगळे ताच्या विकासाक हातभार लावपी घटक. विकास तें खासा आपुणच करता.

हें इतलेंच जर आमच्या लक्षांत सारकें आयलें जाल्यार भुरग्यांकडेन पळोवपाची आमची नदर बदलतली.

तेन्ना मागीर तांगेलीं आडांगपणां हीं आमकां आडांगपणांशीं दिसचीं नांत. तांगेले खेळ निरर्थक-शे दिसचे नात, उरफाटें तांगेल्या मनाचीं जायतीं नवीं ओड लायणीं अजापान भरिल्लीं मळां आमच्या दोळ्यां मुखार उक्तीं जातलीं आनी आमी तांगेले दर एकले करणे कडेन तोखणायेन पळोवंक लागतलीं.

भुरग्यांच्यो स्वाभावीक प्रवृत्ती, तांच्या मनाचे स्वाभावीक वेग, तांच्यो जिज्ञासा त्यो भागोवपा खातीर तीं करतात तीं कामां-आनी आमच्या जाण्टेल्यांच्यो देखी, आवडी-निवडी, आदर्श (एका उतरान सांगचें जाल्यार भुरग्यांविशींचें आमचें अज्ञान) हांच्या संघर्शांतल्यान भुरग्यांचीं आडांगपणां, तांगेलीं कोल्लां, तांगेले हट्ट जल्मांक येता. आमी तांकां आमकां जाय तशीं घडोवपाक पळयतात. आनी तीं आपणांक जाय तशीं घडत रावतात. भुरग्यांक जाय तशीं घडोवपाक तीं कितें चिकणमातयेंचीं न्हय. जिवीं तट्टटीत स्वतंत्र व्यक्तिमत्वां तीं.

खलील जिब्रानान एके कडेन म्हळां-भुरगीं रावतात फाल्यांच्या घरांत जंय आमी सपनांत लेगीत पावपाचीं नात. आमी तांकां माया दिंवची, मोग दिंवचो, आमचे विचार मात दिवंक फावना. आनी म्हत्वाचें म्हळ्यार तांचीं सारकीं जावपाचो यत्न आमी करचो; आमचे सारकीं तांकां करूंक फावो ना.

कोणें सांगचें, आमच्या भुरग्यांत एकाद्रो विवेकानंद आसूं येता, रवीन्द्रनाथ वा आइनस्टायन आसूं येता. एकाद्रो गांधी वा जवाहरलालय आसूं येता. संवसारांत जे व्हड मनीस जावन गेले-आनी आसात- ते आमचे सारकेल्याच किरकोळ आवय-बापायगेर जल्माक आयिल्ले. तांकां तांगेल्या रूपान मुखार येवपाक आमी आडखळी हाडप न्हय. हातभार लावंक जाय.

भुरग्यांक मारतकच तीं निवयटलीं असो कोणाकय समज आसा जायत जाल्यार हांव तांकां सांगूंक सोदतां - एके खेपे न्हय शंबर खेपे मारात, भुरगें निवळपाचें ना. तें आपणालेच वाटेन वतलें. भुरगें जर निवळना जाल्यार आवय-बापायनूच निवळचें पडटलें. तुमकां तुमचे करणेचो पश्चाताप करचो पडटलो. इतलेंच न्हय तर ज्या देवान तुमकां हीं भुरगीं दिल्यांत ताका जाप दिवची पडटली. जाप दिवपाचें काळीज तुमच्यांत आसा जायत जाल्यारूच तुमचो हात मारपाक उबारात.

■■■

– गोदूबाय केळेकार
पिरवळ, गोंय

सुवादीक

गोंयांत पावसाक आरंभ जाला. दडकांनीं पावस पडूंक लागल
गोंयांत पंदरा जुलय मेरेन आतां नुस्तेंमारीक बंदी आसा. म्हणजे यांत्रीव
बोटी घेवन दर्यांत नुस्तें मारप ना. कित्याक हो काळ नुस्त्याचो गाबोळ्य
सोडपाचो. भारतीय संस्कृतायेंत श्रावण म्हयन्यांत नुस्तें खायनांत. शाकाहार
रावतात. हाचो अर्थ नुस्त्याक तातयां घालूंक संद दिवप आनी पावसांत तया
जाल्ले भाजयेचो अन्नांत भरपूर वापर करप.

पूण आतां डब्यांनीं बंद केल्लें, फ्रिजांतलें नुस्तें मेळटा. पूण
जाण्टेल्यांनीं घालून दिल्ले नेम जर पाळ्ळें जाल्यार शाकाहाराचो लाभ
पावसाळ्यांत तरी आमकां जावंक पावतलो. तरी थोडो तरी नुस्त्याचो वास
नासलो जाल्यार जेवण पोटांत घालपी गोंयकार तो कसलो? ह्या काळा
आलायतीं मेळटात तीं सांगटां आनी थिगूर. हे फावट आमी तांची रूच घेवया.



सांगटांचें सुकें

पावसांत सांगटां आनी थिगूर मोट्या प्रमाणांत मेळटा. पयलीं हें नुस्तें थारावीक लोक खाताले. गिरेस्त आनी वयल्या वर्गांतले खाय नाशिल्ले. पूण आतां दर एकलो हें नुस्तें रूचीन खाता. आतां आमी पळोवया सांगटांचें सुकें कशें करप.

साहित्य: ८ मध्यम सांगटां, १ वाटी नाल्लाची सोय, २ व्हडलीं कुलेरां मिरसांगे पिठो, ८ भिण्णां सोलां, १ व्हडलें कुलेर हळदी पिठो, १ मध्यम कांदो, आंबटाण आनी मीठ.

कृती : सांगटां धुवन, साफ करून तांचे कुडके करचे मीठ लावन पंदरा मिनटांनी धुंवचीं, कांदो बारीक चिरचो. सोय, मिरसांगे पिठो, हळद, आंबटाण बी बारीक वाटचें. चिरिल्लो कांदो, सोलां, मीठ, तोपांत घालून तातूंत सांगटाचे कुडके घालचे. एक वाटी उदक घालून मंद उज्याचेर शिजोवचें. अशेच तरेन थिगरौंचेंय सुकें करूं येता.

तातयांचो बालशांव

साहित्य : ६ तातयां, ४ मध्यम कांदे, १० लसणी बोयो, ६ सुक्यो मिरसांगो, १० काळीं मिरयां, ६ लवंगां, अर्द कुलेर जिरें, अर्द कुलेर हळदी पिठो, आलें, तिखी, कोथमिरे पालो, मीठ, १ वाटी तूप, १ वाटी टॉमॅटो सॉस, १ कुलेर कोथमीर, ४ मध्यम टमाटां.

कृती : कायलींत अर्दवाटी तूप गरम करचें ६ तातयां मात्शीं तुपान तळचीं. चड घट्ट तळचीं न्हय. मोवसार आसचीं. सगळ्या तातयां किसमूर करची. कायलींतलीं तातयां काडून कुशीक दवरचीं आनी उरिल्लें अर्दवाटी तूप कायलींत घालचें आनी कांदो परतुंवचो. सगळो मसालो बारीक वाटून परतिल्ल्या कांद्यांत घमघम येसर परतुंवचो. टमाटां बारीक चिरून परतिल्ल्या मसाल्यांत घालचीं. दोन मिनटां परतुंवचीं. १ वाटी उदक घालचें. मोव जातकच तातूंत तळिल्लीं तातयां घालचीं. दोन मिनटां शिजोवचें मागीर जाय जाल्या मॅगी क्यूब आनी मीठ घालचें. शेवटाक टोमाटां सॉस घालून दोन मिनटां शिजोंवचें. कोथमिरे पालो चिरून वयल्यान शिपडावंचो.

सुवादीक कॉलम तुमचे भेटेक हाडटा :

Live Music
Monday
Wednesday
Friday
Saturday

Sea Pebble
BAR & RESTAURANT

Sea Pebble, Near Dona Paula Jetty, Dona-Paula, Tel.: 9850478960, 9890353684.

DISCOVERY-VYNOTEE

पडवेर

हिमटो

हिमटो हें उतर आयकल्या बराबर मनांत आदराची भावना उप्रासता. हिमालय ह्या उतरांत जें आगळें-वेगळेंपण आसा तेच तरेचें हिमटो ह्या उतरांत. हिमटो हिमालया सारकोच खंबीर आनी सभावान थंड. हिम म्हणल्यार हिंव. थंड. शिंयां सारको. हिमटो थंडपणान धनसंचय करता. ताचो सभाव शांत, धीर गंभीर. हिमटो कितलोय धनवान आसूं, उधळ्या सारको फुरफुरो न्हय. विद्वाट्या सारको वगडावपी न्हय. जें कितें मेळयलां तें भक्ती भावान सांबाळपी. काळजांत जशी भक्ती आनी ती उक्ति करून दाखोवची गरज नासता तेच परीं आपणें कितें धन संचय केलां ताचें तो मात्तूय प्रदर्शन करिना. भरलेली दोड जशी आवाज करिना तशी ताची जोडलेली जोड आवाज करिना.

हिमटे स्थितप्रज्ञ आसतात. तांकां एकांत मानवता. चार चौगांत ते धनाचें प्रदर्शन करिनांत. एकांतांत धनाचो जप करतात. एकचित्तान द्रव्य स्मरण करतात. द्रव्या कडेन तांचो पराकोटीचो भक्तिभाव आसता. कोटी आसूं, लक्ष आसूं, हजार आसूं ना तर शंबर आसूं. ना तर दमडी पासून आसूं. सगळ्यां कडेन ते भक्तिभावान पळयतात, समदृश्टीन पळयतात. पिंडीं तें ब्रह्मांडी ह्या न्यायान जें दमडेंत आसा तेंच कोटींत आसा असो भावार्थ दवरून ते द्रव्य पुजा करतात. द्रव्या पुंजायतात आनी सांबाळटात. हालीं कोणूय कित्याचेरूय हात दवरून गुप्ततेचो सपूत घेता.पूण हिमटे दमडेचेर हात दवरून जो गुप्ततेचो सपूत घेतात तो खरो आसता. बुडकुल्यांत कितें आसा तें निमाणे मेरेन कोणाक समजुपाचें ना.

फोल्गी जांव, उधळे आसतात ते ओगीच पयसो उधळटात. संवसाराचो गोंदळ करतात. घराब्यांत उधळपट्टी करपी पूत जल्मांक आयले जाल्यार आवय-बापायक नाका पुरो करतात. नाका थंय पयसो उधळटात.

ह्या दिवट्यां सारके हिमटे न्हय. हिमटे पूत जल्मांक येवप हें खरेंच सूख. ते धन मनापासून सांबाळटात. तांच्या हातांत पयसो दिल्यार आवय बापायक कसलोच हुस्को ना. लॉकरची तर कसलीच गरज ना. हिमट्यांचे 'कर' हे लॉकर परस सेफ आसतात. घराब्यांत हिमटे आसप हें भाग्य. तातूंत हिमटपणाचो गूण आनुवांशीक आसत, आवय-बापूय आनी पूत हिमटे आसत जाल्यार तो घराबो त्रिवार धन्य जाता. धनाचो त्रिवेणी संगम जाता आनी घरची गंगाजळी भरत रावता. आवय-बापूय मागीर 'पूत्र जांवचो असो हिमटो। जाचो तिनी लोकीं बावटो.' अशी आपल्या पूत्र रत्नाची तुस्त करता.

हिमटे जें जें कितें जोडटात तें पुण्य जोडलेले भाशेन जोडटात. विड्यार दवरलेले दक्षणे प्रमाण एक एक दमडी ते पवीत्र मानतात आनी ती सांबाळूंक ते दक्ष आसता. कितल्योय पुण्यराशी जोडल्यो तरीय तातूंत भर घालची ते खटपट करतात. ह्या जल्माची गांठ पुनर्जल्मांत पसून उपकरतली असो हावेस धरून ते हौशेन पयसो करतात. गोड तुजें रूप, गोड तुजें ध्यान अशें ते पयशांचे ध्यान करतात. पुण्य कितलेंय जोडूं हे पुण्यांत्मे आपणें पुण्य कितलें जोडलां तें केन्नाच कोणाक सांगिनांत. खरी भक्ती सांगपांत नासता, करपांत आसता.

हिमटो लक्ष्मीचो उपासक. ही देवी धन दिता पूण एके सुवातेर रावची तिका संवय ना. पूण हिमट्यागेर मात तिका ना सुटकेक रावची पडटा. हिमट्याचे दोन दोळे द्वारपाळाचें काम करतात. हेर द्वारपाळ कोणाक भितर सरूंक दिनात. तर हे द्वारपाळ कोणाक भायर सरूंक दिनात. हिमट्याचो आग्रोय इतलो खर कीं लक्ष्मीकूय आसूं तें भोंवप अशें दिसूंक लागता.

हिमटे सादेपणान रावतात. ताचे वेल्यान तांचो बुडकुलो कितलो भरला तें कळना. सवायशेर आसले तरी ते पादीशेर कशे दाखयतात. सवाय खंय आसा तें तांकां रोखडेंच कळटा. मेजून मापून ते वेव्हार करतात आनी कापून काटकसर करतात. धांपून पयशांचो सांबाळ करतात. दुडबांची उब ही तांची मायेची उब. मनशांक उबगत पूण ते पयशांक उबगनांत. पयशांत जें सूख आसता तें आनीक कित्यांत नासता हें हिमटेपणाची साधना केल्ल्यांकूच कळटा. हे साधनेक लागून तांच्या रूपाक रूप्याचो चकचक आनी भांगराची देग आसता.

हिमट्यांक पळयतकूच तपस्व्यांक पळयल्ले भशेन दिसता. तांच्या हातचो तीर्थ-प्रसाद घेंवचो सो दिसता. पूण चिपटभर तीर्थ आनी चिमटीभर प्रसाद दिवंक पसून ते हिमटेपणा करतात.

हें हिमटेपणाचें स्तवन भक्तिभावान केल्लें आसा. ह्या स्तवनान हिमटेपणाचे थोडेभोव तरी गूण आंगांत येवचे अी अपेक्षा आसा. 'विद्वाट्यांचें विद्वाटेंपण सरूं। तांकां हिमटेपणाची गोडी लागूं। जोडिल्ली जोड पेटयेंत पडूं स्तवनान ह्या।।' अशें पोसोभर दान ते धनसंचयनी देवी लक्ष्मी कडेन मागतां.

■■■

– रामकृष्ण जुवारकार
व्हडलें गोंय

दायज

सालयची इगर्ज

संवसाराचो सोडवणदार

१५६५

फ्रेय एफ. एक्स. दा कोस्ता बरयता : इगर्ज आनी विगाराचो निवास १५६५ वर्सा स्थापलेलो. ह्या घराची स्थापणी सुरक्षीतपणी जाली १५७४ वर्सा कित्याक हे इगर्जेक (आनी आनीक तीन इगर्जांक) त्या वर्सा वर्सावळीची देणगी मेळूंक लागलेली.

सीरूला जावंक आसलो व्हडल्यांतलो व्हड गांव बारदेसांत. ह्या विशाळ गांवांत फ्रांसिस्कानानीं पुर्तुगेज नांवां दिवन तीन इगर्जो मागीर स्थापल्यो. साल्वादोर द मुंद (सालय); पेन्ह द फ्रांस (बिठ्ठोणा) आनी सुकूर (देशी नांव मेळूंक ना.) पयले इगर्जेची खबर करून, फ्रेय पावलो द त्रिनिदाद, बरयता :

''गोवेचे नदिचे एका फांट्यार, म्हापशेचे दिशेन व्हांवतल्या आनी विर्लासा सावन चड पयस न्हय, आमची एक 'साल्वादोर द मुंद' इगर्ज आसा आनी ती उरता शिरूला गांवांत; हो गांव मह्यार बारदेसांत व्हडल्यांतलो व्हड आनी विशाळ आनी तातूंत आनीक जायते गांव आसात. लोक बार्देसाक धरतात एक कूड (मनशाची) कशी आसून णव मुख्य सुवातो, आनी तांकां एक-एकल्याक गांवपण आसा; तिचें माथें (मस्तक वो तकली) म्हळ्यार शिरूला आनी त्या उतराचो अर्थ जावन आसा **माथें** वो तकली. पाद्रींक रावपाचीं घरां एकदम बरीं आसून भितुरलो भाग आनी थोड्याच मठवाश्यांक रावूंक कितलेशेच सुपुरले कूड कित्याक आदीं त्या घरांत देशी भास (कोंकणी) शिकयताले. पूण आतां शिकयनात कित्याक हें कोंकणी इस्कोल सांत. बोवावेंचुराचे कॉलेजींत चलता. ही कॉलेज गोवा शारा आसली...''

पावलू दा त्रिनदाद त्या फुडें सांगता : १६३० वर्सा हांव हांगा आसलों. हावें कुमसारां आयकल्यांत. अशें तर कुमसारां तरी आयकूंक जातात तितली कोंकणी तो जाणा आसलो. त्याच वर्सा फ्रेय थोमे तोस्कानो सालयचो रेयतोर वो विगार आसलो.

१७२० वर्सा हे फिर्गोजेंत २७०७ कातोल्कां आसलीं. हो आंकडो फ्रेय मानोयेल दे आंद्रे दिता (२३-११-१७२०).

ही इगर्ज बांदलेली तेन्ना फ्रेय फ्रांसिस्को दो साल्वादोर जावन आसलो तीन वर्सांक राखणदार आनी वडील; देखून ही इगर्ज साल्वादोर द मुंद जाली.

फ्रेय आचिल्स मिर्समाना प्रमाणे : १५८५ वर्सा सिरूला दोग मठवाशी आसले : निकोलाव दा विसितासांव आनी बेर्नार्दो दा कोंसेसांव. पयलो तो जावंक जाय रेयतोर

(दुसरो) निमाणो रेयतोर दिला तो हो : फ्रेय जुजे दा कोंसेसांव (१७६६-६७). उपरांत देशी वो गोंयकार पाद्री विगार जावंक पावले.

लिओपोल्दो दा रोचा कितल्याचश्या रेयतोरांचीं नांवां दिता. पयलो फ्रेय जुवांव दा त्रिनिदाद (१५७४-७५) आनी निमाणो दिता तो १७६६-६७ वर्साचो : फ्रेय जुजे दा कोंसेसांव (निमाणो). ह्या १९३ वर्सां कोटी १५१ फ्रांसिस्कानी रेयतोर सालयचे फिगर्जेंत आमकां मेळटात. हांचे भायर मेळटात आनीक चार तांतल्या एकल्याक कूर म्हणला. पूण दुसरे तेग कोण आसले तें सांगूंक ना.

किरिस्तांवपण ह्या गांवांत येवचे आदीं शेरूला वो सालय सतरा देवळां आसलीं. वनदेवी आनी नारायण हांच्यो मुर्त्यो मुळगांवां (दिवचले) व्हेल्यो; त्या आदीं त्यो मुर्त्यो तातपुरत्यो अडवपाल दवरलेल्यो.

इगर्जेचें वर्णन

ही एक मुखेल इगर्ज बार्देसांतली. तिच्यो दोन बाजुंच्यो तोर्र्यी वो मिनारी आठ वो स तरी कोनशांच्यो कश्यो दिसतात; दोनूय तोर्र्यी एक एक व्हडलें जनेल आसा. घांट आसा ती मदले तर्र्यीर आनी त्या सकयल सां साल्वादोर. इगर्जेच्या आदराक, एक व्हडलो सुमार सात मेत्र उंचायेचो फातरांचो खुरीस उबो आसा; ताका चार बाजू आसा. हो खुरीस जावन आसा चोडणेचे जेजुइत सेमिनारींतलो वो निवासांतलो. मागीर त्या निवासांत सेमिनार घातलेली ती चड काड तगली ना; शेकीं ती रायतुरा पावली. सगल्या आदराक एक दुरीग खांब्यांचें कशें वेढो घालतात.

हे इगर्जेंत कणसांची परब म्हणजे नवें, आगोस्ताचे ६ वेर दबाज्यान जाता; हें नवें इगर्जे सामकार रस्त्या कुशीकूच आसलल्या एका शेतांत कातरतात आनी त्या शेताक एक सुपुर्लेंच दुरीग वेढो घालता तें एक टिकटेंच दिसता. थंय आदीं एक देऊळ आसलें. शेरूला ओ शिरवड्यां आदीं १७ तरी देवळां आसलीं : वेताळ, नारायण, धाक्टी वनदेवता, रवळनाथ, व्हडली वनदेवता, सिध्दनाथ, मालकुमी (महालक्ष्मी) ग्रामपुरूष, सोमनाथ, वीर, महा-काळो आनी गोवेश्वर.

सेरूला म्हळ्यार बार्देसाच्या चाळीस गांवां मदलो एक व्हडलो गांव वो व्हडली गांवकारी (कोमुनिदाद); ह्या गांवचो लोक पुजा करीत करीत श्रीबेताळ (वेताळ) ह्या देवाची-मुख्य देव आख्या जिल्ह्यांतलो आनी महा-रूद्र. कणस कातरता थंय बेताळचें देऊळ आसलें जायत. सोडवणदाराची वो साल्वादोराची परब आगोस्ताचे ६ वेरूच मनयतात.

इगर्जेंत भितर सरूंक एक व्हडली पडवी आसा आनी ताका तीन दारां वो उक्तो जागो. हे पडवेंत भितर सरतांच, उजवे वाटेंतल्यान बरयल्लें मेळळें अशें:

EM COMEMORACAO DA CONSAGRACAO DA FREGUESIA DE S. DO MUNDO AO IMACULADO CORACAO DE MARIA

22-8-1949

दाव्या वटेंतल्यान बरयलां अशें :

EM COMEMORACAO DA CONSAGRACAO DA FREGUESIA DE SALVADOR DO MUNDO AO SAGRADO COACAO DE JESUS

31-1-1940

आनीक एके वण्टीर बरयलां :

TILES DONATED BY MR. & MRS. HIPOLITO PINTO

8-9-74

मुखेली वो मदलो आल्तार साल्वादोर सायबाक भेटयला. ह्या सायबाची प्रतिमा, मदल्या आल्तारार आसली ती, कसमेवंक लागलेली आनी एकदम वायट दशेर पावलेली. ती प्रतिमा ४३५ वर्सांची जायत- इगर्ज उबारलेली १५६५ वर्सा. १९९८ वर्सा पोरण्यो वो जुन्यो वस्तुंचो सांबाळ करतल्यांनीं ते प्रतिमेची दुरूस्ती केली आनी ती बरे तरेन केल्या म्हण गोमता. गोंयच्या पुरातत्व खात्यान हो वावर करूंक आपल्या कलाकारांक धाडले.

मदल्या आल्ताराचो रेताब्ल म्हळ्यार आसिसाच्या सांत फ्रांसिस्काचे इगर्जेंतलो, गोवा शारा, आयज पोरणें गोंय; ही इगर्ज खरेपणी पवित्र आत्म्याक भेटयल्ली आसा आनी न्हय आसिसाच्या सांत फ्रांसिस्काक. तो कोंवेंत जावन आसलो, दुबाव ना, आसिसाच्या सांत फ्रांसिस्काचो आनी सालयचीय इगर्ज जावन आसली फ्रांसिस्कानी मठ वाश्यांची.

मदलो आल्तार म्हळ्यार वो ताचो रेताब्ल म्हळ्यार एकदमूच रूंद आनी व्हडलो. ह्या रेताब्लार आनीक कितलेच देखावे वो चित्रां दाखयल्यांत. मदेंकत आसा मेल्लो जेजू वो ताची समाधी : मागीर त्या सकयल उजवे दिशेंतल्यान वयर सान सकयल : सांत आंतोन घेवन हातांत जेजू बाळकाक; जेजुचें स्वर्गा रोहण आनी उदेंतीचे विद्वान (रेइस मागोस): दाव्या वाटेंतल्यान वयर सान सकयल: आसिसाचो सांत फ्रांसिस्क, जेजुचें जिवंतपण आनी जेजुचो जल्म. ह्या सगल्या चित्रांची तशीच इगर्जेंतल्या सगळ्या हेर चित्रांची नवसरणी करून त्या चित्रांक श्री. झिलू हरमलकार म्हणटल्यान, रंग काडला तो सारको जिवोच दिसता आनी दोळ्यांनीं घुसता. श्री. झिलू हरमलकार (मुदलांत हरमलचो, पेडणे). ह्या कलाकारान दिवचलची नवी इगर्ज चित्रायल्या आनी प्रतिमा केल्यात. सगल्या आल्तारांक भांगराचो रंग काडलेलो दिश्टी पडटा: वयर पवित्र आत्मो, त्या सकयल पाप सायबाचो तोप आनी इगर्जेचें मंदीर आसून चावयो (सांत पेद्रुच्यो चावयो त्यो). ही कदेल म्हळ्यार



खरेपणी बिस्पाक बसोवपाची.

बाजूक दोन आल्तार: उजव्याक आसा तो सांत सेबास्तीयांवाचो आनी ह्या सांता वयर एक पेलिकान सुकणें दिश्टी पडटा; सकयल आसा सांत आन्नां आपले धुवेक घेवन; दाव्याक आसा तो सांत रॉकीचो आनी ह्या सांताच्या माथ्या वयर पेलीकान सुकणें दिश्टी पडटा; त्या सकयल आसा तारणाची सायबीण. ह्या आल्तारार एक तारूं दिश्टी पडटा आसून दोन शिडां-एक खुणा तारणाची (साल्वासांवाची).

त्या सकयल इगर्जेत उजवे वाटेंतल्यान एक आल्तार आसा तो जावंक जाय जेजुच्या जिवंतपणाचो आनी त्या सकयल काकुटीची सायबिणीचो (पियेदाद); दावे वाटेंतल्यान आसा सांत फ्रांस्काचो आल्तार आनी ताचे सकयल: मोरियेचें काळीज, जेजू आनी सांत जुजे. त्या सकयल दिश्टी पडटा सांत जेरोंव. दिमयेर पडलेलो.

पुलपुत्राक ६ बाजू आसात आनी ताचेर दाखयल्यात ते दोग मुखेली आपोस्तोल: सां पेद्र आनी सां पावल. जाणी रोमाक शुभवर्तमान परगटलें आनी रोम शाराक क्रिस्ताची खबर सांगली आनी रोम शार जावंक पावलें क्रिस्ती धर्माचो माज. ह्याच पुलपुत्रार चारूय शुभवरतमानकार दाखयल्यात आनी दरएकाच्यो खुणा: सांत जुवांवची खुणां म्हळ्यार एक गिडगें; सांत लुकाची खुणां म्हळ्यार एक पाडो, सांत मातेवची खुणां म्हळ्यार एक मनीस; आनी शेकीं सांत मार्काची खुणां म्हळ्यार एक शींव. ह्यो सगळ्यो खुणां दरएका शुभवर्तमानकाराच्या पायांशीं दाखयल्यात.

इगर्जेच्या शेवटाक म्हणजे इगर्जेत भितर सरतना सायबीण मायक दवरल्या ती तारणाची सायबीण जायत आनी दोनूय वाटांनी वण्टींचेर एक एक तारूं आसा; हीं तारवां बगर बगर तारणाचो वो सोडवणेचो उगडास करतात कित्याक तारवांक लागून जायत्या खलाश्यांचो जीव तारलेलो आसा आनी ही सालयची इगर्ज जगांतल्या वो संवसारांतल्या तारकाक भेटयल्या (साल्वादोर दो मुंद).

प्रि. सिंप्लीशीयानो फेर्नांडीस ह्या विगाराक हांव दिनवासी कित्याक ताणें म्हाकां इगर्ज उगडून सगळी म्हायती दिली.

हे इगर्जेक एकेच वाटेन निवासाक एक माळी आशिल्ली दिश्टी पडटा; हरशीं बार्देसाच्या इगर्जांचे निवास वो विगाराचें घर सदांच जमनीर आनी मदेकात चार कोनशांचें एक आंगवण वो फुलां बाग. पूण सालयच्या निवासाक एकेच वाटेंतल्यान माळी आसा कित्याक ह्या निवासांत वो घरांत कोंकणी भास शिकोवंक एक इस्कोल वो शाळा आसली-दुबाव ना येवरोपी फ्रांसिस्कानाक देशी भास शिकोवंकूच पडटाली. ना जाल्यार मिशनरी वावर करूंक घडचें नासलें, सदांच दुभाशी वो भाशांतर करपी वापुरचे पडटले आसले.

■■■

-मोरेन द सौजा एस. जे.
पोरणें गोंय

बिम्ब प्रकाशनाचीं दर्जेदार पुस्तकां

क्र.	पुस्तकाचें नांव		लेखक	मोल
१.	रूक्षप्रश्न	(निबंद)	दिलीप बोरकार	रु. १६०.००
२.	एक शून्य प्रवास	(एकांकीसंग्रह)	दिलीप बोरकार	रु. ६०.००
३.	शापित सूर्य	(कविता - मराठी)	दादू मांद्रेकार	रू. ६०.००
४.	आण्टीची गादी	(नाटक)	दिलीप बोरकार	रु. ३०.००
५.	जाय काय जूय	(ललीत)	दता दामोदर नायक	रु. ५०.००
६.	खगोल शास्त्रीय नाट्यांगण	(एकांकीसंग्रह)	श्रीकांत नागवेकार	रु. १००.००
७.	काणी एके जिणेची	(कादंबरी)	सुजाता सिंगबाळ	रु. ५०.००
८.	तांबशी	(कविता)	मनोज नरेंद्र कामत	रु. ७०.००
९.	सात काणयो	(कथा)	गणपत कवळेकार	रु. ६०.००
१०.	म्हापुरूश	(बालसाहित्य)	नरेंद्र का. कामत	रु. ४०.००
११.	पोको	(कादंबरी)	नं. ध. बोरकार	रु. २५०.००
१२.	वादळ आनी वारें	(कादंबरी)	फा. आ. पेरेरा	रु. १५०.००
१३.	काळखी जीण	(कविता)	साईदास आपटे	रु. ६०.००
१४.	माणकां मोतयां	(बालसाहित्य)	नरेंद्र का. कामत	रु. ४०.००
१५.	तनरजोती	(कविता)	रमेश वेळुस्कार	रु. ८०.००
१७.	रूपरंग	(कविता)	विजया नायक कोमरपंत	रु. ६०.००
१९.	बायनेट फायटींग	(कथा)	महाबळेश्वर सैल	रू. २००.००
२१.	भारतवर्षाची संस्कृतायेची साधना	(ललीत)	रवीन्द्र केळेकार	रू. १५०.००

घरांत पुस्तकांची आलमार म्हळ्यार सुसंस्कृतायेची वळख

बिम्ब मासिक घरांत येवप म्हळ्यार भिन्यान भितर सरप

पुस्तकांचेर १०% सवलत

आतांच संपर्क करात

'बिम्ब', जी.एस.बी. ३, हावसिंग बोर्ड कॉलनी, पर्वरी - गोंय. ४०३ ५२१

फोन : २४११५९४ मोबायल : ९८२२१३६८८५

भलायकी

अपचन

अपचन हें कोणाकूय, जांव दादलो जांव बायल, जांव जाण्टो, जांव नेण्टो, जांव भुरग्यांक जांव येता. अपचन म्हळ्यार पोटाच्या वयल्या भागांत दुखप वा कशेंशेंच बेचैनशें दिसूंक लागप. ही दूख सतत उरता वो थोड्या थोड्या वेळान ताचो अणभव येता. दरएक मनशाक आपल्या जिवितांत केन्ना तरी हें अपचन जाणवताच.

अपचन जालां म्हण कशें कळटा?

- पोटाच्या वयल्या भागांत जळजळील्ल्यावरीं दुखप वो कुडके कोचून काडिल्ल्या भशेन दुखप.
- पोट फुगिल्ल्या सारखें दिसप.
- आंबट धेंकर येवप.
- ओकूंक आयिल्ल्या सारकें दिसप.
- ओकूंक येवप.

अपचन जावपाचीं कारणां कितें?

जर मनशाक परत परत अपचन जावंक लागत जाल्यार दोतोराचो सल्लो घेवप गरजेचें. हाचें मूळ कारण कितें, हाचो शोध लावपाक जाय.

१. पोटाचो अल्सर आसलो जाल्यार.

२. आमच्या पोटांत आम्ल (ॲसीड) आसता. हें ॲसीड जर पोटांतल्यान परतें अन्न नळयेंत वचपाक लागलें जाल्यार अपचन जाता.

३. कसलींय खर वखदां घेतलीं जाल्यार.

४. पोटाचो कॅन्सर जायत जाल्यार.

जर तर मनशाक अपचन जावंक लागत आनी-

अ. ताची पिराय पन्नाशिच्या वयर आसत.

ब. जर ताका गिळपाक त्रास जाता.

क. ताचें वजन कमी आसा.

ड. ताका परत परत वोकूंक येता

इ. परसा कडले त्रास, काळें, तांबडें परसा कडेन जाता.

ई. पोटांत गुळो लागता जाल्यार दोतोराचो रोखडोच सल्लो घेवचो आनी ताचेर योग्य तो उपचार करचो.

ह्या दुयेंसाचेर एक-दोन दीस उपचार करून व्हडलोसो कांय फायदो जायना. दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाण हाचेर कांय सप्तकां उपचार घेवचो पडटा. आनी जर हाचेर तरीय गूण पडना जाल्यार फुडें आनीक तपासण्यो करून घेंवच्यो पडटात.

आपणें अपचन जावंक दिवंचें न्हय, वा कमी कशें करचें?

- विडी-सिगार ओडटा जाल्यार तें बंद करचें.
- तिखसाण, तेलाचे, मसाल्याचे पदार्थ बंद वा कमी करचे.
- जिवाचो ताण (स्ट्रेस) कमी करपाचो प्रयत्न करचो.
- खाण-जेवण सारक्या वेळार घेवंचें.
- रातचीं जागरणां कमी करचीं.
- दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाण वखदां घेवंचीं.

अशें करून अपचन कमी करूं येता.

■■■



- डॉ. वंदना धुमे
फोन : ९८२२५८५२८५

स्वताचे जाणवायेन वखदां घेवप धोकेदायक थारूं येता. तुमकां बरोवन दिल्ल्या वखदाविशीं (रशेद) जर कितेंय चवकशी करपाची आसत जाल्यार आमच्या फार्मासिस्टाकडेन उलयात.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

उत्तरकुवाडें

– मुकेश थळी

आडवे

१) उजू चलणुकेची रीत
३) एक इंद्रीय
६) लगनांतलो हो तांबयो न्हवऱ्याची भयण धरता.
७) जतनाय, शिटूकसाण
९) फळाची फोड
१०) फाजील अभिमान
११) पयशे उणे खर्च करपाची वृत्ती
१३) सुटी
१५) जेवणांत हें तितलेंच जाय, चड न्हय, उणें न्हय
१७) शेतांतलो धान्याचो तुरो
१९) उणें
२१) उत्तर
२२) सुवात
२३) रगता शीर
२५) दुदाचेर ही आसता; साय
२६) एक फांकीवंत पार्श्व गायीका

उबे

१) कोणूच मनीस वा आवाज नासपाची वातावरणांतली अवस्था
२) इमारतींतलो चवकोनी फांतर
३) गड्डो(भाजी)
४) आमाड्यांची चटणी
५) ह्या नांवाचो गांव गोंयच्या तीन तालुक्यांनीं आसा
७) धांवतकच ही मारता
८) मुंबयची एक सुवात
९) तवश्या पासून केल्लो एक जीन्नच
१२) इस्पिकांचो खेळ
१४) एक कोंकणी प्रकाशन
१६) चोर
१७) नशीब खंय हाचेर बरयल्लें आसता
१८) ख्यास्त
२०) ज्योतिशांतली एक रास
२१) थकिल्लो
२४) आसिनाद, विशाणी

१	२		■	३	४	■	५
६		■	७			८	
	■	९		■	१०		■
११				१२	■	१३	१४
	■		■	१५	१६	■	
■	१७		१८	■	१९	२०	■
२१		■	२२		■	२३	२४
२५			■	२६		■	

जून उतरकुवाड्याची जाप

पा	र्श्व	गा	य	क	■	आ	डो
दा	■	डी	■	सा	र	स	■
क्रां	ती	■	बा	य	■	र	जा
त	■	पा	■	खा	ट	■	व
क	पे	ल	■	नो	■	मा	■
र	■	क	प	■	क	ज	री
प	त	■	गा	र	द	■	व
■	रा	म	र	क्षा	■	घा	ण

आमी दिसपट्टो रांदपाक
गॅस वापरतात
गॅस हो सैमीक वायु
ताचो स्त्रोत मर्यादीत
रांदपाचो गॅस सांबाळून वापरात

जान्हवी गॅस सर्वीस
सांत-इनेज, पणजी.

प्रो. प्रा.: श्रीराम वळववकार
हांचेकडल्यान जनहिताय प्रस्तुती

प्रासंगीक

पावसाळो : जीणेक आगळें वेगळें सूखं दिवपी उत्सव.

- मार्कोस गोन्साल्वीस

हे धर्तरेक तुजी याद येता
रानां वनां, कविची कवनां
बेबका पोरां तुकां रावता
तूं येतलो म्हूण
व्हंकल पांचवी साडी न्हेसूंक
तुजे यादीन तळमळटा.

पावसाळ्याच्या पयल्या थेंब्याक आपल्या माथ्यार घेवंक सगली धर्तरी आशेन आसता. जशे जशे पावसाळ्याचे दीस लागीं पावतात तशे तशे मनीस प्राणी धरून जनावरां लेगीत पुरूमेताचे तयारेक लागता. मनीस मात चडूच तयारी करता. पावसाचे वावजडींत भिजचे भिजून ही धर्तरीय आपल्या आंगार नवें कापड घेवंचें, अश्यो कांय भावना ह्या निसर्गा भितर खेळटात. पावसाळ्याक येवकार दिवंक भूंय उमळशीकेन तयार रावता. मात कांय एक पावट मळबावेल्या कुपांचेर आशेन आसलेल्या शेतकामत्याचो दोळो निराशी जावन सुकीं दुखांय गळोवपाक लागता. नांगर घालपाचे जमनीक आयिल्ली उपाशीं वेर नियाळून आपलीं पोटां हे जमनीक लावन न्हिदपाक पडपाची पाळी येतली काय असोय भंय ताका लागता. मागीर तो पावसा देवाकडेन प्रार्थना करीत बसता. पूण तरीय पावसाळो म्हळ्यार पुराय धर्तरेक फावो जाल्लो एक व्हड उत्सव, हाची जाणीव ताकाय जाता.

पावसाळो म्हळ्यार एक उत्सव. कारण हो उत्सव धर्म-जात, ल्हान-व्हड, गरीब-गिरेस्त असलो आनी हेर कसलेच भेद मानिना. पूण निसर्गाच्या कांय नेमांक आनी मनशांनीं केल्ले उदरगतीचो परिणाम म्हण संवसारांतल्या कांय राष्ट्रान हो पावसाळ्याचो उत्सव मनोवपाक नशीब मेळना. हे संबंदान आमचें गोंय अती नशिबवंत म्हळ्यार अतिताय जावची ना.



पावसाळो ज्या दिसा सुरू जाता आनी ज्या दिसा सोंपता त्या दोन्नय खिणां मदीं आमी खुबशे अंतर करपाक शकतात. पयले वावजडीचो आनंद आनी शेवडाचे म्हाळ पावसाच्या गडगड्याचो भंय. पयल्या पावसांत मुद्दाम जावन घरांतल्यान भायर सरून पावसा थेंबे आंगार घेवपाची खोस आनी गडगड्याक भियेवन दारां जनेला बंद करून गुपचूप लिपून रावपाचो खीण. कागदाचीं व्हडीं घेवन, पांयभर उदकांत रावून बोटीचो कॅपटन जावपाचें व्हडपण आनी हुवारांत व्हांवून वचपाचो आकांत. तरी पावसाळो नाका अशें एकल्याकूय दिसना. कारण पावसाळो मनशाचें काळीज, मन आनी कूड हांचो एक मेळ घडयता. हें त्रित्वें जेन्ना नाचूंक लागता तेन्ना मनीस परमेश्वराची खाशेली रचना हाची गवाय मेळटा.

कांय जाण म्हणटात पावसाळो मनशाक भरपूर हानीय करता. धर्तरेचें लुकसाण करता मनशांनीं उत्पन्न केल्ल्याचें निसंटन करता. तरीय पावसाच्या थेंब्या बगर जगपाक कितलें मुस्कील जाता हाची जाप अरबी लोकांकडल्यान मेळटा. अरबी देसांत लोक पावस पळोवपाक तळमळटात आनी ज्या दिसा चुकून म्हणलेल्या भशेन मळब फुटून पावस देंवता त्या खिणांक तांचो आनंद मळबांतल्या कुपां बरोबर नाचूंक लागता. घराच्या पावळ्यांतल्यान व्हांवपी उदक पळोवपाचें आनी ताचो आनंद घेवपाचें नशीब गोंयकारांक फाविल्लें आसा.

पावसाच्यो यादी कितल्यो नाजूक आसतात ताची जाप आमचे जाण्टेले बेस बरे दिवंक शकतात. गोंयच्या गांवच्या वाठारांनीं रावपी आमचे गोंयकार पावसाळ्याचो बरो अणभव वांटपाक शकतात आनी हेच खातीर कांय जाण्टेल्या फुड्यान बसलों आनी तांच्यो यादी जिव्यो करपाचो प्रयत्न केलो.

सुमार ६५ वर्सां पिरायेचो कायतान सांगता, ङ्गखऱ्यानींच ते पावसाळे दीस खूब मौज मस्तीचे आसले. घरांत आवयचो मार पडटलो हाची भिरांत आसूनय पावसांत भिजून खेळपाक वचप चोरयां लागींच. पावसाच्या उदकान भरिल्ले तळयेंत न्हावपाक वचप आनी मागीर घरा पावतकूच बडयांचो मार... पळय तीन-चार दीस पावस शेगीत झडत रावलो कीं रातींत हेरां बरोबर नुस्तें मारपाक वचप. आमी तेन्ना ल्हान, देखून फकत नुस्तें घालपाची पोती धरपा उतलेंच आमचें नशीब. पूण मागीर आमी

व्हडले जाले तेन्ना आमचे बरोबर येवपी भुरग्यांक पोती धरपा खातीर आमी हुकूम दिवप.ङ्ख

बारशें हांगा रावपी ६० वर्सांचो मागरीश वेळीप आपल्यो यादी सांगतना म्हण्टा, ङ्कबाबा, आयज फकत पावस झडटा पूण झडटल्या पावसा बरोबर नाचूंक बेब्यांबगर कोणूच ना. आमी ल्हान आसतना शेतांत, नांगरा फाटल्यान कुल्ल्यो आनी कोंगे पुंजावपाक भोंवताले. आयज आमचे भुरगे शेतांत पांय घालपाक सोदीनांत. कोंग्याचें आंबट तीख खावपाक विट्टात. हां! आतां आमच्या बरोबरचे कांय जाण शारांनी वचून रावपाक लागिल्ल्यान ते पावस सगलें विध्वंस करता इतलेंच जाणां, हेर सगळें विसरल्यात.ङ्ख

आमच्या जाण्टेल्यांनीं पावसाचो जितलो आनंद भोगला तो आमचे पिळगेमदीं ना, अशें म्हळ्यार अतीताय जांवचे ना. आयज भुरग्यांच्या हातांत ङ्कमोबायलङ्ख खेळटा. घरांत ङ्ककंप्यूटरङ्ख आसात. पयल्या पावसांत भिजपाचें सोडूच. कागदाचीं व्हडी करून उदकांत खेळयतलो भुरगो दिश्टी पडपाक खूब मुश्किल.

पावसाळ्यांत ताबलां आनी गड्ड्यां खेळ सामके फामाद. घरा भायर गड्डे. भायल्यान पावस पडटा जाल्यार भितर ताबलां आनी चिंचाऱ्याचे खेळ. ह्या खेळाचो आनंद ते खेळ खेळलेलेच वांटपाक शकतात. हातांत गड्डे घेवन मंडकुल्यांनीं खेळपी भुरगे दिश्टी पडना कारण आयज तांच्या हातांत कंप्यूटर खेळ चलता. दुसरे वाटेन ताबलांनीं आनी चिंचाऱ्यांनी खेळपी गोंयकारूच शेणत शेणत चल्ला आनी दरएका पावसाळ्या बरोबर हे खेळूय ना नपयत जायत वचपाक लागल्यात. गोंयच्या अस्तुऱ्यांक आयज ङ्कक्यों की सास भी कभी बहू थीङ्ख सारक्यो टिवी मालिका मेळिल्ल्यान तीं पावसाळो आनी पावसाळ्यांतलें रूचीक खाण कितें तें लेगीत विसरल्यांत.

पावसाळ्यांतली क्रिस्तावांचीएक व्हडली परब म्हळ्यार सां जुवांवचे फेस्त. हालीं हालीं गोंयच्या कांय हॉटेलांनीं ही परब व्हडा दबाज्यान मनयतात. हॉटेलांत रावपाक येवपी पर्यटक हे परबेंत इतलो गुल्ल जाता कीं तांचे खातीर हॉटेलांत खाशेली तयारी करतात. आपल्या आंगाक सांज्यावांचीं वाल बांदून ते पर्यटक हॉटेलांत आशिल्ल्या स्विमींगपुलांत उडक्यो मारतात . मात गोंयचो गोंयकार नळाच्या उदकांत सांजांव मनयतना दिश्टी पडटा. नवेंच लग्न जाल्लें जोडपें लेगीत आयज सांजावाची रीत-रवीस विसरत गेलां. हरशीं काजारा पयलीं मावोड्यां वचून न्हिदपी जांवूय सांजाव्याच्या दिसा एक तर बारांत बसून आसता ना जाल्यार आपले घरकान्नीक घेवन हनीमुनाक भोंवता. देखून आपल्या जांवयाची माया अपुर्बाय करपाची सासूमांयची संदीय चुकत चुकत वचपाक लागल्या.

तरीय पावसाळो दर वर्सा धर्तरीचेर आनी धर्तरीचेर जगपी मनशाचेर उदकाचो शिंवर करीत रावता. मनशा कुळाक आपली याद दीत रावता. केन्नाय घसघश्यांनीं जाल्यार केन्नाय कांसवाचे गतीन. पूण धर्तरीक मात चंवरायता. हालीं कांय वर्सां गोंयांत पावसाचें एक वेगळेंच धोरण भितर सरलां. पावसाच्या हुंवाराक लागून गोंय उदका पोंदाक वचपाक लागलां, असो भंय निर्माण जाला. गोंयचे कांय मुखेल वांठार पावसांत भरून येवपाचें कारणूय गोंयकार बरे तरेन जाणांत. तरूय चडांत चड शीण काडटात तो पावसाचेरूच! पूण पावसाळ्या खातीर गोंयकारांची तयारी आसना हेंवूय तितलेंच खरें आसा.

पावसाळ्याची आनी एक बाजू : पावसाळो म्हळ्यार कवी मनाक उर्बा दिवपाचो काळ. आमचे गोंयचे कांय लेखकूय तशें मानताय बी. पावसाळ्यांत लेखक आनी सामान्य मनशां भितर लेगीत कवनां तयार जावपाक लागतात. पावसाळ्यांत नटपी सैम मनशाक पिशें लायतात आनी कवी मागीर आपल्या उतरांनीं पावसा थेंब्यांचेर नवीं कवनां घडयता.

घोंटेर सोडून गेल्लें सवणें लेगीत पावसाळ्यांत एकावेगळ्याच सुरांत गावपाक लागता. धर्तरी आपल्या आंगार नवो चंवर घेतना नाजूक नाजूक फुलां फुलोवपा लागता. त्या फुलांचो रस घेवंक कोंबल्यांचेंय भिरें वाऱ्यार खेळपाक लागता. हे खीण, हो दिश्टावो फकत पावसाळ्याचो! शेतकामती आपल्या हातांत नांगर घेवन जेन्ना शेतांत देंवता तेन्ना ताका जो पावसाळ्याचो आनंद मेळटा तो एक आगळो वेगळो जावन आसता. आमचे गरजे खातीरूच आमी पावसाळ्याची याद काडप म्हय्यार एके तरेन सैमाचेर केल्लो अनयाय म्हणपाक जाय. पावसाळो धर्तरेवेलो एक व्हड उत्सव. ह्या उत्सवान आमकां आयज मेरेन उत्कृश्ट सूख दिलां. ते भायर परंपरा आनी इतिहास दिला. मनशाचें जीवीत घडयलां आनी चंवरायलां. पावसाळो भोगपाची संदी संवसारांत रावपी पुराय मनशा कुळाक लाबिल्ली ना. कांय जण ताचे आशेन जगतात. पूण गोंयकारांच्या नशीबाक परमेश्वरान हें भाग्य फावो केल्लें आसा. ह्या भाग्या भितर आमचें पुर्वज आपली परंपरा फुडें व्हरतां व्हरतां ताचो आनंद घेयत चल्ल्यात. पूण आयज मात गोंयकार ही संदी शेणयत शेणयत वतात. पावसाळ्याचो आनंद कोंक्रीटाच्या शारांत लिपून दवरपाक लागल्यात.

पावसाळो हो आगळो-वेगळो उत्सव. तो फकत अणभवचे परस भोगून घेवपाची संदी आतां परत एकदां आमच्या फुड्यांत येवन उबी आसा. पुराय वर्सभर जिणेच्या राटावळींनीं रोंबून रावचे परस एक नदर पावसाळ्याचेर घालुया आनी मन मेकळें करून ह्या उत्सवांत मिसळ जावया. आकाशाक आनी धर्तरीक जोडपी हो पावसाळो आमच्याय काळजाक खोशेचे वावजडेंत भिजयता. हाचो दिश्टावो नियाळुया. तेच बरोबर पावसाळ्याकडेन जुळिल्ल्यो आमच्यो परंपराय तिगोवन दवरूया कारण पावसाळो म्हणल्यार फकत उदका-हुंवारूच न्हय पूण जिणेक आगळें वेगळें सूख दिवपी एक उत्सव.

■■■

संवाद

साहित्यिक मळार राजकारण भितर सरता तेन्ना हांव निर्शेतां...!!

मीना काकोडकार कोंकणींतली एक समर्थ कथाकार, ललित लेखन करपी, भुरग्यां साहित्य रचपी, नाटकुलीं बरोवपी आनी तितल्याच समर्थपणान नाटकांनीं भुमिका करपी एक संवेदनशील सर्जक. तरी तांकां कोंकणी समाज वळखता तो कथाकार म्हणूनच. तांच्या सपनफुलां ह्या कथा संग्रहाक १९९१ वर्सांचो साहित्य अकादेमी हो पुरस्कार फावो जाला. तांच्या निर्मिती प्रक्रियेचेर हांगा तांचेकडेन मुक्त भासाभास करतात १९९३ वर्सा साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार प्राप्त जाल्ले कोंकणींतले आनीक एक समर्थ कथाकार महाबळेश्वर.

*** मीनाबय तुमचें बाळपण खंय आनी कशें गेलें? मुखार तुमी साहित्यावटेन येवचीं कारणां कितें घडलीं? वट्ट तुमच्या साहित्याची पूर्वपिटिका कितें?**

** म्हजें भुरगेंपण पणजे गेलां. पूण दर सुटयेंत हांव पाळोळ्या वतालें ताका लागून पणजेचें शहरी वातावरण आनी पळोळेचो गांवगिरो वाठार; पिशें लावपी सैम ह्या दोनय गजालींची छाप म्हज्या मनाचेर उदेल्या.

साहित्याचे वाटेर येवंक कारणां लागनात. तुमच्या आंगांत जर तो गूण आसत जाल्यार आपसूकच तुमी ते दिकेन चलूंक लागतात. म्हज्या घरांतलें वातावरण साहित्याक पोषक अशेंच आशिल्लें. सगल्यांक वाचनाची आवड आशिल्ली. घरांत खूप मासिकां, पुस्तकां येतालीं. तातुंतल्यान म्हाकाय वाचनाची गोडी लागली. बाबान तरेक तरांचीं पुस्तकां म्हाका हाडून दिवचीं. म्हजे आवयक माईक बरोवपाची आवड आशिल्ली. त्या काळार साहित्य प्रसिध्द जावप ही सोपी गजाल नाशिल्ली. तरीकय मासिकानी माईच्यो काणयो प्रसिध्द जातात्यो. बाबाचें साहित्यीक आंग मात म्हका सामकें हालीं ताज्यो डायऱ्यो वाचतकीर समजलें. त्या डायऱ्यांतल्यो घडणुको, ताणें उक्तायिल्ल्यो भावना इतल्यो उत्कट आसात कीं त्यो छापल्यार तीच एक कादंबरी जांव येता.

लेखकाचे आवयबापूय साहित्यीक आसतातच अशें ना. किंवा लेखकाचीं भुरगीं लेखक जातात अशेंय ना. पूण म्हज्या बऱ्या नशिबान बाबा आनी माईच्या आंगातले हे गूण कांय प्रमाणांत म्हज्या आंगांत आयलें.

*** तुमी तुमच्या कथांतल्यान सगळ्या थरांतले आनी तरातरांचे अणभव चितरायल्ल्यान, ही सगळी जोड तुमी खंयच्या माध्यमांतल्यान जोडल्या? तुमकां एक थारावीक प्रादेशीकता आसा अशें तुमी मानतात?**

** लेखकाची मुखेल जोड ही ताजे स्वत:चे अणभव, हेरांचे अणभव, निरिक्षक शक्त, कल्पनाशक्ती आनी भरपूर वाचन ही आसता. पूण पुराय कल्पनाशक्तीचेर आदारून कोण बरोवंक शकना. गांठीक मूळ त्या विशयाचें थोडें तरी गिन्यान आसचें पडटा. विशयाचो गाबो समजून घेवपाची तांक आसची पडटा.

म्हज्या चडश्या कथांनी जीं पात्रां आसात तीं खंयचींय आसूं येतात. तातुंतल्यो घडणुको ह्यो खंयीय घडूं येतात. तांच्या मनांतल्यो भावना ह्यो खंयच्याय वाठारांतल्या मनशांच्यो भावना आसूं येतात. तांकां प्रादेशिकता कसली आसतली?

ज्यो गजाली फकत गोंयांपुरत्यो मर्यादीत आसात तांचें गोंयच्या वाठारांचेर चित्रण केलें जाल्यार तांकां प्रादेशीक म्हणूं येत. पूण म्हज्या

कथांक हांवें तसल्या चौकटेंत बसयलां अशें म्हाका दिसना.

*** खरें तर अस्तुरी, चली म्हण, बायल म्हण, आवय म्हण जिवितांतले सामके मुळावे अणभव घेता. निर्मितिचें नाट्यय तिचेसरी घडटा. तरीय कांय बायलो आपले निजाचे अणभव साहित्यांतल्यान माडूंक कचरतात. उलट एकतर्फी भुमिका घेवन प्रचारकी थाटाचें 'स्त्रीवादी' बरोवप करतात. हाचेर तुमचें म्हणणें कितें? तुमी हातून आगळ्यो म्हण तुमकां विचारता.**

** सैलबाब, निजाचे अणभव साहित्यांतल्यान मांडूंक कचरप हें फकत बायलां पुरतें मर्यादीत ना. दादल्यांचे बाबतींतय हें घडटा. शिवाय हे अणभव धिटायेन मांडपी बायलोच आसात. बायल आसूं वा दादलो स्वत:कडेन प्रामाणीक रावन आपले बरे वायट अणभव कथन करता तेन्ना तातुंतल्यान एकतर्फी भुमिका जाणवना. जाणवता ते ताजे वा तिजे अंतरंग. तातुंतली व्यथा.

सादी सरळ जीण जियेवपी असतुरेचे जिणेंत लोक चली, बायल, आवय म्हणून 'बरोवंक कचरपा सारकें' कसले खीण येतले? आनी तशें कांयच घडलें ना तरीकय तसले तरेचें लिखाण बायलांनी करचें अशी अपेक्षा करप योग्य जातलें? समजा कोणें असलें लिखाण केलेंच जाल्यार ती कितें सांगूंक सोदता हें वाचप्याक सारकें समजतलेंच हाजी खात्री दिवं येत? उरफाटो तिजेर वादी हो शिक्को मारप चड सोपें जातलें. दादल्यांचेर मात 'पुरूषवादी' असो शिक्को मारिल्लो केन्ना आयकलो ना. हें अशें कशें? हो म्हाकां पडिल्लो एक प्रस्न. हें हांव बायलांची कड घेवन विचारतां अशें समजूं नाकात. कारण हांव feminist न्हय. हांव humanist.

*** तुमच्या कथेंतलीं बायल पात्रां आनी दादले पात्रां हातून खंयचीं चड सशक्त जाल्यांत अशें दिसता तुमकां? अशें एकाद्रें पात्र सांगशात तुमी खूब तांकीन तें चितरलां आनी तें बरें उबें जालां?**

** प्रत्येक कथेंत वेगवेगळीं पात्रां आसात. तांचे मदीं बायल/दादलो असो फरक करप सारकें जावचें ना. कांय कथानीं बायल सशक्त जाल्या कारण ती कथा तिजी आसा. तर कांय कथांनीं दादलो सशक्त जाला कारण ती कथा 'ताजी' आसा. लेखक स्वत: बायल कांय दादलो हाजो ताजे कथेंतल्या पात्रांच्या चित्रणाचेर परिणाम जाता अशें म्हाका दिसना.

म्हजे कथेंतलें एक सशक्त पात्र सांगतलें जाल्यार हांव शीण हे कथेंतलें 'आपाचें' पात्र सांगन. बायले फाटल्यान एकटुको पडिल्लो हो आपा लोकांच्या काळजामेरेन पावला हाजी गवाय म्हाका वाचप्यांकडल्यान मेळ्ळ्या.

हे कथेक नामनेचो 'कथा' पुरस्कारय फावो जाला.

*** साहित्यांतल्यान बरोवप्यान विचार दिवंक जाय अशी अपेक्षा आसता. तुमी तुमच्या कथांतल्यान कशे तरेचे विचार दिल्यात? कोंकणी साहित्यांत तुमचें नवेंपण तें कितें?**

नामनेची लेखिका विजया राजाध्यश हांचे वांगडा

** बरोवप्यान विचार दिवंकच जाय हें म्हाका पटना. बरोवप्यान बरोवपाचें काम करपाचें. तातुंतल्यान आपणें कितें घेवचें तें वाचप्यान थारावपाचें. कसलीय चौकट घालून घेवन बरोवप म्हाका मानवना.

लेखकाचें वेगळेंपण कितें हेंयबी वाचप्यांनीच थारावपाचें.

*** कोंकणी साहित्य चळवळ ही जातपात धर्म विरयत सेक्युलर चळवळ अशें म्हणटात, तातून कितलें तथ्य आसा?**

** ती चळवळ सेक्यूलर अशें म्हजेंय मत. पूण 'तातूंत कितलें तथ्य आसा' असो प्रस्न जेन्ना लोकांकय विचारचो पडटा तेन्ना हे विशीं दुबाव आसा काय कितें असो परतो प्रस्न विचारचोसो दिसता.

खंयचीय चळवळ ही जायत्या जाणांची आसता. तातूंत धा जाणांचीं धा तरेचीं मतां आसूं येतात. घडये अशीं वेगवेगळीं मतां कानार पडटकीर मनांत दुबाव उप्रासूं येता. पूण म्हाका तरी दिसता कीं ही चळवळ सेक्यूलर!

*** तुमचे समकालीन बरोवपी, चड करून लक्ष्मणराय सरदेसायल्या 'कथा शिल्पांत' आस्पाविल्ले बरोवप्री, तुमचे कडल्यान तेन्ना खूब अपेक्षा आशिल्ल्यो. पूण मुखार तुमचो बरोवचो वेग मंदावलो आनी फाव तितल्या ललीत साहित्याची निर्मिती जाली ना, हाचें कारण कितें?**

** साहित्य निर्मणेक फावो तितलो वेळ हांव दिवंक पावलें ना ही गजाल खरी. 'कारणां' निमित्ता दिवन हांव वेग मंदावपाचें समर्थन करूंक सोदिना. वेळ मंदावलो हें खरें; पूण तो वाडोवपाचेंय म्हज्याच हातांत आसा.

*** कोंकणी साहित्याच्या फुडाराविशीं तुमकां हुस्को दिसता? आनी कितलीं वर्सां साहित्य अकादेमीच्या पुरस्काराखातीर आमीं बरीं पुस्तकां दिवंक शकतले? कांय हाशें करून घेतले? आज भारतीय साहित्याचे तुलनेत आमी खंय आसात?**

** जे गजाली विशीं आपल्याक आपलेपण दिसता ते गजाली बद्दल आपसूकच हुस्को दिसता. जसो आपल्या भुरग्यांचो फुडार पर्जळीत

Knit India त मुलाखत घेतना नामनेची तमीळ लेखिका शिवशंकरी.

जावचो म्हणून जण एकलो आवय बापूय हुस्को करता तसो. तेच तरेन एक लेखक म्हणून म्हाकाय कोंकणीचो हुस्को जाता.

साहित्य अकादेमीच्या पुरस्काराविशीं कितें सांगू? बरें पुस्तक आसलें म्हणून बऱ्याच पुस्तकांक हो पुरस्कार मेळटलो म्हणून खात्री दिंव येत? फकत साहित्याचे कसवटेर घासून आनी पुस्तकाचो कस थारायतात काय हेर गजाली लक्षांत घेवन तो लायतात हें म्हत्वाचें. बऱ्या पुस्तकाची व्याख्या कोण कशी करता ताजेर तें अवलंबून. हांशें जावपाचें आसल्यार बरें पुस्तक 'नासपाची' निखालस गरज ना. तें अशेंय जावूं येता आनी तशेंय जावूं येता.

हेर भासांचे तुलनेन कोंकणी साहित्य मात्तय फाटीं ना. हेर भासांतल्या अणकारीत साहित्याकडेन कोंकणी साहित्याची तुळा केल्यार हें स्पश्ट जाणवता. फकत हें मेजमाप आंकड्यांनी करचें न्हय.

*** कोंकणी साहित्यांत जांचेर फिल्मां जांव येतात अश्यो बऱ्योच कथा कादंबरी आसात, तातूंत तुमच्योय कांय कथा आस्पावतात. पूण गोंयचो एक फिल्म निर्मातो, दिग्दर्शक म्हण्टा, साहित्याक आनी फिल्माच्या कथानकाक कांयच संबंद ना, हाचेर तुमचें मत कितें? तुमच्या खंयच्याय कथेचेर कोणें फिल्म करची तयारी बीन दाखयल्या?**

** हांगा जण एकल्याक आपलें मत उक्तावपाचो हक्क आसा. जो मेरेन तें मत कोणालेंय नुकसान करना तो मेरेन ताजेर प्रतिक्रिया दिवपाची गरज आसा अशें म्हाका दिसना.

अजून मेरेन तरी म्हजे कथेचेर फिल्म काडपाची तयारी कोणे दाखोवंक ना.

*** कथा सोडून आनीक कसले साहित्यप्रकार तुमी हाताळल्यात? मुखार आता कसल्यो साहित्यीक येवजण्यो आसात?**

** कथा बरोवंक म्हाका चड आवडटा. पूण कथेभायर नाटकुलीं, ललित लेखय हांवें बरयल्यात. कादंबरी बरोवंक घेतल्या. पूण वेदोळ म्हळां तशें वेग मंदावला; म्हण्टकीर ती बरोवन हाता वेगळी केन्ना जातली सांगूंक शकना.

*** बाब सुरेश काकोडकार आनी तुमी दोगांय घोव बायल साहित्यीक, साहित्याच्या मळार वावुरपी, साहित्याची आवड आशिल्ले. ताचेन तुमच्या आयुश्याक कसले नवे आयाम लाबले? तुमी एक दुसऱ्याक ह्या मळार कितलीं पूरक थारलीं?**

** आमकां दोगांकय साहित्याची आवड आसा. पूण ताजो कल लेखनापरस प्रकाशनाकडेन अदीक. ताजे दुसरे व्याप वाडले आनी ताणें बरोवप उणें केलें. पूण म्हाका मात सदांच ताजें प्रोत्साहन मेळत आयलां. शिवाय तो एक भरवंशाचो टिकाकार. बरें वायट मेकळेंपणान सांगपी. म्हाका दिसता लेखकाक असो घरचो टिकाकार बऱ्या नशिबान फावो जाता. ताका लागून म्हज्या लेखनाक एक maturity आयली.

*** तुमचे साहित्यीक जिणेंतलो सगळ्यांत खोशयेचो आनी सगळ्यांत निर्शेणेचो खीण खंयचो?**

** तसो हाका एक खीण म्हणूंक येवचो ना. कितलेशेच अशे खीण एकवटून जाल्ली ही खोस. म्हज्या साहित्यीक प्रवासांतल्यान हांव म्हजी अशी खाशेली identity उबी करूंक शकलें हाजे सारकी खोस वा समाधान म्हाका दुसरें दिसना.

निर्शेवणेविशीं म्हणशात जाल्यार हांव सहजासहजी निर्शेना. पूण साहित्यीक मळार जेन्ना राजकारण भितर सरिल्लें दिसता तेन्ना म्हाका निर्शेणी येता.

*** तुमचेर तसो कोणालोच प्रभाव ना. तरीय कोंकणी धरून भारतीय साहित्यांतलो तुमचो आवडटो लेखक कोण, जाचे कडल्यान तुमी उर्बा घेतल्या असो?**

** कोंकणी धरून भारतीय साहित्यांतले म्हजे आवडटे लेखक जायते आसात. पूण जिचेकडल्यान हांवें उर्बा घेतल्या ती लेखिका जॉर्जेट हेअर. हिज्या मिश्कील लिखाणाक एक वेगळेंच आंग आसा. तिज्या साहित्यांतलो विनोद निखळ. 'comedy of wits' कसो आसचो हाची देख तिजेकडल्यान घेवंची. विनोदी लेखनांत हांव तिका गुरू मानतां.

*** तुमकां केंद्रीय साहित्य अकादेमी धरून जायते पुरस्कार मेळल्यात. तातूंत नामनेचो 'कथा' पुरस्काराचोय आस्पाव आसा. त्या पुरस्कारांतल्या अणभवाविशीं सांगश्यात?**

** 'कथा' हो पुरस्कार दोन पावटी फावो जाला. 'आपले परकी' आनी 'शीण' ह्या कथांक. म्हज्या कथांचो भोवमान जालो हे विशीं म्हाका खोस आसा.

*** तुमच्या आवडी निवडीविशीं आमकां जाणून घेवंक जाय आसलें.**

** बरोवपाभायर म्हाका आनीकय कांय गजालिनी रूची आसात. पूण सगल्यांकच हांव वेळ दिवंक शकना. तरीकय सांगतां. म्हजो बाबा चित्रां खूप सुंदर काडी. ताजी ती कला थोडीशी म्हज्याय आंगांत

आयल्या. हांवें मुंबय 'फायन आर्टस' चें दोन वर्सां शिक्षणय घेतलां. पूण आतां हो छंद पुरायेन फाटीं पडला.

बागकाम, अभिनय हांच्यावांगडा म्हाका समाज कार्याचीय रूची आसा. 'गोवा ॲनिमल वॅलफेर ट्रस्ट' हे बिगर सरकारी संस्थेची सुरेश आनी हांव ट्रस्टी आसात. ही संस्था रस्त्यावेल्या कुत्र्यांचें निर्बिजीकरण करता.

आमी कांय जाणां मेळून समाजातर्फे 'वधू-वर' मंडळ चलयतात.

कलांगण Centre for performing Arts हे संस्थेचें हांव Treasurer आसां.

*** तुमचे एकाद्रे कथेंतलें कथाबीज वा विशिश्ट अणभव तुमकां कसो खंय मेळ्ळो तें सांगशात?**

** जिणेची वाट चलतना जण एकलो अणभव पुंजायत फुडें वता. ह्या अणभवांत कितलींशींच कथाबिजां आसतात. केन्ना केन्ना हीं बिजां रूजून येतात; केन्ना केन्ना एका बिजांतल्यान एकच कथा निर्मून जाता तर केन्ना केन्ना कांय कथाबिजां मेळून एक कथा जल्मांक येता. 'मुक्त आयज बंद जीण.' ही अशी कथा. कांय कथाबिजांतल्यान जल्मांक आयिल्ली.

अश्यो कितल्योशोच आदार नाशिल्ल्यो बायलो आमी पळयतात ज्यो जाण्टेपणांत आपल्याक अदार मेळत हे आशेन दुसऱ्यांच्या संवसाराखातीर घश्टत रावतात. जो मेरेन तीं घश्टतात तो मेरेन लोकय तांचो फायदो घेत रावतात. पूण उपरांत ज्या वेळार तांकां आदाराची खरी गरज आसता तेन्ना मात तीं कोणांक नाकां आसतात.

असल्या कांय बायलांची जीण म्हज्या दोळ्यां मुखावेल्यान सरल्या. तांच्या दोळ्यांतली व्यथा, ओठांवेलो फटीचो हांसो खंयतरी म्हाका हालोवन गेला. तांचें तें घश्टप, फुडें मागीर उबंत पडप सगळें हावें पळयलां. असल्यो ह्यो काकीबायो, व्हनीबायो, आतीबायो आमच्या सरभोवतणी अजून आमकां दिश्टी पडटात. हें सगळें पळयतना काळजांत किंवाटोसो दाटून आयलो आनी तातूंतल्यान आपलें दुकळेंपण फाफडून उडोवन तायट मानेन उबी रावपी काकीबाय जल्मांक आयली.

साहित्य अकादेमीच्या 'writers meet' हे कार्यावळींत उलयतना.

1991 वर्सा साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार स्विकारतना.

*** तुमची गाजिल्ली कथा 'सुकण्या पिला रे' हांतलें जिवित कांयशें तुमच्या अणभवा भायलेंशें दिसता. तरीय तुमी ते अणभव खूब तन्मयतायेन, खोलायेन चितारल्यात. हें कशें साधलें?**

** जिवित थोडेंशें वेगळें आसलें तरी भावना सगल्यांच्यो त्योच आसतात. रघल्याचो आवयवेलो मोग, मावशेचो रघल्यावेलो मोग समजूंक फकत काळजाची भास खबर आसल्यार पुरो. ते भाशेक हेर कसल्या अणभवाची गरज नासता.

*** साहित्या भायरय आनीक कांय कला वांगडा तुमचो संबंद आयल्लो आसा, ते विशीं सांगशात?**

** साहित्या भायर म्हाका अभिनयाचीय आवड आसा. कला अकादमी दर वर्सा नाट्यस्पर्धा आयोजीत करता सुरवेच्या काळांत कोंकणी भाशा मंडळ तातूंत वांटो घेयी. तेन्ना माचयेर उबें रावपाची संद मेळ्ळी. उपरांत नामनेचे फिल्म दिग्दर्शक राजेंद्र तालक हांच्या कलांगण हे संस्थेतर्फे नाटकांनीं वांटो घेतलो.

कागदाचेर पात्रां रंगोवप आनी माचयेर उबें रावन आपूणच पात्र जावप दोनय वेगळे अणभव. पूण दोनीय म्हज्या आवडिचे.

■■■



डेंग्यू
आनी
चिकनगुनीया

हे विशाणूपासून जावपी रोग

एइडीइएस जळांरापासून पसरतात

लक्षणां कशीं वळखुचीं ?
खूब ताप, पोटांत धवळून येवप, सांदे आनी स्नायू दुखी, काडामोड जावप.

उपचार
डेंग्तू आनी चिकनगुनीया हाच्याखातीर खासा विशिश्ट वखद वा लस ना.
लक्षणां कमी करच्याखातीर पॅरासेटामॉल हाचो वापर करूं येता.
आस्परीन टाळची.
तात्काळ लागीच्या भलायकी केंद्राकडेन संपर्क सादचो.

एइडीइएस जळारां घरां भोंवतणच्या साठयिल्ल्या नितळ उदकांत तांतयां घालता.

जळारांची वाड थांबयात आनीकांय सादी पावलां उखलून जळारां पसून तुमकां वाचयात.

घट्ट धाकणी बसोवन
उदकाच्यो टांकयो आनी हेर
आयदनां धापात

भरच्या पयलीं सप्तकांतल्यान
एकदा तुमच्यो टांकयो रिकाम्यो
करून सुकयात

मच्छर दाणयो आनी मच्छर बत्ती वापरून जळारांपासून तुमचें संरक्षण करात.



पिढ्ढ्यार सामान, टायर आनी नाल्लाच्यो कट्ट्यो, तशींच हेर आयदनां निकालांत काडात.

जळारांची वाड जावंची न्हय म्हूण तुमचो सरभोंवतणचो वाठार नितळ दवरात.

भलायकी शिक्षण विभाग

भलायकी सेवा संचालनालय

पणजी-गोंय हांच्या मार्फत लोकहिताखातीर प्रसृत

जुलाय २००७ चें राशी भविश्य

– ज्योतिषाचार्य राजाबापू बर्वे

आर्थीक उलाढाल करतना फाव तें नियंत्रण दवरीत जाल्यार फुडाराचे उपक्रम फायदेशीर थारतले. शुक्र, राहू, हर्षल शुभफळ दिवपी आसात. थारायल्ल्या कामांत अडथळें येतले. योग्य मनशाच्या सल्ल्याची गरज आसा. तडजोड करप हिताचें थारतलें. वेंवसायांत केल्लें धाडस उपेगी पडलें. १६ जुलाय मेरेन रविचें फाटबळ आशिल्ल्यान म्हत्वाचीं कामां ह्या काळांत पुराय करचीं.

ह्या म्हयन्यांत कुटुंबियां कडल्यान कांय काळ पयस वचपाचो योग संभवता. बुध, गुरू, शुक्र, शनि, राहू, हर्शल उदरगत करपी. मंगळ, केतू अनिश्ठ आसा. मनाचे स्वास्थ्य लाबतलें. उद्येग-धंद्यांत बरकत येवन यश प्राप्त जातलें. गैर समज पयस जातले. नोकरेंत मानाची सुवात लाबतली.

१५ जुलाय सावन तुमकां मेळपी शनिचें फाटबळ फायद्याचें थारतलें. नव्यो नव्यो संधी प्राप्त जातल्यो. आर्थिक येणावळ वाडिल्ल्यान मनासारखो खर्च जातलो. मंगळ, शुक्र, शुभफळ दिवपी आसात. मित्रांचो सल्लो उपेगी पडटलो. गुंतवणूक लाबाची थारतली. सद्याचे नोकरेंत बदल नाका.

ह्या म्हयन्यात तुमच्या अधिकारांत वाढ जातली. कामा निमतान जाल्लो प्रवास फायदेशीर थारतलो. जनसंपर्कांतल्यान नामना आनी मानसन्मान फाव जातलो. इश्टामित्रांचें सहकार्य लाबतलें जमीन वेव्हारांत फायदो जातलो. भलायकेची काळजी घेवप खूप गरजेचें.

सद्याच्या काळांत रविचें फाटबळ आसा. जापसालदारकेंत वाढ जातली. बऱ्यो संधी चलून येतल्यो. मना सारके वेव्हार जातले. भलायकेच्यो कटकटी पयस जातल्यो. वेवसायांत जम बसतलो. जन संपर्क वाडटलो. शुभवार्ता कानार येतल्यो.

आंगांतल्या कर्तुत्वाक वाव मेळपाची संद ह्या म्हयन्यात फाव जातली. अतिलोभा फाटल्यान धावनासतना सादुरतायेन पावलां घालचीं. ताका लागून अदीक अर्थप्राप्ती जातली. भलायकी घटमूठ उरतली.

रवि, बुध, गुरू, शुक्र अनुकूल आसात. भलायकी सुदारतली. जमनीचो वेव्हार करपाचो आसल्यार बेगोबेग करून उडोवंचो. केल्ली गुंतवणूक फायद्याची थारतली. आर्थिक विवंचना पयस जातली. लग्नाचो योग जुळून येतलो.

ह्या म्हयन्यांत वादविवाद, मतभेद हाका जाता तितलो फाटो दिवंचो. नोकरी वेवसायांत नव्यो संदी प्रप्त जातल्यो. धनप्राप्तीचे वेगवेगळे योग्य आसात. धार्मिक वावरांत वांटेकार जातले. शिक्षणात अडचणी संभवतात.

बुध, राहू, हर्षल उदरगतीक फावशे आसात. थोडोसो विसव घेतल्यार भलायकी सुदरतली. धार्मीक कार्याक दुडू खर्च करचो पडटलो. हातांत दुडू खेळटलो. कसलोय निर्णय घेतना मात विचार करूनच घेवंचो. खावपा-पिवपाचेर नियंत्रण दवरप बरें.

ह्या महयन्यांत विरोधकांची वाढ जावपाची शक्यताय आसा. आपल्या वागपा-उलोवपाचेर नियंत्रण दवरप फायद्याचें थारतलें. अनवळखी मनशांचेर विश्वास दवरू नाकात. नोकरेंत मानाची सुवात फाव जातली. यात्रा सुखान जातली.

इश्ट परिवारांत आपल्या व्यक्तिगत जीवनाची चर्चा करीत जाल्यार तातूंत तुमचेंच लुकसाण आसा. अपेक्षाभंग जातलो. मानसीक थिरताय लाबचिना. उद्योग-धंद्यांत यश संभवता. ह्या म्हयन्यांत म्हत्वाचे निर्णय घेवंचें न्हय.

मंगळ, गुरू, शुक्र, शनि, केतू अनुकूल आसात. घरांत सोयऱ्या दायऱ्यांची वर्दळ वाडटली. घरांत मंगलकार्य घडटलें. कामाचो ताण वाढटलो, निश्काळजी रावत जाल्यार अपेश पदरांत पडूं येता. एकाग्रताय वाडोवप गरजेचें. शेत जमनीचो वेव्हार फायद्याचो पडटलो.

लग्नाचे म्हूर्त

१(२१.०२), ३(१९.०२), ४(७.३७,१२.३७), ७(७.२५,१२.३८,१९.०३,२०.३९), ८(७.२०,१२.३८,१९.०३), ११(१०.०२,१२.३९), २०(१२.३९,१९.०२), २१(१२.३९,१९.०२), २२(१९.०१), २३(१०.४०), २७(१०,२०,१२.४०), ३१(१०.०८,१२.३९,१८.५९),


धरतरेवयले न्हय ते. अर्दवर जालें अजून इगईक नात !
ह्या खात्याची वर्षुकी उलाढाल आसा फक्त ०९ कोटी ? असल्यांनी समाजसेवा कशी करतलों हांव !
उडकी मारतना हांव मेलो जाल्यार !
भियेवं नाका ! सिनेमाचो हो निमणो शॉट !
भारताचो क्रिकेट पंगड बरो खेळटा !
घडये कोच ना म्हण आसत !

अंतर्मनांतले अंतरंग....

एक हायली फिलॉसॉफिकल कॉलम...

सद्या गोंयांत कॉमीक पळोवंक मेळटा. गोंयचें राजकारण सोडलें जाल्यार हालीं तेंपार कॉमीक गजाली गोंयांत पळोवपाक उण्योच!

राजकारणांत देंवप वो पडप ही गजाल एका काळार व्हड त्यागाची गजाल थारताली आनी ते समाजसेवेकडे लोक आदरान पळयताले. राजकारणांत सक्रीय वांटो घेंवपी मनीस तसोच देशप्रेमान उपाट्ट भरिल्लो आसचो पडटालो. ताका आपल्या घरा-दाराची होळी करची पडटाली. आपल्या भुरगे-बाळांक उबंत उडोंवचें पडटालें. ताका लागून जे कोण समाज सेवेचे व्रत घेवन राजकारणांत देंवतात ते चडशे संवसारीक प्रपंचांत पडप टाळटाले.

आतां हें सगळेंच उरफाटें जालां. हालीं जाका ही असली समाजसेवा करपाची आसता ताका पक्षाची उमेदवारी घेवपाक लटाफटी करच्यो पडटात. लाख्खांनी रूपया टिकेटी खातीर दिवंचे पडटात खंय! पणजेची उमेदवारी घेवपाक दिनार तारकारान एक कोटी रुपया दिल्यात अशें लोक उलयतात. हांवें ह्या दिवप्यांक आनी घेवप्यांक लागशिल्ल्यान पळयल्ले कारणान एक कोटी नासले तरीं कांय लाख आसूं येतात. तातूंत कितें लटीक आसा अशें म्हाका दिसना. दिसता ती कॉमीक!

आरे कोणें सांगलां हें, तिकेट घेवंक लाख आनी कोटी दी म्हण! मागीर तिकेट मेळटकच परतून लाखांनीच न्हय तर कोट्यांनीं रूपया मतां मेळोवपा खातीर मत्तदार संघांत ओतें! बाबुशान ताळगांवां आपूण वेंचून येवचो म्हण आनी ताळगांवां आपली बायल जेनिफर वेंचून येवंची म्हण कोट्यांनीं रूपया मोडल्यात खंय! थंय पिरवळा जो रवीन्द्र केळेकाराचो मतदारसंघ, त्या मतदारसंघांत दिपक ढवळीकारान खंय वेंचून येवंक पांच कोटी खर्च केले.

आतां एक कोटीचेर कितलीं शुन्यां आसतात आनी हे इतले दुडू कशे खर्च करपाचे आसतात हाची जाणविका जरी म्हाका नासली तरी एक कोटी म्हळ्यार शंबर लाख इतलें तरी कळटा आनी म्हाका जर कोणेंय थोडे लाख दिले वो म्हजे कडेन आसले जाल्यार समाजसेवा करूंक ही पक्षाची टिकेट विकती घेवचे परस हांव विमानाची टिकेट काडून हो पुराय संवसार भोवून पळोवपी.

हो संवसार इतलो सुंदर आनी तातूंत इतलीं अचर्यां भरल्यांत कीं तीं पळोवंक एक जल्म पावचो ना. संवसारांत इतले तरातरांचे लोक आसात कीं तांचे चाल-चलणुकेर, रिती-रिवाजांचेर एक धांवती नदर भोंवडायतलों म्हळ्यार पासून हें आयुश्य पावपाचें ना. तेन्ना लाख्खांनी रुपया खावोवन उमेदवारी घेवप, मागीर लाख्खांनी रुपया मतदारांक लाटून वेंचून येवप तेंय बी ह्या समाजाची समाजसेवक जावन सेवा करपा खातीर! कोणें सांगलां हें म्हज्या सारख्याक?

अशें आसलें तरी म्हाका विधानसभा, लोकसभा म्हणटात त्यो पवित्र सुवातो अशें अजून दिसता. दिसता म्हणचे परस हांवें शिक्षण घेतिल्ल्यान तशें म्हाकां गिन्यान मेळ्ळां. तें मेळ्ळां देखून ह्या दोनय सभाघरांकडेन हांव आदरान पळयतां. ते पवित्र सुवातेर लोकांचो प्रतिनिधी म्हण वचपी, तसोच पवित्र, उच्च विचारांचो, बुदवंत, समाजसेवेची तळमळ आशिल्लो, बऱ्या पयकी वाद-विवाद करपी, आपल्या मतदार संघाचे प्रस्न पुराय ताकदीन सभाघरान मांडपी आसूंक जाय हें हांव अजून मानीत आसां.

आतां जे कोण लाख्खांनी कोट्यांनी रुपया, तेय आपल्या बोल्सांतले मोडून थंय वचूंक सोदतात तांकां समाज सेवेची तळमळ आसा. देखून ते तशे करूंक धडपडटात हातूंत म्हाका दुबाव घेवपाचो ना. हांव तशें करिना कित्याक तर म्हजे कडेन दुडू ना आनी तितली समाज सेवेची



तळमळूय ना. मोग आसल्यार गरम वडे घांटार पावतात खंय! तशी समाज सेवेची तळमळ आसल्यार दुडू खंयच्यानूय येंव येता. पूण असली समाज सेवा करूंक म्हजी कसली गरज आसा? तरीय पूण जेन्ना हांव आपल्या बोल्सांतले वो हाजे ताजे कडच्यान घेवन ते मतदारांक दिवन हुवाळून उडयल्ले लोक जेन्ना आमदार मंत्री जावन विधानसभेंत बसतात तेन्ना नाय म्हळ्यार म्हज्या फिलॉसॉफीक खंय तरी वेर वता. दिसता आरे हांगा तर हांवें वचपाचें! नातर म्हजे सारख्याच विचारांची एक स्वतंत्र बैठक आशिल्ल्या लोकांनी वचपाचें. पूण आमकां कुशीक दवरून जांकां कसलेच विचार ना ते लोक थंय कित्याक वचूंक सोदतात काय?

कित्याक वचूंक सोदतात तें म्हाकांय सारखें उमगूंक ना. तें उमेदवारांक आनी मतदारांक बेस बरें कळ्ळां आसूंक जाय. तेच पासत निवडून येवंक आनी निवडून हाडूंक ते धडपडटात, जिवाचें रान करतात.

म्हाकांय केन्नातरी हो अणभव घेवपाचो आशिल्लो. एराज्म शिकेरीन मुखार धुकल्लो म्हूण हांवूंय एक-दोनदां वेंचणुकेंत पडलों आनी पडलोंय. दुडवां मुखार म्हजी हाय फिलॉसॉफी मतदारांक व्हडलीशी पचली ना. बरो मनीस, कितेंय तरी करूंक शकता पूण बाबड्या कडेन दुडू ना. ताचो घराचे वण्टीर फोटोच लावपाचो. अशें कितें तर तांचें विचार आशिल्ले. आतां बस चुकल्या. परत बस स्टॉपार नाका. आतां वावुरपाचें तें ह्याच लोकां खातीर! टिकेट मेळोवन दिवपा पासून निवडून हाड मेरेन. कित्याक तें करतना तरी एक कोटीचेर कितलीं शुन्यां आसतात तें तरी जाणा जावन घेवंक मेळटलें.

■■■

व्यक्तित्व



जन्म तारीख : २१ सप्टेंबर १९४५

जन्म गांव : पाळोळे

आवडिचें स्थळ : मनाली

जिविताचेर प्रभाव घालपी व्यक्ती :

मुंबयी कॉलेजांतली मैत्रीण आनि गुरुता हिंदी सिनेमांत रावपी काका श्रीशंकर गुप्ता हे अेकेच भेटीत आपले वाग्वुकेन आनी विचारसरणेन म्हजेर आपलो प्रभाव सोडून गेले.

आवडिचे कलाकार आनी तांची कलाकृती :

नवो रूप आसात पूण अेक नाव घेतां सर्वोत्त कवी र. वि. पंडीत हांचे दर्सा गाजोता हें पुस्तक

जिणेचें तत्वगिन्यान आनी ताचो कलेचेर प्रभाव :

जिरेस्तकाचेपरस सेवेदनशिलतेक हांव चड म्हत्व दिता. म्हज्या कथानीच हें आपसूकच दिश्टी पडटा अशें म्हाका दिसता.

पुराय नामो :

'श्रेयस' - विद्यानगर कॉलनी - लेन 3
विद्यानगर - मडगांव -
403601

हस्ताक्षर :

मीना काकोडकार
28/6/07

मीना काकोडकार

कोंकणी कथेंत आपली अशी खाशेली सुवात निर्माण केल्ली कथा लेखिका. आदल्यो मीना दु. गायतोंडे.

आपल्या कथांतल्यान मीना आमचे भोवतीं वावुरतलीं जितीं मनशां, तांच्यो विवंचना, सुखां-दुखां, तांचे हावेस, उमेदी, तांचें आगळेंपण, तांचो सभाव आनी व्यक्तित्व वेग-वेगळ्या कोनांतल्यान चित्रायतात.

मीनाक ताच्या सपनफुलां ह्या कथा संग्रहाक १९९१ वर्साचो साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला. 'कथा' हो पुरस्कार दोन पावटी 'आपले परकी' आनी 'शीण' ह्या कथांक लाबला. ताणें मुंबय 'फायन आर्टस' चें दोन वर्सां शिक्षणय घेतलां.

बागकाम, अभिनय हांच्यावांगडा ताका समाज कार्याचीय रूची आसा. 'गोवा ॲनिमल वॅलफेर ट्रस्ट' हे बिगर सरकारी संस्थेची तें ट्रस्टी आसा. ही संस्था रस्त्यावेल्या कुत्र्यांचें निर्बिजीकरण करता.

तीं कांय जाणां मेळून समाजातर्फे 'वधू-वर' मंडळ चलयतात. कलांगण Centre for performing Arts हे संस्थेचें मीना Treasurer आसा.

कला अकादमीचे नाट्य सर्तीत मीनाक खुबदां उत्कृश्ट भुमिका केल्यात आनी पुरस्कारूय जोडल्यात. ताचे दोंगर चवरला, सपनफुलां, साळकांतलो जादुगार, काणयों देखदिण्यो-खोसदिण्यो हीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत.

भलायकीच्या वावराक ओंपून घेवया...



सुखान आनी समाधानान हांसचें म्हूण एक उपाय!

हर एक गोंयकाराक वैजुकी विमो दिवन गोंय सरकार लोकांच्या भलायकी खातीर वावुरता. म्हणशात कित्याक? उदरगतीचो ध्यास घेवपी खंयच्याय राज्यान लोकांची भलायकी बरी आसत तर थंय जीवीताची बुनियाद घट्ट उरता, हाजेर आमचो पूराय विश्वास आसा म्हूण.

निधर्मी आनी संपन्न गोंय उभारूया

Working towards a Prosperous Goa

सत्यमेव जयते

GOVERNMENT OF GOA

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

POSTAL LICENCE NO: GR/RNP/GOA/01/2006-08 JULY : 2007

It's July...

Stay in tune with the rhythm of the rain.

In July, the heavens shower their blessings upon Goa with invigorating, cooling showers of rain. It is a time when hotels and resorts offer tempting and attractive holiday packages to visitors, with generous discounts and free facilities thrown in. It is a time also to play safe and avoid swimming in the dangerous seas.

Occasionally, the massed clouds retreat and the sun peers through, showering rays instead of rain. These intervals of bright sunshine punctuate every monsoon in Goa, luring, and alluring, every visitor.

Monsoon is more than just a season in Goa, it is the moment of rejuvenation.

GO GOA
A perfect holiday destination

DEPARTMENT OF TOURISM For more details and updated schedules of celebrations please visit www.goatourism.org

GOVERNMENT OF GOA, Patto, Panaji, Goa 403001, India. E-mail:goatour@sancharnet.in

Advertising Associates

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, GSB-3, Housing Board Colony, Porvorim-Goa
& Printed at Shyadri Offset Systems, Khorlim, Goa. Editor : Dilip Borkar